गोकुलदास प्रभु

कोंकण टायम्स

गोंय मुक्तिदिन अंक -८६

सांवळी अप्सरा

ादक : तुकाराम शेट

मोल : १ रुपया

ादीक बरोवपी : डॉ. विनायक मयेंकार, नागेश करमली, यशवंत रामाणी,
माया शेळडेकार श्रीकांत पालसरकार, डॉ. सिताकांत घाणेकार,
मांगिरिश काकोडकार, गोपाल ह. नाईक, आर. रामनाथ,
सुरेश पिळर्णेकार, निलबा खांडेकार,
महेश कोरगांवकार, चंदानंद

मशिनहीन
हर

कोंकण टायम्स

गोंय मुक्तिदिन अंक १९८६

गोंयकारांच्या मनाची उदरगत

गोंयच्या स्वतंत्रतायेक पंचवीस वर्सां जाली. या काळांत गोंयकारांची भौतिक उदरगत जायत आसा. पुण गोंयकारांच्या आंतरिक उदरगतीकडे कोणेच लक्ष दिलें ना. या पंचवीस वर्सांत गोंयकारांचे मन जशें घडपाक जाय आसलें तशें घडलें ना. ताच्या मनाची ज्योत या मातयेच्या संस्कृतायेच्या बळग्यान फुल्लीच ना, तेजवंत जालीच ना.

गोंयची भौतिक उदरगत घडटा पुण संस्कृतीक उदरगत घडटा कांय? हांगासल्ले कोंकणी संस्कृतायेक राखण मेळटा काय? हांगासल्ल्या साहित्याक, लोककलेक, लोकवेदाक राखण आनी पोसवण खऱ्यानी मेळटा कांय? जे भाशेतल्यान बरे तरेन मन उगतें जाता आनी जी भास भुरग्यांक संस्कृतायेचे दूद दिता ते आवयभाशेतल्यान भुरग्यांचे शिक्षण जाता कांय? –ना. मागीर हांगाच्या मातयेत किल्लल्या भुरग्याचे मन आनी व्यक्तिमत्व कशें घडटलें तर? तेन्ना गोंयच्या भुरग्याचे मन पोले दवरून फकत भौतिक उदरगत करपांत अर्थ ना.

भौतिक उदरगती वांगडा गोंयकाराची आंतरिक उदरगत जावपाक जाय. गोंयकाराच्या मनाक या मातयेच्या संस्कृतायेचें बळगें मेळपाक जाय तेन्नाच खरी उदरगत जाली अशें म्हुणू येत.

– संपादक

संपादक :
तुकाराम शेट

संपादन पालव :
प्रकाश द. नायक
महादेव भोसले

उजवाडावपी :
हिरा शेट

छापपी :
रवि मुद्रणालय, बेळगांव.
फोन : २३०७९

कोंकण टायम्स पब्लिकेशन
बेती, बार्देश, गोंय–४०३१०१

लेखांतलीं मतां त्या त्या लेखकांची.

Regd. R. N. No. 39874/83

काडलो. लोकांचे कितेंय दोळे उगडत म्हणून रावले. पुण मागीर आमी यु. गो. च्या मनशांक तांची पार्टी विसर्जित करूंक लावन काँग्रेसीन घेतले. १९६८त आमचे निवडून आयलेले कमिटीन मडगांवा अ. भा. काँ. कमिटीचे अध्यक्ष भौ. निजलिंगप्पा हांचे अध्यक्षतेखाल भल्लेल्या कॉन्फरन्सान कोंकणी आठव्या कलमांत आनी अलग राज्य हे ठराव पास केल्ले. हो कोंकणीचो ठराव हांवें आनी अलग राज्याचो ठराव भौ. चंद्रकांत केणी हाणीं हाडलेलो. पुण हो ठराव शेवटपर्यंत बदलेलो नासलेलो इतकेच न्हंय तर यु. गो. चे नंतर महाराष्ट्रवादी पार्टीतल्यान जे लोक काँग्रेसीत आयले ताणीं त्या ठरावाक निवडणूकांच्या वेळार कोंकणी आनी अलग राज्याचो पुरस्कार करुन पालव दिला.

१० सप्टेंबर १९८५ आयलो आनी पी. सी. सी. आनी आमदारांच्या काँग्रेसीच्या सभेंन कोंकणी राज्यभाशा जांवची म्हणून ठराव पास जालो तो एक मतान.

कोंकणी भाशेचेर पयलीं टीका आसलेली ती मराठीची बोली म्हणून. भाशा न्हंय म्हणून. पुण ती भाशाच न्हंय तर त्या भाशेबरोबर आपणाकय राजभास करची म्हणून मराठी तयार जाल्या. कोंकणीच्या लेखकांनी जी तपश्चर्या केली तिचें हे फळ आयलें खरें पुण तें अजून हाताक लागचें आसा.

गोंयांक गिळूक उठलेलो हार अजून वळवळता तो गोंयकारांचे अज्ञानाचेर, अपुऱ्या निष्ठेचेर, फटीच्या धर्मभावनेचेर आनी शेवटीं चार शेकडे जीण जियेवन गोंयकारांक लाचारी आनी अज्ञान आयले त्या त्यांच्या गुणांचेर.

म. गो. आनी युगो दोनय पक्षाचे लोक आज काँग्रेसचें निधर्मी (!) राज्य चलयतात. मात तांतूत ताणीं काँग्रेसचीं तत्वां स्वत्ताच्या 'खूर्च्यांक' लागून पार रसातळाक व्हरून पावयल्यांत. काँग्रेसींत येतना तांणी आपल्या पोन्न्या लक्तरांच्यो, फाळयांच्यो पोटल्यो फाटीर मारुन हाडलेल्यो हें पितळ आज उगडें जाता. धर्मीकपणाक पुसन उडोंवचें जाग्यार ताणी धर्म आनी जातींचो बुजबुजाट काँग्रेसींत घडैला. गोंयच्या एका मोठ्या फुडाऱ्यान म्हळां 'गोंयांत काँग्रेस आसलेली त्यावेळार गोंयांत काँग्रेसीचे राज्य नासलेलें. आज काँग्रेसीचे राज्य आसा पुण काँग्रेस मात ना!'

स्वतंत्र जालें तेन्ना गोंयांत जसो गोंयकार आसलेलों तसोच तो अजून उल्ला. चार गोंयकार एकठांय जाल्यार तेवेळार हांव म्हंटालों, एकटो म्हंटा म्हजी आवयभास कोंकणीं, दुसरो म्हण्टा म्हजी आवय-भास मराठी, तिसरो म्हण्टा हाजेर आपणे अजून विचार करचो आसा आनी चवथो म्हण्टा आवयभास म्हणजे कितें हें म्हाका खबर ना !

दुर्दैवान आजय ही परिस्थिती चालू आसा. ती बदलून वचूं नये म्हणून पयलें सरकार तशेंच आयचे सरकार दक्षता बाळगीता.

पांच वर्सांपयली 'नवें गोंय' हें वर्तमानपत्र काडपाचे आशिल्लें. ताचो जन्मदातो भौ. गुरुनाथ केळेकार. ह्या वर्तमान-पत्राचें उद्घाटन म्हजे हातांत जाल्लें. तेन्ना हांवें उल्लो मारून सांगलेलें कीं दोनय बाजूंच्या समाजाच्या फुडाऱ्यांनी एकठांय येवन गोंयच्या फुडाराचेर विचार विनिमय करूंक फावता.

त्यानंतर काँग्रेसच्या दोनय फुडाऱ्यांक डॉ. विलीबाब आनी भौ. अनंत (बाबू) नायक हांका मेळून स्वतः ही मागणी केली. पुण ताचेर दुर्लक्ष जाल्लें.

आजय ही गरज आसा. वेळ आसा. वचूंक ना. पुण कोणाक ताचें पडलां ? त्याला पाहिजे जातीचेच !

जाणून बुजून जातीयतेचो हो ब्रह्मराक्षस चिथावन ज्यांणी उबो केला ते सत्ता लोलूप आसात. ते बदलत तेन्नाच गोंयचो फुडार बरो आसतलो.

गोंय कोणच व्हरचे ना. तें आपणच काबार जातलें अशी म्हण आसा. म्हणजेच नेहरूंच्या शब्दांत 'अजीब है गोवा के लोग.' हातूंत गोंयकारांची पूर्ण वळख दाखयल्या. गोंयकाराक नेहरून आजापाचो म्हळा अज्ञान, मुर्ख अशें म्हणूक ना. तो सज्ञान आसा, मुर्ख ना. पुण तत्वशून्य जीण जगता. असल्याचो फुडार कितें?

आपले आवयकडेन बोबडे बोलापासून उलोंवक शिकलेली भास ती भास आपली मायभास न्हंय अशें मानपी जगाचे फाटीचेर एकच गोंयकार आसा. शाळेंत शिकलो ती भास मायभास, दुसरी घरची भास आपली मायभास न्हंय अशें मानपी अजापाचो खंय आसत ?

१० सप्टेंबर १९८५ एक ठराव पी. सी. न पास केलो. आनी २ ऑक्टोबराक, निधर्मी वृत्तीचे, ज्यांनी जातीयतेच्या आड आपलें रक्त दिले, त्या म्हान गांधीजींच्या जन्मदिसा जो मेळावो पणजे भल्लो तो सगळोच पळोवन म्हाका दिसलें ही पंढरपूरची आषाढी एकादशी न्हंय मू ? असो भास जालो. टाळ, मृदंग, नामदेव तुकारामाचो गजर, हातांत घुडी आनी स्टेजीचेर तुकारामाचो पुतळो, हे पळोक हो भाशेचो मेळावो असे कसे दिसत ? भाशेक दिंडयो लागतात ?

तर गोंयच्या भाबड्या लोकांक फसोवन सत्तेर रावचेली ती आकांक्षा.

लोक केन्ना शाणो जायत ?

पुण खूब आशा आसा. गोंयकार आपले भाशेचो ध्येयवाद करून त्यागाक उठला. तांतूंत तो जैतिवंत जातलो. —०—

धालांचे दीस–

'धालो'

(संकलन : श्याम वेरेंकार)

पुस्तक आमचेकडे मेळटा.

मोल : १० रु. मनिआर्डरीन धाडून घरपावतें मागयात

— कोंकण टायम्स पब्लीकेशन

बेती, बार्देश, गोंय ४०३१०१.

त्रिश्तांव ब्रागांझ कुंज्य : विचारवंत म्हालगडो झुजारी

— नागेश करमली

अमर उगडासाचे त्रिश्तांव ब्रागांझ कुंज्य म्हळ्यार ह्या शेंकड्यांत, आमच्या काळार जावन गेल्लो अेक व्हड विचारवंत म्हालगडो झुजारी. त्रिश्तांव ब्रागांझ वा टी. बी. कुंज्य म्हळ्यार, गोंयचे मुक्तीचो लढो हो भारतीय राष्ट्रीय स्वातंत्र्यसंग्रामाचोच अेक भाग अशें मानून ते प्रमाण वावुरपी अेक प्रखर देशभक्त. गोंयच्या मुक्ती-संग्रामांतलें निमाणे पर्व सुरू जालें तेन्ना, ते चिड्डून उडोवपाचे नदरेन, पुर्तुगेजांनी जी जुलूमशाय सुरू केली, तातूंत सगळ्यांत पयलीं व्हडांतली व्हड ख्यास्त जांकां फावो जाली ते म्हळ्यार टी. बी. कुंज्याच. पुराय अहिंसक मार्गान चलिल्ले चळवळींतलो अेक म्हालगडो म्हणून पुर्तुगेजांनी तांकां आठ वर्सांची बंदखण फावो करून, ती ख्यास्त भोगूंक पुर्तुगालचे बंदखणीत धाडले. अेदी व्हडली ख्यास्त फावो जाल्लो, गोंयच्या सुटके चळवळीच्या निमाण्या पर्वांतलो तो पयलो गोंयकार. बंदखणीत घालचे पयलीं तशेंच उप्रांतय पुर्तुगेजांनी कुंज्याचो खूब छळ केलो. गोंयांत तशेंच पुर्तुगालाक बंदखणींत आसताना ते खूब बरे ना जाले. तेन्ना तांकां फावो तें वखद- विर्सद जालें ना. हाचो नंतरच्या काळांत तांचे बलायकेचेर खुबच परिणाम जाल्लो.

टी. बी. कुंज्य हे भाटकार कुटुंबांत जल्मल्ले. गिरेस्त-कायेंत वाडिल्ले. पुण त्या सुखांतच समाधानी रावपाची हेर 'भाटकार पुतां'ची वृत्ती टी. बी. कुंज्यांमदें नासली. ते तेन्नाच्या पणजे लिसेवाचेर शिकप घेताले. तांकां जेन्ना दिसलें कि लिसेवाचें फिरंगी शिकप मनशाक 'मनीस' जावंक उपकारपाचें न्हय, तेन्ना ताणी तें सोडलें आनी घरच्यांचे अनुमतेन, ते तेन्ना फ्रेंचाचे सत्तेखाला आशिल्ले पाँडेचरीक गेले. थंय ताणी फ्रेंच कॉलेजींत आपणालें पदवे मेरेनचे शिक्षण पुराय केलें. पुर्तुगेजांपरस हांगाची शिक्षण पद्दत जायती फुडारिल्ली आशिल्ली, पाँडेचरीसून कुंज्य मागीर पारिसाक गेले. थंय सोर्बोन विद्यापीठांत अुंचलें शिकप करून ते इलेक्ट्रीकल्स इंजिनियर जाले आनी इंजिनियर म्हणून कांय वर्सां फ्रांसांत ताणी कामय केलें.

फ्रांसांत आसताना टी. बी. कुंज्याक जायते नवें शिकपाची आनी राजकीय नदरेन संवसारातले फुडारिल्ले क्रांतीकारी विचार आपणावपाची संद मेळ्ळी. भारताच्या स्वातंत्र्याखातीर येरोपांत रावन वावर करप्यांमदे, अर्थात कुंज्याय वांटेकार जाले. भारतीय स्वातंत्र्य संग्रामावयर ताणी फ्रेंच नेमाळ्यांनी फ्रेंच भाशेत कितलेच लेख बरयले. जालियानवाला हत्याकांडा संबंदान इंग्लेजांच्या फट-किच्या प्रचाराक, फ्रेंच नेमाळ्यांनी लेख बरोवन कुज्यांनीच सणसणीत जाप दिली आनी सत्य परिस्थिती संवसारामुखार मांडली. नामनेचे फ्रेंच बरोवपी आनी विचारवंत रोमां रोलां हांचेय कडेन कुंज्यांचो संबंद आयलो आनी तेन्नाच्यान ते एकामेकांचे जल्मजुगाचे इश्ट जाले. रोमां रोलांनी घडयिल्ले भारत-समिती हे संस्थेचे ते वांगडी आसले. साम्राज्यशाय विरोधी संघांतय, कुंज्यानी फ्रांसाक आसताना मोलादिक असो वावर केल्लो. भारतांत तेन्ना स्वातंत्र्याचें आंदोलन नेट घेतालें. महात्मा गांधीच्या हातांत चळवळीचे फुडारीपण आयिल्लें. ह्या वेळार, टी. बी. कुंज्यांनी महात्माजिली जीण फ्रेंच भाशेत बरोवन अुजावाडायिल्ली.

चौदा वर्सां फ्रांसांत वाडले उप्रांत, कुंन्य १९२६ वर्सां मायदेशांत परत आयले आनी तेन्नासावन ताणी आपणाली पुराय जीण लोकांचे आनी राष्ट्राचे सेवेक ओंपली ती जिविताचे अखेरेमेरेन. भारतांतलो स्वातंत्र्य संग्राम आनी गोंयची मुक्ती ह्यो दोन गजाली वेगळ्यो अशें कुंज्यांन केन्नाच मानले ना. आनी हेच नदरेंतल्यान फुडाकार घेवन १९२८ वर्सा ताणी गोवा काँग्रेस कमिटी घडयली. ही कमिटी भारतीय राष्ट्रीय काँग्रेसीक जोडिल्ली. आनी हे भाशेन, कुंन्यांनी, कितलीशींच वर्सां आदी गोंयचे निमाणे सुटके चळवळीची बुन्याद रचून दवरिल्ली. ह्या वावराक लागून कुंज्यांचो भारतांतल्या ज्येष्ठ फुडाऱ्यांकडेन संबंद येवंक पावलो आनी ताचो गोंयकारांचे नदरेन जायतो फायदोय जालो.

कुंज्य फ्रांसाकसून भारतांत आयले त्या काळार ब्रिटिश मळेवाल्यांनी, गोंयांतल्या कुणबी समाजांतल्या वावराड्यांक बरे जोडीची आस्त दाखोवन गोंयच्यान आसामांतल्या च्याच्या मळ्यांनी काम करूंक व्हेल्ले. एक फावट आसामांत पावनाफुडें, दिल्लें उतर मोडून ब्रिटिश मळेवाल्यांनी ह्या गोंयकार वावराड्यांक मनशापणाभायली पिडणूक दिवंक सुरवात केली. कुंज्यांक जेन्ना ही खबर कळ्ळी तेन्ना तांचें मन हे आडनितीआड सामकें बंड करून उठलें. ताणी गोवा

काँग्रेचे कमिटीचे वतीन आसामांतल्या ह्या गोंयकार वावराड्यांक गोंयांत परते हाडपाचे नदरेन प्रयत्न सुरू केले. पं. जवाहरलाल नेहरू तेन्ना काँग्रेसचे महासचिव आसले. तांचे मदतीन, गोंयकार वावराड्यांक गांवघरा हाडपांत कुंज्य यशस्वी जाले. गोंयकार वावराड्यांचे हे छळणुकेची खबर मागीर ताणी Comouflaged Slavery हें पुस्तक बरोवन उजवाडायली.

१९४१ वर्सा, सुमाराभायर पावस पडून गोंयच्या कांय भागांनी आखांताळी बुड्टी आयली. लोकांचीं घरदारां, शेतभाटां हांचे व्हड लुस्काण जालें. गरजेवंतांक आधार दितलो कोण ना जालो. सालाझारालें पुर्तुगेज सरकार तर हातपांय पांगरुन बशिल्ले. अशा वेळार टी. बी. कुंज्य हाणी फुडाकार घेवन हुंवार-पिडितांक आधार दिवंक मदत-कार्य सुरू केलें. दुडू एकठांय केले आनी ते गरजवंताक वांटले. आनी हे तरेन दीन-दुर्बळांखातीर वावुरपी त्रिस्तांवाचें अेक नवे दर्शन गोंयच्यां लोकांक घडलें.

त्या अुप्रांत, १९४६ वर्सा डॉ. लोहियांच्या फुडारपणाखाला सुरू जाल्ले गोंयचे सुटके चळवळींत कुंज्यानी जो वावर केलो आनी ते खातीर तांकां जे देहदंड सोंसचे पडले ते विशीं हांगा आनी वेगळें कितें सांगपाक जाय अशें ना. १९४६ वर्सा जुलायच्या म्हयन्यांत तांकां आठ वर्सां बंदखणीची ख्यास्त जाली आनी रोखडेच तांकां पुर्तूगालाक व्हेले. थंय १९५० मेरेन ते पेनीशचे बंदखणींत उल्ले. मागीर आम्नेस्टी लावन तांकां बंदखणीतले सोडले. पुण गोंयां परतूंक दिलें ना. ताणी लिस्बनाकच रावचें अशें तांचेर बंधन घालें. सुमार अडेच-वर्सां ताणी तशींच लिस्बनांक रावन काडलीं. आनी (एक दीस जेन्ना संद मेळली तेन्ना ते पुर्तुगेज 'पिदे' (P.I.D.E.) पुलिशेची पर्वा करिनासताना सरळ पारिसाक गेले. त्रिस्तांवबाब आतां परते मेकळ्या संवसारांत आयिल्ले. पारिसाक सावन १९५३ सप्टेंबरचे चार तारकेक ते परते भारतांत आयले. त्रिस्तांवांसारको विचारवंत फुडारी पर्थो आपलेमदें आयिल्लो पळोवन, मुंबयत रावपी गोंयकार राष्ट्रवाद्यांक अेक नवी अुर्बा आनी स्फूर्त मेळ्ळी. फिरंगी बंदखणींतले हालअुपाद्रे सोंसून परते आयिल्ल्या त्रिस्तांवबाबाक, विसवाची खूब गरज आसली. पुण खंयचो विसव आनी खंयचो थार? विस्कळीत जाल्ले गोंयचे सुटके चळवळीक अेक नवी गती आनी नेट हाडपाची गरज आसली. कुंज्य ते नदरेन रोखडेच वावराक लागले. ते खातीर कुंज्यांच्या गुखेलपणाखाला गोंय कृती समितीची (Goa Action Committee) स्थापना जाली. हे समितीन, गोंयचे सुटके खातीर वावुरपी वेगवेगळ्या पंगडांक अेकठ्यांय हाडपाचो मोलादिक असो वावर केलो.

हो अेकचाराचो आनी चळवळीक नेट हाडपाचो वावर चालू आसतानाच टी. बी. कुंज्य हाणी कोंकणींत 'आझाद गोंय' आनी इंग्लेजींत 'फ्री गोवा' ही नेमाळी उजवाडावपाक सुरवात केलीं. ह्या नेमाळ्यांवरवीं कुंज्यांनी आपणाले विचार लोकांमेरेन पावपाचो प्रयत्न केलो आनी गोंयचे मुक्तीखातीर करपाच्या वावराची दिशा दाखयली.

टी. बी. कुंज्य जिवीतभर एक झुजाऱ्याची जीण जियेले. झुजतां झुजतां म्हण्टात तशे ताणी लोकांक अस्सल पुरोगामी विचारय दिवपाचें काम केलें. ताणीं जिवितांत खूब बरप केलें. हांतलें कांय पुस्तिकांच्या रूपान अुजवाडा आयलें. GOA'S FREEDOM STRUGGLE ह्या तांचे यादस्तीक ओंपिल्ल्या पुस्तकांत हांतले कांय म्हत्त्वाचे लेख तशेंच पुस्तिका एकठांयल्यात. ह्या तांच्या बरपांनी, एक नीज विचारवंत, खर बुद्धीचो आनी शास्त्रशुद्ध नदरेची त्रिस्तांव ब्रागांझ ठांय ठांय दिसता. कुंज्यांनी बरयिल्ल्या पुस्तिकांमदें, Portuguese India, Civil Liberties in Goa, What is imperialism आनी The Denationalisation of Goans ही बरपां खूब म्हत्त्वाचीं. ह्या पुस्तिकांनी साम्राज्यशाय, गुलामपण आनी तांचे परिणाम, हांचो इतिहासीक संदर्भ घेवन जी फोडणिशी केल्या ती म्हळ्यार स्वातंत्र्य संग्रामाखातीर गरज आशिल्लें एक अप्रूप तत्त्वज्ञानच. गोंय, गोंयकार आनी गोंयचो भूतकाळ जाणां जावंक सोदपी दर एकान टी. बी. कुंज्यांची हीं बरपां वाचूंकच जाय. तातलें तातूंक Denationalisation of Goans ही पुस्तिका सामकी म्हत्त्वाची. पुर्तूगेजांनी गोंयकाराक, भारतीयत्वापासून वेगळावपाक

बालगीत निकेतन

भुरग्यांक पारंपारिक कोंकणी बालगीतां, खेळगीतां शिकोवपाचो वावर बालगीत निकेतन करता. या वांगडा बालकविता, नाचगीतां, संगीताच्या साजाचेर नवी बालगीत रचना, काणयो, उमाणी, खेळ भुरग्यांमेरेन पावयता. आंगणवाडी, बालवाडी, के. जी., आनी मुळाव्या शाळांतल्या शिक्षक-शिक्षिकांक प्रशिक्षण दिवपाच्या वावराची येवजण. आयजमेरेन आंगणवाडी आनी बालवाडीच्या ९६ कार्यकर्त्यांक प्रशिक्षण दिलां.

खबरेखातीर बरयात.

बालगीत निकेतन

बेती, बार्देश, गोंय ४०३१०१

धर्माचो, खोटया कल्पनांचो, अंधश्रद्धांचो आनी वांगडाच जुलमी सत्तेचो कसो कसो अुपेग केलो ताची इतिहासीक तशेच सामाजिक नदरेन हे पुस्तिकेंत चर्चा आनी विश्लेषण केलां. ही पुस्तिका कुंज्यांनी १९४४ वर्सा बरयिल्ली. पुण आयज गोंयकाराचे नदरेन तातूंतल्या विचारांचें म्हत्त्व इल्लेंय उणे जावंक ना. ही पुस्तिका पयलीच जेन्ना उजवाडा आयली तेन्ना गोंयचे पुर्तूगेज सत्तेंक जबरदस्त हादरो बसलो. पुस्तिका मुंबय छापून थंयच उजवाडायिल्ली. कायद्याचे नदरेन ती बरोवपी आनी अुजवाडावप्याचेर गोंयांत उपाय घेवप शक्य नासलें. देखून, गोंयच्या पूर्तूगेज सरकारान, मुंबयतल्या कोन्सुलाक फुडे करून थंयच्या न्यायालयांत हे पुस्तिकेआड केस घाली. मुंबय हायकोर्टामेरेन हें प्रकर्ण पावलें. मुंबय हायकोर्टांत, न्यायमूर्ती छगलांमुखार ह्या प्रकर्णाची झट्टी जाली आनी शेकीं ताणी ही केस भायर उडली. न्या. छगलांनी पुस्तिकेच्या बरोवप्याक आनी उजवाडावप्याक निर्दोष म्हुण तर सोडलेच. पुण गोंयांतले पुर्तुगेज राजवटेकच मात दोष दिलो आनी कडक उतरांनी पुर्तूगेजांआड निषेध प्रगटायलो.

निमाण्या वर्सांनी, पिराय जाल्यान तशेंच वावराच्याय भारान बाब त्रिस्तांव खूब थकिल्ले. आपणाल्या जिवीत काळांत आपणांक मुक्त गोंय पळोवंक मेळत कि ना हे खंतीन तांचे काळीज विळापताळें. आनी अशेच अवस्थेंत, २६ सप्टेंबर, १९५८ ह्या दिसा मुंबय ते ह्या संवसाराक अंतरले. तांचें मर्ण होय एक नवे अणभव हाडून दिवपी घडणी जाली. ते ख्रिस्ती कुटुंबांत जल्मल्ले. पुण धर्मीक नदरेन ते खासा धर्म पाळिनासले. धर्मसंस्थांच्या मागशिल्ल्या आनी देशहिताविरुद्ध आशिल्ल्या विचाराआड ते सदांच झुजले. हाचो परिणाम तांचे मर्ण करपाक सेमितरीत गरज ती सुवता मेळना जावपांत जाली. धर्माच्या नांवान चलप्यनी जिवीतभर तांच्या आड बोटां मोडलीच. पुण मर्णा अुपरांतयांय दुस्मानकाय सोडलीना. शेकीं, मुंबय शिवडीचे चर्च ऑफ स्कॉटलंडचे सेमितरींत, तांच्या निमाण्या संस्काराखातीर सुवात मेळ्ळी. २८ सप्टेंबराक मर्णाउप्रांत तिसऱ्या दिसा तांचेर निमाणे संस्कार जाले. शिवडीचे सेमितरींतल्यो अस्थी तांच्यो एक यादस्त म्हणून आता फाटल्या सप्टेंबराचे २६ वेर पणजेत हाडून, आझाद मैदानावयले घुमटेच्या स्मारकांत मानान दवल्ल्यात.

गोंयचे जिणेंत खूब व्हड व्हड गोंयकार आयले आनी गेले. दोतोर जाले, वकील जाले, पंडित जाले, बरोवपी, कलाकार, राजकारणी जाले. वेगवेगळ्या मळांचेर गोंयकार नामना जोडून गेले. पुण त्रिस्तांव ब्रागांझ कुंज्या सारखो जालो तो एकच त्रिस्ताव ब्रागांझ. तांची सर करपी, तसलोच तीख-धार विचारांचो, समर्पित जिविताची जिती जागती देख कसो गोंयकार – त्रिस्तांवा सारखो दुसरो गोंयकार अजून जल्माक येवपाचो आसा. बाब त्रिस्तांवानी राजकारण केले. पुण केलें तें सदांच एक उंचाय सांबाळून. तांची भास, तांचें वागप, तांचें वर्तन हांकां मनीसपणाचे एक वेगळेच तेज आनी ओज आसलें. गोंयकारांनी आनी हेरांनीय जाची सदाच याद काडची आनी जाचेपासून स्फूर्त घेवची असोच तो एक मेकळ्या मनाचो आनी अुगत्या विचारांचो मनशांमदल्या मनीसपणाचेर मोग करपी मनीस आसलो.

Please buy IPA (Provedoria)
Goa Lottery Tickets generously.

Provedoria is rendering assistance to indigents, old and infirms, families in distress, victims of natural calamities, poor students for pursuing higher studies, persons of serious ill health, physically handicapped, education for deaf & dumb, family planning operated persons, stipends to doctor practising in rural areas etc.

Buy Provedoria Weekly Mini & Goa Lotteries to help the above victims.

Issued by :
I.P.A. (PROVEDORIA)

Grow Vegetable Pulses and Oilseeds

1. Vegetable, Pulses and Oilseeds form an important item of human diet being rich in proteins.

2. Grow Pulses and Vegetable on hill slopes and rice fallow lands.

3. Groundnut can be grown on sandy and light soils.

4. Agriculture Department also conduct demonstrations on pulses and groundnut on Farmers' fields.

For technical details contact your nearest Zonal Agricultural Offices or the Directorate of Agriculture, Panaji-Goa.

Issued by –

Directorate of Agriculture

Govt. of Goa, Daman and Diu
Panaji–Goa

अशी आसली आमची पणजी

– यशवंत रामाणी

म्हज्या पणजेक म्हणजे, आवय आनी बापायच्या आवयक हांवें पळेलेली तेन्ना ती थकलेली, कमर वांकलेली आनी अर्थ नाशिल्लें विसंगत उलयताली. पुण हांव जी आतां खबर सांगतां तो म्हज्या पणजेची न्हय, ही पणजी म्हणजे आमच्या गोंयची राजधानी.

हें पणजी शार हांवें पयलीच १९१७ वर्सां पळेलें. त्या वर्सा आमचे बिराड थंय आयलें. तेन्ना पासून हांव या शाराक पळेतां.

हें शार मांडवी न्हंयच्या दाव्या बाजूक वसलां. अशें बरोवपाची वास्तवीक गरज ना कित्याक तर हाचें वर्णन खूब जणानी केलां आनी ते प्रसिद्धय जालां.

१९१७ वर्सा हांव म्हज्या ल्हानपणांत पांच वर्सांचो आसताना पणजेक पयलोंच आयलों. तो म्हजो पयलोच प्रवास अेका व्हडचा–तल्यान म्हणजे उदकातल्यान जालो. सांजवेळची आमी आमच्या गांवांक लागुनूच दुर्भाट म्हुणून बंदर आसा, थंयसून जालो आनी आमी पणजेक दुसरे दिसा सांजवेळचीच पावलीं. आमचें व्हडें गवरनरच्या पालासे फाटल्यान (आताचें सचिवालय) थांबलें आनी थंयच्या अेका धक्क्याक लागलें. म्हणतगीर आमी उतरलीं आनी अेका घोडचाच्या गाडयेत बसून आमचे बिराडाक पावलीं.

तेन्ना आताचे भशेन टॅक्सी, बसी, रीक्षा असलीं वहानां नासलीं. लोक येवपाक–वचपाक खातीर घोडचाच्यो गाडयो वापरताले, आनी तिका 'करेत' अशें म्हणतालें. हे गाडयेक अेक नातर दोन घोडे बांदतालें.

सगळे रस्ते मातयेचेच, आनी येवप–वचप तांचे वयल्यान जाल्यान धूळ उडताली. तिका बसोवपाक उदक शिंपडायतालें बैलाच्या गाडयेर अेक मोठ्ठें बल्ल बसोवन, त्या बल्लाक फाटल्यान अेक नळ जोडतालें आनी तांतूतल्यान उदक रस्त्यांचेर शिंपडायताले. अशें करप मुनिसिपालीटीचें काम. त्याच भशेन रस्त्या वयलो कोयर काडून झाडप. हें सगळें काम करपाक अेक पावणेदार मुनिसिपालीटीन नेमिल्लो. कोयर अेकठांय करपाक बैलाचें ना जाल्यार रेडचाचें गाडे आसले. त्या गाडचान तो कोयर घालून अेका निर्जन जाग्यार उडयताले.

चड करून घराक पायखानें नासताले, म्हणून घरांनी रावणारे असामी घरच्या फाटल्यान सकाळी फुडे बसतालें आनिक गांवां वैली धुकरां तो जागो साफ करतालीं, हांका लागून सगळे कडे जळांरा, हुल्को असले जीव त्रास करताले.

ज्यांची घरां दोंगराचे कुशिक आशिल्ली ते असामी दोंगराचेर सकाळीं फुडें तांबयो घेवन परसाकडे वताले.

ह्या पणजे शांरातल्यो बांयो चड करून 'पंचकणी' थोडचोशो बांयो गोडचा उदकाचो पुणून त्यो अेप्रील, मे म्हयन्यांत सुकताल्यो म्हणून लोकांचे हाल जाताले.

शारांत दोनूच झरी, अेक महालक्ष्मीच्या देवळाकडली ' बोकडे-व्हाक' आनी दुसरी मळचांतली ' फोंक्ता फेनीक्स ' तांचे उदक हाडपाक बायलांची आनी दादल्यांची रांग लागताली. हांडयेर नाजाल्यार आनी हातांत कोळसुली घेवन लोक येताले–वताले.

रस्त्यार रातचो काळोख, त्या खातीर रस्त्याच्या कुशीक कांय अंतर सोडून लांकडी खांबे पुरील्लें. ताचेर चारी वटेन हारशे बसयबसयलेले मोठे डब्बें, तातून पेत्रोल (घासलेट) घातलेले दिवे हे दिवे केन्ना पेटयताले आनी केन्ना पालयताले हो अेक अजब कारबार. हें काम म्युनिसिपालीटी पावणेदाराकडल्यान करून घेताली.

शारांतल्या व्हडल्या रस्त्यांचेर मात् किट्सन हे नांवाचे व्हडले दिवे पेटयताले. ते पेटयता आसताना पेटोवपी मनीस जमनीर रावून वाफ कशी दिताले ते पळोवक मजा दिसताली.

आतांचे बशेन इलेक्ट्रीसिटी नासली. ती पणजेत अदमासान १९२० सालांत आयली जांवये. जंय पयलीं कलाअकादमीचे थेटर आसलें त्याच जाग्यार ताचे पावर हावस आनी थय बसयलेल्या इंजीनाचो आवाज येदे मोठ्यान जातालो कीं थंय शेजारच्या लोकांक न्हीद पडपाक बरेच त्रास पडताले.

शारांतली चड करून घरां अेक मजली, थोडीशी दोन मजली आशिल्ली ना अशें न्हय. पालासे कडली (सचिवालय) व्हडली घरां, तीं कांय घरां आजुनूय आसात.

१८४३ वर्सा कोंदि-दँ–आंतश् ह्या नांवाचो विसरैन (गवरनर) पणजेचें ' नोव्ह गोव ' अशें नांव बदलून गोंयची राजधानी केली. तेन्ना कांय गिरेस्त आनी मोठे वेपारी हांका पलासे लागीच

रां बांदूक लायलीं. म्हापशेचे जोशी हांका जी सध्या वागळे बल्डिंग म्हणून ओळखता तें, कुंभारजुवेचे केंकरं, मयेंचो फिरंगी ो– जुझे– नोरोन्य आतां दोतोर दुमींगीत सौज हांचे वारीस– ार, मातेउश गोमीश आताचे, दामोदर मंगलजी आनी भरणे कंपनी हांचे घर अशी कांय घरां, शिवाय धेप्यांचें मातृशे पयस अशी कांय घरां. ह्या शिवाय पालासीक लागूनूच ' फाझेंद ' व्हडलें घर आनी म्हामय कामत आनी सांखवाळकार हांची लांब तेकुनूच दोन घरां.

आतांचो ओवरें रोड हो मार्ग फक्त मळ्यातल्यान चार खांब्याकडे वतालो, म्हणून मोटारी, गाडयो तीस–चाळीस वर्सां फाटल्यान मळ्यातल्यानूच वताल्यो.

पाट्याक लागून जो न्हयेचो व्हाळ आसा, थंय ताळगांवचे किरीस्तांव लोक, आडाव म्हणून नव्याच्या फेस्ता दिसा वाजयत–गाजयत खेळ करताले आनी मोठ्ठी मजा दिसताली.

' आलतीन्हो ' म्हणून जो वाडो आतां वळखतात, जंय आतां व्हडले लोक आनी मंत्री रावतात त्या दोंगरार फक्त भिश्पाची पालास् आनी आताईद ह्या नांवाचो फिरंगी हांचो बंगलो (आताचें रेडियो स्टेशन). बाकी सगळो जागो मेकळो झाडां–पेडां आशिलो. फक्त कुशीक ओपसेखातीरीय (वेदशाळा). तेंय ल्हानशे घर. थंयसून लोकांक वरां कळपाक सांजे साडेपांच वरांचेर नाळ जाताली. मागीर दनपारां बारा वराचेर कांय वर्सां जांवक लागली.

युरोपेव आनी व्हडलें गोंयचें असामी कांपालार जे बंगले आसात तातूंत भाडें दिवन रावताले. हें आनी कांय लोक पणजें चड उष्णता वाडता तेन्ना, शिवाय उदक, कमी जाता, म्हणून करंजाळे नातर केगदीवेळेर वाऱ्याक वताले. ' करंजाळे ' दर्या देगेर वशीलो अेक ताळगांवचो वाडो आनी 'केगदीवेळेर' रेझमाग कोटाच्या लागसार आशिलो दर्याची वेळ.

कांपालार आतां जी अेक व्हडली नाळ आसा त्या वटेंचो सगळो जागो, लोक थंय वाऱ्याक येताले आनी नाळी कडेन बसतालें कांपालाफुडे गास्पारदीयश हो आता मीरामार म्हणून ओळखतात, थंय कोण वच नाशिल्लो. आताची कला अकादमी आनी बाकीचो वाठार सगळो दर्याची वेळ. थंय दर्याचें उदक येतालें. आतां तो जागो सगळो पुरवला आनी सुरूची झाडां लायल्यान दर्या पैसावला.

आमची शाळा महालक्ष्मीच्या सभा मंडपात भरताली, थंय हांव शिकलां. त्या शाळेचे नांव ' मुष्ठी फंड संस्थेची शाळा नं. २ ' आता थंय लागसारच वेगळे घर बांदून श्री महालक्ष्मी विद्यालय– मुष्टि फंड संस्था अशें नांव दिलां. त्या शाळेत दोन गुरुजी. तांतलो अेक रेगे हो हेडमास्तर. तो अितिहास, भूगोल, तोडचें हिशेब आनी गणित (गोखलेकृत) समजावन शिकयतालो. असलो गुरूजी, कांय अपवाद सोडलें तर बरो मास्तर आसलो. ताचेच कडेन हांव शिकलों.

पयलीची 'पणजी' आनी आताची हातूंन खूब फरक आसा. ती पणजी जरी म्हज्या पणजेच्या भशेन नीट–नीटकी नाशिल्ली तरी तिची सोबितकाय खूब तोखणायेची. आताचे भशेन मुंबयची बोट आग्वादकडे पावतकच जशी सुंदर दिसता तशीच तेन्ना दिसताली.

–✿–

साहित्य अकादेमी

मराठी प्रकाशने

अशी धरतीची माया (कन्नड कादंबरी)
कोटी शिवराम कारंथ
अनुवादक : रं. शा. लोकापूर — २५/–

साईखड्यांच्या खेळाची गोष्ट
(बंगाली कादंबरी)
माणिक बंद्योपाध्याय
अनुवादक : अशोक शहाणे — १८/–

शेजारी : पी. केशवदेव
अनुवादक : उमाकांत ठोमरे — ३०/–

निवडक सिंधी कथा
संपादक : गोविंद माल्ही आणि
कला रीझसिंघाणी
अनुवादिका : सविता जाजोदिया — १५/–

सात युगोस्लाव लघुकथा
अनुवादिका : गौरी देशपांडे — ६/–

हिंदी प्रकाशने

डान क्विजोट
लेखक : सरवान्तीस
अनुवादक : छविनाथ पाण्डेय
(तृतीय आवृती) — ४५/–

आन्ध्र कथा मञ्जुषा
संपादक : स्वामी शिवशंकर शास्त्री
अनुवादक : आर. वेंकटराव
(द्वितीय आवृत्ति) — १५/–

डोगरी कहानियाँ
संपादक : मदनमोहन शर्मा
अनुवादिका : पद्मा सचदेव — ९/–

साहित्य अकादेमी – प्रादेशिक कार्यालय
१७२, मुंबई मराठी ग्रंथसंग्रहालय मार्ग,
दादर, मुंबई–४०० ०१४
फोन : ४१३५७४४

निबंद सर्त : खास इनाम

म्हाका आवडलेलें कोंकणी पुस्तक 'रक्तखेव'

— माया पुं. शेळडेकार

वाचन हें म्हजें ल्हानपणापासूनचें व्यसन. म्हणतात खंयच्याय व्यसनापरस वाचनाचें व्यसन बरें. आज पर्यंत कितली पुस्तकां वाचली हाचें कोंत आनी हिशेबूच ना. दिसांतल्यान थोडो तरी वेळ पुस्तक हातांत धरल्या शिवाय म्हाका सुखच लागना.

तांतुतली कांय पुस्तकां म्हाका इतलीं आवडल्यांत की दोन-दोन वेळा वाचुनय समाधान मेळुना. अशा वेळार खंयचें पुस्तक म्हजे चड आवडीचे हें थरोवप मोटें कठिण दिसता.

ल्हान भुरग्यांक जशे विचारचे, 'बाबू तुका खंयचे फळ चड आवडटा ?' आनी ताणे खिणात आमो, खिणांत सफरचंद, खिणांत केळें, तर थोडे वेळान तिसरेच फळाचे नांव घेवचे. ते वरी आवडीचे पुस्तक खंयचे ह्या विशी चिंतना म्हाका जाता.

भौ. पुंडलीक बाब नायक हांचे जवळ-जवळ सगळें साहित्य हांवें वाचलां पुण 'रक्तखेव' हें नाटक वाचतना प्रत्येक वेळार म्हजे मन वेगवेगळ्या अनुभवान रंगता.

हें नाटक वाचचे पैलीं हांवें दोन वेळां पळेलां. दोनय वेळा म्हाका ताच्या कथानकान घुस्पावन उडयलां. आनी वाचतना तर तांच्या शैलीन म्हाका भुल्लुनावलां. तशें पळोंवक गेल्यार तांची शैलीच काव्यात्मक, म्होवाळ आसा. तांच्या प्रत्येक पुस्तकांतल्यान तें दिसता. तांचे खंयचेय पुस्तक हातांत घेतल्यार वाचकाक संमोहीत करुन सोडटा. आनी एकदा हातांत आयिल्ले पुस्तक निमाणे पान उगडल्या शिवाय सकल दवरनच दिसना.

साहित्य अकादमीचो पुरस्कार मेळिल्ले पुस्तक 'चौरंग' सोडून सुद्धा म्हाका 'रक्तखेव' हें नाटक ह्यात्याक आवडटा.

समाजांतली कठोर सत्यां, वास्तवाचे चित्रण ते आपल्या म्होवाळ लेखणेन सोपे करुन आमचें मुखार दवरतात. तशेंच एक वास्तवचित्र ताणी ह्या नाटकांत उगतें कलां.

ह्या नाटकांत पांच पात्रां. कुष्टा, ताची धुव जयश्री, ताचो अरवळ भाचो लालू, रेंदेर मिंगेल तितिव, आनी तो.

ह्या नाटकांतली मुखेल पात्रां 'तो' आनी जयश्री. हांचे भोवतणी हें नाटक भोंवता.

नाटकाची सुरवात जाता लालू आनी जयश्रीच्या उलोवपांत. लालुचो समज आपुण कुष्टामामालो भाचो म्हणतगीर जयश्रीचें लग्न आपणाकडेन जातलें. तो प्रत्येक वेळार जयश्रीकडेन उलयतना हें दाखोवचो यत्न करता. आनी जयश्री उतरा उतरांतल्यान ताका शिटकावणी दिता. आपणाक तो आवडना म्हणपाचे सुचयता.

ह्या सबंद नाटकभर जायते संवाद सुचोवणी दिल्या वरी-एकांतल्यान दोन अर्थ दाखोवपी. लालू-जयश्रीन एकमेकांक शिटकावणी दित केल्या उलोवण्यातल्यान विनोदी वातावरण तयार जाता. आनी प्रेक्षक अेका तरल वातावरणांत पावतात.

जयश्रीवेलो मोग प्रगट करपाक ताका आवडटा म्हुण लालू हातांत आयिल्या रक्ताची पर्वा धरनासतना जांगुल्यो धरून हाडटा. आनी कुल्यो धरतना जाल्ले त्रास सांगतगीर जयश्री ताच्यो बकच्छायो करता. ताणे हाडिल्या कुल्लेचे दांगे तोडून तोडून भायर उडयता, निमणे कुल्लीय भायर मोखून मारता. तेन्ना जयश्रीन दिल्ली शिटकाणी समजून लालु न्हिन्नळटा.

जयश्री आनी लालु हांच्या मदल्या संवादाची भाशा सहज आयिल्ली कशी, सुंदर आसा. ल्हान ल्हान आनी सादी सोपी वाक्यां हे पुंडलीकबाबांच्या लेखणेचे विशेश.

जयश्री एक अल्लड भुरगें कशे. ताजी ही भुरगेपणा मिंगेल तितिवा मुखार चडच वयर येतात. तांच्या दोगांय मदलो संवाद प्रेक्षकांकय भुरगेपणात व्हरून सोडता. जयश्री जेन्ना मिंगेल तितिवाक सांगता 'मनशानी केल्ले कायदे मनीस बदलचेना जाल्यार कोण जनावरां बदलतली ? कायदे मोडूक लेगीत येतात.' तेन्ना जयश्रीच्या धीट सभावाचें दर्शन घडटा. जयश्रीच्या पात्रांतल्यान एक अल्लड चलीच न्हय तर आपल्या सत्वाची जाणीव आशिल्ली बायल दाखोवपांत यश मेळलां.

मिंगेल तितिवाच्या पात्रांतल्यान दिसता दुःख पचोवन दुसऱ्याक हांसोवपी मनीस.

थोडो वेळ जयश्री म्हऱ्यांत बसून ताका खेळोवन आनी आपलोय जीव खेळोवन मिंगेल तितिव माड काडूंक वता. आनी येता वाटसुरो. एक तिरसुवाद मनीस. वाक्या वाक्यांत दुसऱ्याक घुस्पावपी.

जयश्री सादें भोळे निर्मळ मनाचें चली. आपलो वाडो आनी गांव सोडून पैस खंय पावूं नासलें. जगाची वळख नाशिल्लें. आनी ताचे उरफाटो वाटसुरो. धा गांवचे उदक पिल्लो. समाजाक आडवो-पारखिल्लो. समाजान ताचेर केल्या अन्याया आड झुंजपाचो ताजो हांवेस.

सभ्यतायेचो बुरखो कांबरुन जियेवपाची आमची संवय. तो बुरखो पिनपी आमकां तिरसुवाद फकाणेर कसो दिसता. नाका आशिल्ली बंधना सांबाळपाची संवय आशिल्या आमकां बंधना तोडपी मनीस कॅरॅकसो दिसता. असोच बुरखो पिनून उडोवपी बंधना तोडून उडोवपी मनशाचो प्रतीक म्हळ्यार वाटसुरो.

ल्हान आसतनाच ताजी आवय ताका घेवन घरांतल्यान पळून वता. तेन्ना बापायन आपल्याकच दवरून घेतलो ना म्हुण बापाय-

र ताजो राग.

आवयक तो सरळ सोनचेडो म्हणता. आनी आवय कशी ाशिल्ली तें सांगूक मातय भिड–मुर्वत दवरना. पुण कुष्टान तिका ायट म्हणतीर तो रागान उसळटा. हांतुंतल्यानच ताजो स्वाभिमानी भाव दिसून येता. आपली आवय वायट चालीची आसून लेगीत ाणे आपल्या पांयार उबे रावपाचे धैर्य दाखयले होत्र तिजो एक हड गुण ताका दिसता.

जयश्री नात्याच्या जाळयेंत वयले वयर जियेलां. नात्यातलो होवो अर्थ फक्त ताणे पळेला. ताका सगळेंच सुंदर दिसता. रें दिसता. आनी ताजो सभावय म्होवाळ जाला.

वाटसुऱ्याक एक रहमान सोडून मायेची ओलसाण कोणेच दाखोवना. ल्हान आसतना आवयन घर सोडून वतना, ताका आपल्या वांगडा व्हेल्यान बापायची माया खबर ना. आनी आवयन स्वार्थी माया केल्ली शेजाऱ्या–पाजाऱ्या कडल्यान तर तिरस्कार उपेक्षाच मेळ्ली. तेच हाणे रेंवतले झोपावरी ताजो सभावय कांटयारो जाल्लो. संसारात बरें कितेंय आसत हाचेर ताचो विश्वासच ना.

नात्याचीं बंधना ताका पटनात म्हुण तो सरळ आवयविशीं वायट उतरां काडटा. आनी ताचे आपले आवय विशींचे उलवप आयकून जयश्री मात न्हिन्नळटा.

जाका फसवणुके शिवाय लोकांकडल्यान कांयच मेळना अशा असंतुष्ट समाजाचो प्रतिनिधी वाटसुऱ्याक जयश्री ताची भाव–भयण आसुनय ती दोगांय एकठांय आयली हें सत्य सांगता तेन्ना तो भिड–म्हुर्वत धरनासतना सांगता 'खबर आसल्यारूय येतली आसलीं.

वाटसुरो हांगा समाजाची फास्कीच मोडटा. आनी त्या फास्केंत वावरूंक सोदपी, कुष्टा, जयश्री रक्तबंबाळ जातात. दोन समाजामदल्या संघर्षात जाल्लो रक्तखेव ह्या नाटकांतल्यान दाखयला. निमणे बापुय आपल्या हातान इतले तेपान मेळिल्या पुताक दर्यात बुडयता.

खिणभर बुरख्या आड वावुरपाची संवंय आशिल्या आमकां कुष्टाचे हें कर्तुप चूक दिसूं येता. कितलो निर्दय हो बापूय अशेंय दिसू येता. पुण आपल्या धुवे खातीर तिज्या अब्रुखातीर इतले तेपान मेळिल्या पुताक तो बुडयता. आनी आपले कृतीचे कारण तोच उगडें करता ' रूखाचे वाडीक बादा हाडपी वाली, हातांत कोयती घेवन मन मारुन बेणच्यो पडटा ह्या वाक्यांतल्यान बापायचे दुखिल्ले काळीजच दिसना तर अगतिकताय दिसता. म्हुण 'मन मारुन' ह्या वाक्यार जोर दिवन तो म्हणता.

वाटसुऱ्याक बुडयलो हें कळनाफुडें जयश्रीय दर्या वटच्यान धांवता. आनी हांगाच नाटक सोंपता. आनी वाचकाच्या मनांत मोड सुरू जाता

नाटकाचो विशय गंभीर आसुनय योग्य आनी सुंदर संवादांक लागून नाटक गंभीर दिसना. लालुच्या पात्रान ह्या नाटकांत विनोदाचे रंग भरल्यात.

वाटसुऱ्याचें उलोवप एक गद्य कवित कशें. ते हाणे तो कठोर सत्यां सांगतना वाचकाचेर अथवा प्रेक्षकाच्या मनार ताण येना.

ह्या नाटकांतली पात्रां वेगवेगळे सभावाचें दर्शन घडयनात. पुंडलीकबाबाच्या सगळ्या साहित्य कृतीतल्यान उठावदार व्यक्ती चित्रणां आमकां दिसतात. अनुकुल वातावरण आनी उठावदार व्यक्तीचित्रणां हाजेरच तांच्या साहित्यातलें सौंदर्य दिसून येता.

धालो

पयली पात आयली तशी परतली
दुसरीय पात पयल्यावरी मोनी
आतां पयले पातीक जाब फुटल्या–

'...मोनी आयली मोनी गेलीं
सकयां साद घाला गे
माण धरून खेळात गे'
दुसरेय पातीचे सूर सळसळले–
'.. आमी आयलीं बाये लेकी चारा गे
आमी आयलीं बाये लेकी चारा गे
तुमची लेक बाये कोणांक व्हरयो गे ?'
पयली पात, दुसरी पात
अेकमेकांक दिता जाब
आनी नमनांक जाता सुरवात
' श्री धालो, धालो गे बाये
धालानी खेळूंक आयल्यां गे बाये
धालानी खेळूंक आयल्यां गे.'

सवाशिणी बायलो सगळ्या
देवा–ब्राह्मणांक, देंवचार-म्हारवांक
नमन घालीत धालांमाण सादयता
व्हडा उमेदीन फांतयो पातीर पाती
धालांखळार माण धरुन खळता
पूर्वजांनी राखिल्लें सत्व जागयता.

– चंदानंद

ह्या नाटकांतल्या पात्रांचे सभावचित्रण वेगळें सोदचें पडना. तांच्या उलोवपांतल्यान, संवादांतल्यान ते चित्रित जाता. जशे, मुंयांनी ओले जमनिवेल्यान मनमानता तशें फिरत वचचें आनी तांतुतल्यानच एक सुंदर रांगोळ तयार जावची, तशें प्रत्येक पात्राच्या संवादांतल्यान तांचो सभाव दिसता. आनी तांच्या तोंडांत संवादय अशे दिस्ता दिस्त की तांच्या चित्राक सोबा हाड सारके.

वातावरण तांका केन्ना अडेचे हाडचे पडना. कथानका बरोबरच निजाचे वातावरण आयिल्यान कथानकाक चड सोबा आयल्या.

कथानकाखातीर नाटकाक सुंदर म्हणचें, शैली खातीर म्हणचें कांय संवादा खातीर हो प्रश्न म्हाका प्रत्येक वेळा पडला. इतलें खरे ह्या नाटकांतले म्हाका सगळेंच कितें सुंदर दिसता.

–❀–

निबंद सर्त : खास इनाम

गोंय स्वयंपूर्ण कशें जातलें

— श्रीकांत जे. पालसरकार

आमचें गांव स्वयंपुर्ण जातले जाल्यार आमी आमची अर्थीक, संस्कृतीक, आनी उद्योगीक उदरगत सादची पडट्ली. आमी स्वयंपूर्ण जावचें, हें आमचें एक सप्न आसा. आनी हें सप्न सत्यान हाडट्लो जाल्यार, आमी आमकां शीस्त लावन घेवची पडट्ली. त्या बगर आमची उदरगत जावपाची ना. आमी आयज संप करतात मेळावे करतात, तांतूत सरकारी वस्तूचो नाश करतात पुण त्यावेळार आमी हें चिंतीनात की सरकार म्हणजे कोण ? आमी लुकसान कोणाचें केलां, आनी तें कोण भरून काडटलो ? निमाणी टॅक्साच्या रुपान पयशे आमचेच भायर सरतात हे आमी विसरतात. आयज आमच्या गोंयांत बेकारी दिसानदिस वाडत आसा. भाशा आनी संस्कृतीच्या नांवार राजकर्णी आपलो स्वार्थ सादच्या खातीर गोंयकारां मदी फूट घालतात. हाचो परीणाम आजच्या बहुजन समाजाचेर जाल्लो दिश्टी पडटा. बहुजन समाज असल्या राजकिय डावपेचात बळी पडटा आनी तांची उदरगत जावचें बदला ते चेपून उरतात. आयज आमचे गोंय राज्याचो दर्जो मेळवपाच्या मार्गार आसा. पुण नस्तो राज्य दर्जो मेळ्ळो म्हूण जायना त्याखातीर आमी गोंयकरांनी कश्ट उखलूक जाय. आमी पयलीं स्वयंपूर्ण जांवक जांय ही आमची भविश्याची गरज जावन आसा. आमी आयज पळयतात आमचें सरकार अर्थीक उदरगत सादोवच्या खातीर प्लनीग करतात पुण तें सगळे कागदारच उरता. प्रत्यक्षात ताजी अंमलबजावणी थोडीच जाता आनी तीय निश्काळजीपणान केल्ली दिसून येता आयज आमी कश्टाची कामां करप हीण समजतात. शिकिल्ले तरणाटे, आपल्या शेतकांमात कुळागरांत, वेवारात, उद्योग धंदयात हातभार लावन ताची प्रगती करचे बदला ऑफीसातल्या सर्विसां फाटल्यान धांवतात असल्यानी आमची अर्थीक उन्नती जावचीना. आमी फॅशनीनी जरी एकविसाव्या शेकड्यान पावले तरीय आमचे वेवार, धंदे मागासच अुरतले. त्या खातीर आमी थंय लक्ष दिवपाक जाय आनी आमची चारीय आंगांनी उदरगत सादची पडटली.

गोंय स्वयंपूर्ण जातलें जाल्यार शेतकी उदरगत करप चड गरजेचें जावन आसा. त्याखातीर जपान सारकिल्या देशांनी थोडेच जमनीत चड पीक दिवपी जी बियाणीं वापरातात तसल्या बियाणाचो वापर ज्यादा पिकावळ काडच्या खातीर करूक जाय. सरकारान ज्यो सवलती शेतकामती खातीर दवल्यात ताचे रुप आनी हे लोकांमदी वचून तांका सरकारी शेतकी तज्ञा मार्फत समजोन दिवक जाय काजू सूपारी, नाल्ल, ऊस, भात हांचे, उत्पादन वाडपाचे खातीर तांचे रोपप, साऱ्यांचो वापर, तांची वाड, काळजी घेवन एकेच जमनिक एक परस चड पिको काडप हाचे ज्ञान दिवच्या खातीर दर तालूका पातळीचेर शेतकामतीची एक-एक संस्था उभारूक जाय आनी तांका एकठांक करून शेतकीतज्ञामार्फत शेतकी उदरगतीचे प्राक्षिशण दिल्यार शेती उत्पादनात वाड जातली. आमची गरज आमी भागोवक शकतलेच शिवाय आमकां निर्यात करूक मेळटली. आमचे गोंयचे नैसर्गीक सोबितकायेत गोंयभर पातळलेल्या पांचव्याचार रुखाच्या दाट-दाट रानांनी भर घातलेली ह्या रानानी कितलेंशाच रानजिवाची वस्ती आसल्ली. रूखांक लागून गोंयात पावस भरपूर पडटालो. पुण आयज हे रानूच कापाकापी करून सडे केल्यात. ह्या रानांनी रावपी जीव उगताडार पडले आनी आमच्यो रक्ताळतेलो स्वार्थी नदरो ताचेरय पडल्यो. हळूहळू भोवण्यो, कास करूक अजाणापासुन जाणकार लेगीत ह्या जिवाचो नाश करूक लागल्यात.

रूखांच्या ह्या जाल्या कापातीक लागून मोठो दुश्परीणाम म्हळचार पावसाचे प्रमाण सामके घटलां. हाचो परीणाम आमच्या पिकावळीचेर जाता. शिवाय झाडांच्या ज्यादा कापाकापी लागून हवा दूशीत जाता. ह्याचो वायट परीणाम लोकांचे प्रकृतीचेर जाता. हे चुकयतलो जाल्यार लागवड करून तांची वाड करपाची जतनाय घेवपाक जाय, अशें केल्ल्यान रानजिवांक स्वरक्षण मेळटा, रानांची वाड जाल्यान पावस बरो पडटलो आनी हाजो फायदो म्हळचार पिकावळ बरी येतलो.

निलगीरी, सायल, शिसो, वखदां उपेगी झाडा हांचे सारखी रुखाची लागवड केली जाल्यार रान उत्पादनात तांचो भरपूर फायदो जांवक येता. वनखात्याचे काम वाडील्ल्यान थंय बेकाराक काम दिव येता.

आमच्या गोंयांत विजेचा खुबूच गरज भासता. लायटी पूरवण बंद पडील्ल्यान आमची बरीचशी कामां अडोन उरता. आमका त्रासय सोसचे पडटात. हाचे कारण म्हळचार लायटी पुरवण आमका कर्नाटक, महाराष्ट्र सारख्या शेजारी राज्यांतल्यान मेळटा आनी आमी तांचेर अवलंबून उरतात. आमच्या गोंयांत लायट उत्पादन खूपूच कमी प्रमाणन जाता. त्या खातीर उपाय म्हळचार आमच्या गोंयांत जुवारी, मांडवी ज्यो न्हयो आसात तांचेर टर्बाईनस बसोवन वीज निर्मती करूक जाय. सोलर ॲनर्जी घरगुती कामाखातीर, रात्री खातीर उपेग केलो जाल्यार लायटीची बचत जाव येता. कांय लोक लायटीचो चोरयां वापर करतात देखून वीज खात्याक लुकसान जाता. हे अशें चलोक उपकरना, त्या खातीर

धिकाऱ्यानी दक्ष रावोक जाय. तरच आमी स्वावलंबी जावक कतात. आमकां भायल्या राज्यांतले लायटी पुरवणीची चड गरज ागचीना.

गोंयच्या उद्योग धंद्याचेर नदर माल्यार मायनिंग हो धंदो रोच नेटान चल्ला हाचेर आमचे गोंयकार भाव पोटाची जगवण करतात. पुण या मायनिंगच्या मातयेक लागून लागसारची शेत जमीन डचार जातात. न्हयो पुरवतात आनी पावसदिसांनी हचा न्हयांक र येवन जायते लुकसान जाता. हे मायनिंग मातयेचो खेळामैदाना-करच्या खातीर खडपाळ वाठारांत उपेगी झाडांची लागवण करच्या खातीर उपेग करून घेंव येता. आमी आमच्या मायनिंगचो माल जपानासारख्या देशांक निर्यात करतात. ताजो वापर शक्य जाल्यार हांगाच करून ताचे पासून लोखंड स्टिल तयार करू येता. अशें केल्यान लोकांक कामुय मेळटलें आनी उदरगत बरी जावंक ावतली. आज आमच्या गोंयांत जी बंदरा आसात ती ल्हान डटात तांची दुरुस्ती केली जाल्यार वेपारीक दळणवळण वाडडले आनी आमचे उदरगतीक बरे वळण मेळटले. कारण आमचें गोंय समुद्र पट्टीचेर आशिल्यान जलवाहातुकीतल्यान वेपार करप आमका सोपें आसा. वेपार वाडील्यान कामां वाडटली हांगचे मार्केटय वाडटलें, आनी कामां वाडील्यान बेकारी कमी करपाक आमकां मदत जातली. आमच्या कामाक प्लनींग व्यवस्थित आसना देखून मांडवी पुलासारख्यो दुर्घटना घडोक पावता. आमचे अधिकारी तांचेर नेमिल्ल्या कामाची जापसलदारकी घेयनात. फकत काम करपाचो देखाव करतात उदारण घेवचे जाल्यार फॅमीली प्लनींग, प्रौड साक्षरता वर्ग हांची संख्या फकत 'आकडेवारी'त फुगोन शंबर टक्के आनी णव्वद टक्के प्लन जैतिवंत जाल्ल्याचो देखाव करतात. पुण प्रत्यक्षात ताजे प्रमाण पन्नास टक्के लेगीत आसनात. हे अशें घडोंवक पावता फकत आमच्या अधिकाऱ्याच्या हलगर्जीपणान त्याखातीर अधिकाऱ्यानी आपल्या कामांत जातीन लक्ष घालूक जाय तांणी लोकांमधी वचून नवे येवजणीचे रूप आनी फायदे समजावन घेवक जाय. अशें जाले जाल्यार आमच्या उदरगतीच्या पावलाक बळकटी मळटली.

आमचे गोंय हे पर्यटकांचे आवयघर अशें म्हणटात, ते लटकें न्हय. आमच्या गोंयांत दर वर्सा लाखांनी देशी आनी परदेशी पर्यटक येत आसता गोंयच्या सैमांची सुंदरताय तांका हांगा ओडून हाडटा. हांगच्यो सोबित दर्यावेळो पांचवोचार सोबित वाठार एकापरस एक सोबित देवळां, इगर्ज पर्यटकांची मना पिसयतात. पुण सांगवे म्हळ्यार पणजी, मडगांव सारकीं शारां पर्यटन केंद्रां जाल्यान कुळागरानी नटलेल्या फळाफुलांनी तरेक रुवांनी सजलेल्या गोंयच्या खऱ्या सोंदर्याचें दर्शन ते घेव शकनात. दुधसागर सारख्या वाठारांत, सिद्धनात सारख्या पांचव्याचार स्थळांत हे पर्यटक थंय वचपाक रस्त्यांची बरी सोय नाशिल्यान शकनात. देखून गोंय पर्यटन खात्यान थंय वचपाची वेवस्था करपाक जाय. अशें केल्यान पर्यटक थळांची वाड जातली त्या वाठाराची सोबितकाय वाडट्ली आनी गोंय विशयीचे आकर्शण वाडटले. पर्यटकांची संख्या वाडटली. शिवाय पर्यटक थळां वाडील्यान आनी पर्यटक वाडील्यान लोकांकूय कामां मेळटली.

पारंपारिक पाळणे गीत

पाळणो

बाळाचें चौ दिसांचें न्हाणू
सारयलें शेडणू
बाळा तूं जोड जोड रे
बाळा तूं जोड जोड रे

बाळा तूं बऱ्या भुषाणाच्या
देवूके माडयेच्या
बाळा तूं जोड जोडरे
बाळा तूं जोड जोडरे

बाळाची सटी संग्रयाची
सम्मय मोतीडयांची
बाळा तूं जोड जोड रे
बाळा तूं जोड जोड रे

बाळाचें अिकरा दिसांचे न्हाणू
सारयलें शेडणू
बाळा तूं जोड जोड रे
बाळा तूं जोड जोड रे

(बालगीत निकेतनाच्या बरेपणान)

गोंय स्वयंपूर्ण करच्याखातीर बेकारी ना करप, उद्योगधंद्याची उदरगत करप, पिकावळीचें उत्पन्न प्रमाणात वाड करप, वीज निर्मती करून आमच्यो गरजो भागवप ह्यो गजाली जशो गरजेच्यो आसात तेचवरी गोंयच्या शिक्षण धोरणात बदल करप हें चड गरजेचें जावन आसा आमच्या शिक्षणात इग्लीशीचे वर्चस्व आशिल्यान आमची शिक्षणीक प्रगती खुंटता. खंयच्या राज्यांतल्या लोकांक शिक्षण तांचे आवयभाशेत शिकयले जाल्यार तांची शिक्षणीक प्रगती बरी जांवक पावता त्या खातीर आमचे शिक्षण आमचे आवयभाशेत जावंक जाय तशें जाल्यान आमच्या ज्ञानांन भर पडटली आनी आमचें संस्कृतीक आनी साहीत्यिक मळार परजळीत उदरगत जांवक पावतली. आमचे तरणाटे इंजिनियरींग सारखे शिक्षण घेवन दुडू मेळटात म्हूण परदेशांत वतात. मागीर आमी तांका शिक्षण दिवन फायदो किदे ? तांचो उपयोग आमच्याखातीर करून घेतलो जाल्यार आमच्या सरकारांक सवलती दिवपाक जाय. अशें घडल्यार आमचे सगळ्या आंगांनी बरी उदरगत जांवक पावतली, आमी स्वावलंबी जातले आनी आमचे गोंय स्वयंपूर्ण करपाक आमकां वोगोत लागचोना हें सत्य आसा.

गरी

— डॉ. सिताकांत घाणेकार

जनाबाब म्हळ्यार करोडपती. गर्भश्रीमंत घराणे तांगेले. आनी आता तर मिनाची तांकां सोर्तच लागल्या. खणीत खंय 'ए' ग्रेड मीन मागीर कितें विचारता ? धंदो आनिक वाडोपाचोच –स्टील फॅक्टरी, टेक्सटाईल, वखदांचो कारखानो, ट्रॅव्हल एजन्सी ...तरेतरेच्या लायनीत तांचो फुडाकार.

एदो व्हड लक्ष्मीपती. खरें म्हळ्यार सदांच हांसऱ्या तोंडाचो. पुण आज जनाबाब विचारांत पडिल्लो.

कारण ? ताच्या चलयेचें पत्र.

तें पत्र वाचलें आणि जनाबाबाच्या मनासमोर सगळ्यो घडणुको आयल्यो, पैलीं ताका याद जाली ती ताच्या साडवाची– सदाबाबाची आणि ताच्या उतरांची 'जना, पळे, कालच तो सुदेश आयला. भगवंत कामतीलो नातू. काणकोणचो रे.'

' मागीर हांव किदें करू ?' जनाबाब

' हांव कितें करूं ? आरे तो अमेरिकेक आसता मरे- इलेक्ट्रोनिक्स इंजिनेर. आताच वर्साक खंय चाळीस हजारांवयर पगार आनी भुरगो मरे तो. तीसएक वर्सांचो आसत. ह्या वयाचेर हो पगार. म्हणटकच फुडें विचारूंक नाका. पळय हो चान्स सोडूं नाका. तुगेल्या सुजाताक लागून सांगातां.

'बरें आसा. पळोवया.'

'बरें आसा ? पळोवया किते ? आरे खंय आसा रे तूं ? तागेल्या बापायगेर लायनी लागल्या मरे चलयेकारांच्यो. सगळ्यांनी आपल्यो गरयो घालून दवल्ल्या. तो खंय आनिक धाच दिस आसतलो हांगा. चड सुटी घेतल्यार फॅक्टरी कशी चलपाची ? आनी भगवंत तर ताका फाटी लागला. ह्या खेप लग्न कर आनी चल. नातवूनेचें तोंड तरी पळोवंक मेळटलें.'

'हय ताचेंय वय जालें ना आता ? कांय ना म्हळ्यार पंच्यात्तर तरी जातली तांकां'– जनाबाब.

' म्हणटकच कितें ? घालूं उतर हांव भगवंताक ? ताच्याच उतराक चड व्हालोर आसा, म्हाका खात्री आसा तुज्या सुजाताचोच नंबर लागतलो. आज तुज्या तोलामोलाचो आनिक कोण मेळटलो तांकां ?'– सदाबाब,

'घाल उत्तर तूं. हें घे सुजाताचें जातक आणि पळे कशें जाता तें.'

आनी दुसऱ्याच दिसा सदाबाब परत आयिल्लो.

' जना, पाराबेंश. पेढे वांट पळोवया. सुजाताचे जमलें.'

' आरे, प्रसाद बी जावनी मरे पैलीं.' – जनाबाब.

' प्रसादांक आनी वेळ आसा रे ? चलो आयला घोडयार बसून. तूं प्रसादांक वेळ काडशी जाल्यार तो आनी कोणाल्याय चलयेक घेवन पसार जातलो आं. सांगतां तें आयक.'

' आरे, पुण सुजाताक आनी हिका सांगूंक तरी जाय मरे ?'

' तें आतांच सांग पळौया. तीं खंय पयस आसात ? आगो सुजाता, ए, सुजाता... चल आईक घेवन यो भायर.' सदाबाबान ताकीत लायिल्ली. आनी सुदेशाचो फोटो दाखयलेलो. कोण रूप ? गोरोच, पाखलोसो. तोंड पळौनूच सुजाता भाळळें आनी सदाबाबान जश्यो फुडल्यो गजाली सांगूंक नाका... अमेरीका... इंजिनेर ४० हजार डॉलर... मागीर कितें विचारता ? तें रोखडेंच सपनां पळोंवक लागिल्लें आपल्या फुडाराचीं.

आनी लक्ष्मीबाय– सुजाताची आवय ? तीय खोश्शी. अकस्मात सोर्त लागिल्ल्याभशेन जाल्लें तिका. तरी पुण रीतीप्रमाण तिणें म्हणिल्लें, 'भावोजी, सगळें बरें आसा. पुण चल्याची चौकशी तरी करूंक जाय न्हय ?' आनी सदाबाबान म्हणिल्लें, 'आरे देवा, चौकशी काड्टली जाल्यार अमेरीकेक वच्चें पडलें आनी आतां वेळ खंय आसा ? चलयेकारांच्यो लायनी लागल्या. भगवंतान सांगलां. ' म्हाका कितें तें फाल्यां सकाळीं कळय. तुमचो रकाद आयलोना जाल्यार हांव समजतां तुमकां इंतेरेस ना म्हणून. कारण आतां आनिक वेळ ना. आज जालो बुधवार – आयतारा खंय बरो म्हूर्त आसा, तो सादूंक सोदता हांव. मागीर रोखडोच मंगळारा सुदेश चल्लो. तिकेट बुक करूनूच आयला तो. खरें म्हळ्यार ताका इंतेरेस नाशिल्लो लग्नाचो आतां. पुण हांव पिकलें पान. केन्नां गळत सांगूंक जाता ? हावें आग्रो केला म्हणून तयार जाला.'

चल्ला घरचीं हीं उतरां आयकतगीर चलयेचो बापूय कितें म्हणटलो ? अशी संद परत मेळप कठीण. रोखडेंच जनाबाबान हय म्हळें.

'पुण, सदचा, दिवपा– घेवपाचें कितें ठल्लें रे ?'– जनाबाब.

'आं तेंय बी सांगतां. तेंय विचारून आयिल्लों हांव. मागीर ताका लागून परत अडूंक नाका म्हणून, तुका व्हड कांय न्हंय रे तें– ल्यान खंय नवी गाडी–टोयोटा–बूक करून दवरल्या अमेरीकेक. ल्याबरोबर रोखडीच मेळपाची आसा. ती मावान घेवन दिवची अशें ताका दिसता. नवे घर खंय ताणें हांलींच बांदलां. ताचे थोडें लोन उल्लां फारीक करपाचें. मावांक कांय तें चड जावचेंना, अशें तो म्हणटालो. आनी कांय कोंदीसांवा ना तांचीं. चलयेक वस्ती ज्यो कितें घालतलीं त्यो. आनी लग्न म्हणा तुमी हांगा चलयेकारूच करतात. जनाबाब, विचार करपाक मात वेळ ना. आज गोंयांत तुका जर हीं कोंदीसांवा मान्य करपाक जायना, जाल्यार आनी कोण पूरीं करतलो ?'

'आपल्याचें नांव आयकून हीं कोंदीसांवा घालीं ना मूं हाणीं ?' जनाबाबान मनांतल्या मनांत विचार केलो आनी म्हणले, 'तरी पुण विचार हो करचोच पड्टा न्हंय रे सदा ?'

'विचार– विचार– विचार. आरे प्रसंगूच तसो न्हंय रे बाबा. हांगा उस्वास घेवंक वेळ ना आनो विचार आनी खंयचो ? न्हवरो बाशिंग लावनच आयला म्हण्टा तसो आनी तुका कितल्यो चलयो रे ? एकूच पोर अपुरबायेचें. ताका जर अशें भांगरासारके घर आनी हाच्यासारखो पोर मेळटा जाल्यार विचार आनीक कसलो करता तूं ?'– सदाबाब,

'खरें भावोजी म्हणटात तें.' लक्ष्मीबायन सूर लायिल्लो.

हें सगळें आयकतगीर जनाबाबाक दुसरी वाटच नाशिल्ली. ताणें सरळ हय म्हणून सदाबाबाक रोखडोच मोटारींत काणकोणा धाडिल्ला.

मागीर सगळीच गडबड– बेळगांवच्यान माटवकार आयले– मुंबयच्यान मिठाय आयली– रातीराती जागून गजाशेटींन भांगर केले– पांच नकेत्रांच्या हॉटेलांक ऑर्डरी गेल्यो–हॉल बूक जाले. गोंयच्या सगळ्या वाटारांनी आमंत्रणा घेवन मोटारी सुटल्यो –गोंयच्या व्हड मनश्याच्या एकल्याच चलयेचें लग्न. मागीर कितें विचारता ? शेनवारा साखरपूडो. आयतारा लग्न आनी सोमारा रीसेप्शन जालें. सगळें गोंयभर गाजलें, हे लग्न गाजपाचेंच. जनाबाबाब गडगंज आणि जांवयय गडगंज– अमेरीकेक इलेक्ट्रोनीक्स इंजीनेर– ४० हजार डॉलर पगार... ... फकाणां काय कितें ? हांगा असो पगार घेवपाचो सोडूच, आयकूंक सुद्धा मेळपाचो ना.

सगळ्यांनीं तोखणाय केली जनाबाबाची. इतले बेगीन येदें व्हड कार्य बरे तरेन केलें म्हणून. दिस रोखडेच गेले. मंगळारा जांवयबापू अमेरीकेक पाविल्ले. बरें सुखान आशिल्लें. ताच्या पत्रांनीं तरी तें तशेंच बरयतालें.

आनी आज स म्हयन्यांनी ताचें हें पत्र आयिल्लें.

लॉस अँन्जेलीस.

प्रिय बाबा,

साष्टांग नमस्कार.

आज स म्हयने जाले हांव हांगा येवन पयले दोन आठवडे बरे गेले. म्हाकाच म्हज्या भाग्याचो हेवो दिसूंक लागलो. इतलें सुखान आशिल्लें कि न्हिदच पड नाशिल्ली. म्हज्या सुखी संसाराक दिष्ट लागत म्हणून.

पुण कांयच दिसांनी सोफिया घरांत आयलें, सुदेशाचें फ्रँड म्हणून. येवन वतालें. मागीर तें हांगाच रांवक लागलें. म्हाका बरें दिसलेंना पुण सुदेश म्हणूंक लागलो हांगा तशी फँशन आसा.

मागीर–मागीर तें घरा वचना जालें. सुदेश राती ताच्याच म्हन्यान काडूंक लागलो. हांव तुमकां रोखडेंच कळोवक सोदतालें. पुण कशें कळौं ? टेलीफोन ताणें आपल्या कुडींत चावयेंत दवल्ला. सुरवेक हांवें तुमकां टेलीफोन केल. तेय ताणें म्हन्यात बसून करूंक लायिल्ले. हावें किदें उलौपाचें तेंसुद्धां ताणें बरोबन दिल्लें. हांव सामके 'हाऊस-अरेस्ट' जाल्याभशेन आसा. म्हाका खंयच वचूंक मेळना.

घरचें सगळें काम हांवच करतां– घर पुसप, कपडे धुवप, जेवण करप... तरी हांगा चडश्या कामांक मशिनां आसात म्हणून बरें आसा. नाजाल्यार हांव नकळो कितें जातलें आशिल्लें तें.

म्हज्यो सगळ्यो वस्ती ताणे घेवन दवल्ल्या. म्हज्या नांवार तुवें पैशे दिल्ले तेसुद्धां ताणें आपल्या नांवार करून घेतल्या. आनी तुमकां धक्को बसतलो वाचून कि सुदेश चीफ इंजीनेरबी कांयना. तो एक सादो आफीसर आसा. म्हजेकडेन ताणें लग्न केलें. पैशांक लागून आनी हांगा घरकाम करपाक मनशां सवाय मेळनात म्हणून. निदान म्हाका तरी ताणें तशेंच सांगलां.

म्हाका ताणें शिटकावणी दिल्या– घरा कळयशी जाल्यार पळे. याद राख. हांवें अजूनपासून बरयल्लीं पत्रां वाचून तुमी सुखी जाल्यां आसतलीं. कारण तांचेर हांवें बरैयल्लें– हांव सुखान आसां. म्हाका हांगा कांयच चड काम लागना. राणीशी रावतां. सुदेश म्हजी खूप तोखणाय करता. तीं पत्रांय ताणेंच म्हजेकडल्यान फोर्सान बरोबन घेतिल्लीं.

आयज कितल्या दिसांनी म्हाका संद मेळ्ळी. एका शेजाऱ्याकडल्यान एक 'एअर मेल' हाडून हांवें हें पत्र बरयलां. आतां ताचेकडेन मागतलें– पोस्ट कर म्हणून. सुदेशाक आणि सोफीयाक कळना जाल्यार पूरो. तीं म्हाका कितें करीत सांगू नज.

बाबा, तुमचें चली तुमकां जाय जाल्यार तुमी बेगीन हांगा येवचें. हांव तुमची वाट पळेता.

तुमचें चली,
सुजाता

पत्र वाचून जनाबाब विचारांत पडिल्लो 'ही गरी कोणें घाल्ली ?'

अशेच कांय पॅसेंजर

— मांगिरिश शां. शे. काकोडकार

आयच्या काळांक काम धंदयाच्या निमित्त लोकांक बसितल्यान, गाडयेतल्यान एका गांवांतल्यान दुसऱ्या गांवांक वचचे पडता. हें आता सदाचेच जाल्यान तातूंक कोणाकूच कांय दिसना. पुणून ह्या दिसपट्टयाच्या ल्हान सान प्रवासातूय कांय अश्यो गजाली घडतात की तांच्यो यादी खूप तेप काळजांक रिगून उरतात. ह्या प्रवासाक कांय अशे पॅसेंजरच मेळतात की तांचे उगडास आमच्या मनांतल्यान सासणाचे वचनात. आयज तुमच्या मुखार हांव अशे कांय पॅसेंजर दवरता.

त्या तेपार हांव मडगावां कॉलेजीत शिकतालो. एक दीस मडगांवच्यान घरा बसीत बसून येतालो. म्हज्या म्हऱ्यांतूच अेक दादलो बशिल्लो. आसतलो अदमासे पन्नासेक पिरायेचो. कपडयां-वेल्यान गरीब आसा म्हणून कळताले. बरोच वेळ तो म्हाका पळयत रावलो. अनवळखी मनशाकडेन सट्ट करून कशे उलोवप म्हणून हांव वोगीच रावलो. कांय वेळान तो हांसलो. हांवय हांसलों.

' खंय वता ? ' ताणे विचाल्ले.

' सावडुयां ' हांवें जाप दिली ' तुमी खंय ?'

' हांवय थंयच वतां. म्हजी तिकीट काड आं '

म्हाका सट्ट जालें. एक अनवळखी मनीस सरळ सरळ आपली तिकीट काड म्हणून सांगता म्हळचार किते ? हे प्रकरण वेगळेंच आसा हें म्हाका समजलें. कंडक्टर आमच्या लागी आयलो. हांवें म्हजे एकट्याचेच तिकीट काडलें. तो मनीस तिकीट काडपाक फाटी फुडे करपाक लागलो. ना सायबा कांय नां बोल्सांक सायबा' म्हणून पिरगोवपाक लागलो.

' पैशे दी ना जाल्यार सकल देव, कंडक्टर तापलो. तोंड वांकडें करत ताणे पैशे काडले आनीक तिकीट घेतली.

' आरे, हाचेकडेन पैशे आसले तर,' हांवें मनांत म्हळे.

' पुता, इतलेच आसले ते पैशे म्हज्या लागी. आता एकूय ना. सावडर्यां पावतगीर म्हाका एक सिंगल च्यादी '

व्हदळ तिकीट काड म्हणतालो. आता च्या मागता. हाका आता कशे कटोवप ह्या विचारांक हांव आसलो. ताजी बडबड चालूच आसली. सावडुयां बस पावली. हांव देवलों आनिक फाटी फुडे पळयनास्तना तरतरीत चलपाक लागलो. ताणे भाऊ, बाबा म्हणून ऊल्यार ऊले माल्ले पुणून हांवें फाटी पळयलेंच ना. मागीर तो खंय गेलो देव जाणा.

कॉलेजीचे दिस सोपले. नोकरी सोदूक हांव हांगा थंय वचूक लागलो. एक फावट असोच पणजे वतालो. एकटो म्हज्या लागीच उबो आसलो. ताणे कंडकटराक पैशे दिले. कंडकटरान उरिल्ले पैशे ताका परतून दिले.

' तुवें पैशे चड दिल्यात म्हाका हे घे चार रुपये परतून,' ताणे म्हळे.

' तुवें कितले दिल्ले ?' कंडकटरान विचाल्ले.

' वीस.'

' वीस मरे ? मागीर तातुंतले हांवें चार काडले सोळा उल्ले नात ? तितलेच दिल्यात मरे तुका ' कंडकटरान म्हळे. आपली चुक मानून तो वोगी रावतलो अशे सगळ्यांक दिसले. पुणून ना. हें रगत वेगळेंच आसलें. विसातल्यात चार गेल्यार सोळा उरतात हें सादे गणित मानूकच तो तयार ना जालो. कंडकटरान चार रूपये चडूच दिल्यात म्हणून झगडपाक लागलो. लोकांक मजा दिसली कांय जाणानी कॉमेंट मारपाक सुरवात केली.

' नवे गणित रे ते ताचें '

' टायट आसा रे तो. सकाळी फुडेंच माल्लां. शेवटाक सगळेच आपल्याक हांसतात अशे पळोवन तो वोगी रावलो.

अश्याच अेका पॅसेंजराची गजाल म्हाका अेकल्यान सांगली. हो मनीस पणजे बसीत चडतालो. कंडक्टर म्हऱ्यांक आयलो की पैशे नात म्हणून रडतालो. कंडकटर तापलो. की मोन्यानी देवतालो. फाटल्या बसीत पोरतून चडतालो. थंवूय आदले सारखेच करून परत देंवतालो. परत तिसऱ्या बसीत. अशे करून करून तो फुकटांक आपल्याक जाय थंय पावतालो.

कांय वर्सां फाटी म्हाका उसगांवां नोकरी मेळ्ळी. ह्याच तेपार हांव सावडुे सोडून कवळ्या येवन रावक लागलो. आताय थंयच रावतां कवळेच्यान सदां उसगावां कामा खातीर वतां.

एक दिस उसगांवच्यान फोंड्या येतालो. बस चिक्कार भरिल्ली. एक बायल दारा म्हऱ्यांतच ऊबी आसली. चडत्या देवत-ल्याक तिका घस्टूनय वचचे पडताले. मुद्दाम जावन कोण तशे करी नासलो. पुणून त्या बगर गत्यंतरच नासलें.

' हे दादले म्हणून सामके बायजण जाल्यात. म्हाकाच येवन घस्टतात, ' तिणे म्हळे.

' कोणाक म्हणता गे तू हें ?' एकटो ऊबो रावलो.

' हांवें तुका म्हळां ?'

' कोणाक म्हळां काय म्हणून विचाल्लां हांवें. दादले म्हणत-गीर सगळे आयले. सगळे बायजण ?'

' म्हाका घस्टतात कित्यात तर ?'

' तूं वाटेर रावल्या म्हणून. सुटना जावन तुका घस्टुवचे पडतां. मुद्दाम जावन घस्टना कोण. तुका सोसना जाल्यार सकल देव.'

दोगांयचें बरेंच पेटलें. बसीतले लोकच त्या बायलेक देंव म्हणून सांगूक लागले. ड्रायव्हरान बस थारायली. शेवटाक ती ती बायल सामानासकट सकल देवली आनिक मागीरच बस फुडे सल्ली.

एक फावट असोच एक मनीस बसींत फाटल्या सिटार बशिल्लो. अकस्मात तो ऊठलो आनिक ' धरा, चोर चोर, धांवता पळय तो. ' म्हणून आड्डूक लागलो. लोक काचाबूल जाले. मागीर पिसो म्हणून समजले. बस फोंड्या पावसर ताची किळांच, बडबड चालूच आसली.

अशे हे कांय प्रवासी. सदच्या पॅसेंजरांपरस मात्से वेगळे. आपल्या वेगळेपणाक लागून ते बरोच तेप मतीत उरतात. ना जाल्यार दिसपट्टयाच्या प्रवासाक लोक मेळतात कितले आनिक ना कितले. पुणून असल्या पॅसेंजरांक लागून सदांच्याच बेजार हाडपी प्रवासांकूय मजा येता. ▣ ▣ ▣

DEPARTMENT OF WEIGHTS AND MEASURES
PANAJI - GOA

Ensures The Correctness of Weights and Measures

(Consumers protection through Weights & Measures)

GRIEVANCES IN WEIGHTS AND MEASURES BE REPORTED TO THE BELOW MENTIONED OFFICES :

OFFICE OF THE INSPECTOR OF WEIGHTS AND MEASURES — —PANAJI
OFFICE OF THE INSPECTOR OF WEIGHTS AND MEASURES — MAPUSA
OFFICE OF THE INSPECTOR OF WEIGHTS AND MEASURES—BICHOLIM
OFFICE OF THE INSPECTOR OF WEIGHTS AND MEASURES — MARGAO
OFFICE OE THE INSPECTOR OF WEIGHTS AND MEASURES — — VASCO
OFFICE OF THE INSPECTOR OF WEIGHTS AND MEASURES - CURCHOREM
OFFICE OF THE INSPECTOR OF WEIGHTS AND MEASURES — DAMAN

Controller, Weights & Measures.

शारान केल्ली अेक सव्हें

— आर. रामनाथ

– अेका अनाकलनीय हांवेसान
शार उठलें सरणावेल्यान
आनी चलत रावलें सरणाकडल्यान...?

सूर्वेकूच शार सरलें भितर
कृत्रिम विकासान खच्चून भल्लेल्या
कवटयां बाजारांत.
बाजार कसलो ?– अेक अजब दुनिया !
देव, दानव आनी मानव
हांचो मुक्त सौदो चलील्लो...
देव आनी मानव हांचेंमदलें
पुरातन अंतर आतां कांय पावलारूच आसा,
हें हुनहुनीत सत्य शाराक कळ्लें.
शार अंतर्मुख जालें.
– दिसल्यो विखाळ्यो दिवटयो
बाजाराभोवतणी अनंग जावन वावुरताना.
भायर सरतना 'येन्ट्रन्सार'
दवल्लो शारान अेक प्रचंड 'येक्स्लामेशन मार्क' !

शार आतां जें भितर आसा
तो महाविद्यालयाचो अेक येक्स् क्लास्.
प्रोफेसर मिस्टर येक्स्
आपल्या येक्स् टोपिकेंत
पुराय प्राफेसरपण ओतपाचो
महायत्न करता.
आपल्या शिकवपाच्या मॉडर्न पॅटर्नचे
कॅलिडोस्कोपिक रंग काळ्या फळ्यार शिंपडायता
जीण आनी मरण
हाच्या दरम्यानतलें सूर्यसत्य
खीणा खीणाक कळून चुकता...
प्रोफेसर मिस्टर येक्स् टोपिकेतल्या गुंतवळ्यांत
घुस्पटत आसता
आनी मॉडर्न क्लासातले मॉडर्न स्टुडन्टस्
अेक अनवळख्या जगाचो शोध घेवपाक
मेंदवा धार परजयता...
प्रोफेसर आनी स्टुडन्टस्
हांचेमधीं अेक अनाकलनीय दरी
खोल खोल जाताली...
शार खीणभर दरये खोलाय पळयता.
– कांचवेता.
मोडाबळगें घेवन महाविद्यालयाक
गुडबाय् करता.

हास्पिटलात पळैले शारान
दुर्योधन, शकुनी, दुःशासन, जरासंध
खाटीखाटीर शेकानशेक पातळायल्ले.
दोतोंराल्या संजीवनीन मातील्लीं तांची धूडां
पळैताली दोळ्यांच्यो मूयंडोळ्यो घुवणायत
नर्सींची पायजणां..
स्वर्गसुख तांचेखातीर
नमळायेन खाटीखाटीर हाजीर आशिल्लें.
(देव बरें करूं हास्पिटल बांदप्याचें !)
– आनी कांय अश्वत्थामे
हास्पिटलभर हेड हेड हेड्टाले.
– शार भायर आयलें... गुरवार बायलेवरी.
हास्पिटलाचे फातरान् फातर
खीः खीः खीः करून हासले.

शार आतां न्यायालयांत.
हांगा न्याय मेळ्टा.
– देवूय हांगा कांचवेता !
रामशास्त्र्याचो अभाव आशिल्ले हें अेकसूरें थळ.
(रामशास्त्री जल्मतना हांगा सूर्य दरखेप न्हिदता.)
न्यायालयाक दोन दारां
फुडलें दार वेल्कम् म्हण्टा
– फाटलें थँक्यू... गुड्बाय् म्हण्टा.
आनी म्हण्टा ल्हवूच :
फाल्यां आयलेशिवाय रावूं नाका आं.

न्यायालयाचो रिवाज अनोखो !
शार कांचवेले.
लिपलिपत भायर सल्लें
आनी सरळ सरळ शिरलें
मनीसवस्तींत...

मनीसवस्तींत पळयलीं शारान
नागड्या जांगां नागडी बंडां.
तांचेवेलो शेकानशेक पातळायल्लो चिरंतन शेळो
आनी कंट्रोललेस् कुड्डे बोटां मेळ !
– अेक दुर्गंधीचें अनावर मोड
शाराच्या सेन्सीटीव्ह नाकांत शिरलें.
घाणयारीचीं झोपांच झोपां किल्ललीं.
शाराच्या महाकाय तोंडात.
– दोळ्यांत जल्मलो अेक रुद्र.
शार तापलें अमर्याद
शार थरथरलें तुफान
शारान माल्ली बोब आकाश फुटसर
– केणान केणा पड्टना दोळ्यांतसून
शारान चितलें शारपण.
थापटीलो रुद्राक आपल्याच विशाळ हातानी

पचयताना शाराक जाल्यो निळकंठ वेदना !
र चलत रावलें फुडें... फुडें
येल्याउप्रांतची गाय जावन...

शारान निरखिल्यो
ण बायलेच्या कपलावेल्यो अनैतिक रेगो
नी तातुंल्यो उमाशेच्यो अंकेक चेटुकराती.
र जालें पट्टे पावसानूय घामाघूम
. आंगभर ... खीणभर.
रान सावरलें आपल्याक– आपले आपुणूच
लें शार सामसूम
रान सांसपीलें आपल्याक
नंग जावन आंगानआंग.
नंत इंद्रधणु गांजीलमूस आंगभर दशिल्ले
आपापलें अढळपद घेवन.
नंत वेदनेन असहाय जाव्न
रान झडयलो आषाढपावस
रान झडयली मायाची भर दनपार
नी झडयली शिशिरहिंवट.
दिकानंतरचो ज्वालामुखी जाल्ले शारान
ली ट्रीगरींग पल्स् आपल्या अनंत दोळ्यांक
. काळांतरान.
ळ्यांचो विराट पिसारो
य खीणा भितरूच फुल्लो.
र हासलें पहाडहास्य.
र नाचलें रुद्रतांडव
यलें शार क्रान्तीगीत
आनी शारान सावरलें निमणे आपल्याक.
र्धवट आळयत भैरवी
र आयलें भायर
रुतीच्या उड्डाणाचें बळगें घेवन
नी धांवत सुटलें देवळादिकेन ...
ग –
टेरूच आडयलें ताका
म्यावेल्या म्हादेवान.
रखिलो शारान म्हादेवाक पुराय.
वचेच्या देवाऱ्यांत बसून
पडो म्हादेव पेकयतालो
लीशान मंदिरातल्यो मरणयातना !
नूय हात कपलार मारून
लें शार खीणभर
नी धांवत सुटले सुसाट ... मरणाकडें.

शाराचें सपन आतां म्हाका पड्टा.

धरतरेचो मोग

मळबा मळबा
कशें सांगोव रे हांव तुका
काळीज हुंडक्यानी रडता
तुजेंच फुगासांव भोगता म्हाका
अशी तुजी पळोवन दशा
हांवच चुकलां अशें दिसता
पुण
' म्हजो गुन्याव कांयच ना '
अशे मन म्हाका शिटकायता
जेन्ना हांव भुयेच्या रुपान जल्मलें
तेन्ना वरमाला गळ्यात आशिल्ली
पुण जेन्ना हावें दोळे उगडले
तेन्ना तुजीच नजर म्हजेर रोखिल्ली
सुर्य म्हजेकडें आसताना
तू रागान तांबडो गुल्ल जाताय
म्हजे पासून पैस जायत वतना
सुखान सुस्कार सोडताय
केन्ना केन्ना तुज्या दोळ्यांत
बसताय दुखाचे ढग भरीत
केन्ना आकांत तांडव तर केन्ना
थंडपणान बसताय दुखां गाळीत
तुज्या हुंडक्यांच्या घडघड्यान
म्हज्या ल्हवे कणकणी रावपी जिवांक
भयभीत करून सोडताय
तुज्या दुखांच्या कुपांनी सुर्याक
म्हजेपासून लिपोवन येतांय
अशें तूं जिवाक त्रास करीसर
म्हजो किते गुन्याव घडला
म्हजो मोग कसो उगड करूं
होच प्रश्न म्हाका पडला
तुजो हो अवतार पळोवन
म्हजे काळीज उबांतार जाता
दाटून आयिल्ल्या काळजातून
केन्नाय ज्वालामुखी भायर सरता
तुज्या दुखांनी आयज म्हाका
अर्दे अदीक बुडोवन थेयलां
कांय दिसांनी तुज्या दुखांनी
हांव चे बुडोन सासणाचें वतले...

– महेश कोरगांवकार

– निलबा अ. खांडेकार

नेलसन मन्डेला

तुज्या आवाजांतलो अुजवाड
ह्या रेगीस्तानार शिपडलो तेन्ना
सामान्यांतलो असामान्य वण्टी
कोसळपाच्या वाटेर पावल्यो
कातीच्या कलकलाटांत माजून गेल्लो
काळोख आता बरोच जिल्ला
फाटली खूबशी पानां चाळीत जाल्यार
दिसपासारख्योच बिनदिसांच्यो अनंत राती
आनी जाणिवेंच्यो अुरफांट्यावयलो
नेणारपणांतलो काळोख
काळजाच्या पोशांत करगटून पडिल्लो
टी. बी. जाल्ल्या पेशंटासारखो
गात्रान गात्र पोखरपी
असामान्यांतल्या सामान्य वण्टीर
बारा पानांचे अेक कॅलेंडर
म्हज्यातल्या दर जागृत दिसांची
वाट पळोवपी,
अुमळशीक तशीच तेवेल्ली
कॅलेंडरांतल्या दर जनेलांतल्यान
तू म्हाका मेळटा
नव्या दिसांची शीनालां दाखोवपी
जनेलांतल्यान भायर सरतना
हांव फाटोफाट तुज्या
तूं तापलेल्या रेवेंतल्यान सहारा चलता
म्हाका खबर आसा,
अेक दिस तुज्या वेदनांचो वांगोड
तुज्याच वांगडा सुट्टलो
पुण तुज्या अुतरांकडलो
तुज्या वेदनांचो संबंद केन्नाच सुटचोना
नदरांच्या कडयांनी घुस्पनासतना
आनी अुतरांच्या आटयांनी फारवं नासतना
हांव पळयता
मोहोंजदारो आनी हाराप्पाची नवलाय
जगाक कळ्ळी ती खूप अुसरां...

भोपाळ गॅस ट्रेजेडी

०० आनी हांच्या अमर्याद लाचारीची दशा
अशी वळगता
'अेक मेणवात वितळत वयता,
काळखाचें पोंद पोटांपोंदा धरून
खिणाचो अुजवाड पैसावलो आनी
नीजाचो–जाग्याचो चिरतन असो काळोख
आनी त्या काळखांत दिसपी हयनूहयनूश्यो सांवळचो,
काळखाच्योंच हालतात, लाँग मार्चाच्या तिश्टाव्यात'
काळखाची पिलावळ पसोवपी अेक गर्भ
अुलयता काळखांतल्यान
'ह्या देशाचो अुद्धार'
'अेकविसाव्या शेकड्याक फुडो करपी
प्रगती पथावयलो भारत
आता मात कोणाच्याय मनांत दुबाव आसत जाल्यार
ताणे तो निस्तवचो
तशे आमी भारतीय दुबावी न्हय आं!
आमी गरजेभायर भावार्थी! विश्वासू!! (!)
लोकशाहीतल्या घटनेंत हेवुय नमुदीकरणाचे दर्शन
चोंयपसल्यान घडटा
तसो तांका नेमळायेन जल्म मेळटा
पायापोंदची वेंतभर भूंय चोरून
आता राजपथार ते पावतात, बिनशर्त
वेगळेपणाचो भेस आसूनूय
सगळ्यापणांतल्या वर्चस्वाचे रंग घेवन
अेक लोकशाय कागदावयल्या अुतरां अुतरांनी
फारवत वयता
आनी अेका संपूर्ण विनाशाचे
आंग भरून येता,
युनियन कारबायडच्या अंतरंगानी
काल अेका भोपळांत हिरोशिमा फुटला
आनी आयज, हे आयजच्याच सोदांत
किदें जातलो हांचो फुडार!!

अनेक नाद एक निनाद आम्ही सारे एक आहोत

वाद्ये अनेक त्यांचे नाद भिन्न भिन्न, पण जेव्हा त्यांचा सुरेख, लयबद्ध, एकात्म मेळ जमतो तेव्हा निर्माण होते सुरेल संगीत – मोहक, आल्हादक प्रभावी अन् ओजस्वी.

राष्ट्राचेही तसेच आहे, भिन्न जाती, भिन्न धर्म, भिन्न वंश ह्यांचा एकात्म मेळ साधला की राष्ट्रही बनते सुंदर एकसंघ अभेध्य अन् बलवान.

राष्ट्रीय एकात्मता राखा देश बलवान बनवा.

माहिती व जनसंपर्क महासंचालनालय
महाराष्ट्र शासनाद्वारा प्रकाशित.
महाराष्ट्र परिचय केंद्र, पणजी-गोवा.

त्रिगुणांचे जतन करूया

एकता, शांतता आणि बंधुता या वैशिष्टचपूर्ण त्रिगुणांची अजोड देणगी गोमंतकीयांना लाभलेली आहे.

या त्रिगुणांमुळेच त्यानी संपादन केलेली सामुहिक अस्मिता, विशाल दृष्टी आणि त्याला मिळालेली कठोर परिश्रमाची जोड यांच्या बळावर. स्वातंत्र्याच्या गेल्या पंचवीस वर्षांत गोमंतकीयांनी एक भव्य व दिव्य सामाजिक आर्थिक विकास मंदिर उभारलेले आहे.

या मंदिराचे कोणत्याही परिस्थितीत आणि केवढ्याही मोठ्या त्यागाचे मोल देऊन आपल्याला जतन करायचे आहे आणि आजच्या व उद्याच्या पिढ्यांना सुखासमाधानाची द्वारे खुली करायची आहेत.

माहिती संचालक,
गोवा, दमण आणि दीव सरकार
पणजी द्वारा प्रसृत.

पेडणेचो तरनाटो उलयता

तो दिस शुक्रार आसलो. सकाळच्या ७-३० च्या सावंतवाडी पणजी कदंब बशीन बसोन हांव पणजे वयतालो. हांव एकटोच आसलेल्यान हांवेंन कोंकण टायम्स् वाचपाक घेतलो. हांव वाचतां वाचतां केन्ना बस येवन पोस्टाकडे स्टॉपार थांबली. थंय चार बरे शिकलेले तरणाटे बशींत चडले आनी म्हजे शेजाराक येवन बसले.

हांव बशिल्लो ताच्या फाटल्या सिटार बांद्याचो वेपार करपी मनीस आनी अकरावी केलेले भुरगे बसलेले. ते तिगूय महाराष्ट्रीयन आसलेल्यान मराठीतल्या खबरी करुंक लागले. ते दोगूय एमप्लोयमेंट एक्चेंज केंद्रांत आपलें नांव घालूंक वयताले अशे ताच्या उलोपवा वयरसून कळतालें. तशेच तो वेपारी मनीस पोरस्कोडे चडलेल्या दोगांक बरो वळखता म्हुण तांच्या खबरानी कळतालें. तांतल्या एकल्यान म्हळे आमगेल्या बांद्यात बेकार तरुण खूब आसात. थोड्यांनी तर गोंयांत एम्प्लायमेंटान नांवां घालूंक सुरू केल्यांत. आनी आमी आयज थयसरुंच वयतात.

पोरस्कोड्याच्या भुरग्यान तांका सांगलें. तुमचें काम जातोकच आमी फोंड्यांत मराठी मेळाव्याक वचचे. फुकटात येवंक वचोंक मेळटा.

हांव हें सगळें शांत रावोन आयकतालो. बस केन्ना येवन कोळवाळ रावली कळ्ळेच ना. हांवेन दो–चौगां भितरल्या दोगांक दुसरेकडेन आपोवन व्हेले आनी सांगले 'हे पळेयात गोंयची मराठी राज्यभाशा जाली जाल्यार सगळे महाराष्ट्रीयन गोंयाचेरे आपले मोठेपण गाजयतले. आनी पळेयात ते बसीन तिगूय महाराष्ट्रीय आसोन गोंयांत काम मेळोवपाक वतात. आनी आमी गोंयकार आसोन आमकां गोंयांत कामां ना. तुमची नदर अशी चौशील्यान मारात, आनी पळयात गोंयच्या सगळ्या मुखेल खात्यानी महाराष्ट्रीय लोक आसात. आनी गोंयकार फकत ४० टक्के जायत. पुण ६० टक्के हे महाराष्ट्र कर्नाटक, आनी केरळांतले आसात. आमी गोंयकार इतलें आसोनूय आमकां कामां मेळना.

गोंयांत मराठो उलोवपी कांय लोक आसात आनी त्या मुठभर लोकांक मराठी राजभाशा जाय. हांवें म्हज्या हातांतलो कोंकण टायम्स तांका वाचपाक दिलो. ताणी ते वाचल्या उपरांत तांच्या दोळ्यांत मराठीच्या काळोखाची जी साय आसली ती पयस जाली. तांका म्हाजे म्हणणे मानले. तांका हांवेन पुडे सांगले तुमकां खबर आसा PWD, शिक्षण, KTC ह्या खात्यानी चड काम करपी भायले आंसात आनी गोंयकार सारखे उणे. आनी समज मराठी राजभास जाली तर बेकारकाय वाडतली. महाराष्ट्रीय लोकाक काम मेळटले. पुण गोंयकार तरणाटे बेकार उरतले. पुण जर कोंकणी राजभाशा झाली तर मराठीचे कांय नुकसान जांवचे ना. आमचे अभंग, किर्तना, भजनां ही तशी तशेच रावतले. आतां तर सगळे गोंय कोंकणीमय जाल्ले आसा. आमकां सगळ्यांक कोंकणी राजभाशा जाय. आनी म्हजो विश्वास आसा आमचे राजीवजी आमचे गोंय कोंकणीमय करतलेच.

हांव तांचेबरोबर एम्प्लोयमेंट एक्सेजांत गेलो. म्हज्यासांगाता तीन महाराष्ट्रीयन आसात. तांची तुमी नांवां घेंव नाकात म्हण हांवेंन ऑफीसांत एका क्लार्काक, कोणाक कळोंक दिवक नासत्ताना सांगलें. अशे सांगलां म्हण ताणे म्हजी तोखणाय केली. तांका सगळ्यांक म्हजे म्हणणे पटलें.

– गोपाळ ह. नाईक
तोरशें–पेडणे

–●–

कोंकण टायम्सची पटी

पोस्टाचे दर वाडल्याकारणान कोंकण टायम्सची वर्सुकी पटी रु. ८/– दवरची पडल्या. दिवाळी अंक धरून वर्साक तीन ते चार अंक मेळटले. जाणी वर्सुकी पटी भरल्या तांकाच याफुडें अंक धाडटले. तेन्ना वर्सुकी पटी मनिआर्डरीन धाडची.

१५ जानेर १९८७ मेरेन पटी भरतल्यांक रु. ६/– च दवल्ल्या. तेन्ना बेगीन पटी धाडून दिवची. फाटली पटी भरपाची आसा ताणीय बेगीन धाडची.

– उजवाडावपी
कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश, गोंय ४०३१०१

फुगडी

तरनाटी आनी माणकुलीं भुरगीं
सवाशिणी बायलांक पैज मारीत
घुंवळिल्ल्या आंगणांत
वाऱ्यागतीन लागोळ्या सूरांत
फुगडी घालता–
'आबोल्या हालय गो पेटारो
आबोल्याचो घोव गो म्हातारो...'
ओली चिप्प जांवन सगळीं
घासावीस जायत निस्तत रावता
तांच्या नेटान सवाशिणींचो तुरो फुलता
अळंग आंगलोट हालयत ती गायता–
'आंकवार चलयो अश्यो कश्यो
रस्त्यार लोळटा म्हशी कश्यो...'
हासत, नाचत, लयेन फुगडेक रंग चढ्ता
सगळींच आतां तल्लीन जायत
अेकमेकां वांगडा नाचता–
'ह्येम ह्येम झेमाडो
आमच्या पोरसान आंबाडो ..'
फुगडेर फुगडी घालीत
खेळीमेळीन सगळींच भुल्लुसता
हात–पांय वळ सर नाचत रावता
तान–भूक विसरत फुगडी घालता

– चंदानंद

बॉस आनी हांव : अर्थ

–बॉस दिसभर उलयता हाचो अर्थ तागेलें उलोवप सगळ्यांक आवडता
जेन्ना हांव अुलयता, तेन्ना हांव मात बोबाटें

–बॉस ऑफिसांत किदें चल्लां तीतलेंय पळोंवक सोदता हाचो अर्थ ताका आस्था आसा
जेन्ना हांव पळयतां तेन्ना हांव मात नाकां थंय नाक घुसपावपी

–बॉस हेरांकडे उलयता हाचो अर्थ तो न-यो कल्पना अुकतायत
जेन्ना हांव अुलयतां, तेन्ना हांव मात आमटाण कल्लां–यतां

–बॉस भोवतणच्यांक शिटकायता हाचो अर्थ ती ताच्या व्हडपणाची फावोशी नाट
जेन्ना हांव शिटकायतां तेन्ना हांव मात शापोतेर

–बॉस खंयचेय बायलेक स्कुटरीन लीफ्ट दिता हाचो अर्थ ताका बायलांविशीं आदर आसा
जेन्ना हांव कोणालेय स्कुटरीर बता तेन्ना हांव मात पारपोळ

–बॉस ऑफिसांत येना हाचो अर्थ तो बरो ना
जेन्ना हांव येना तेन्ना हांव मात सिनेमाक गेलो जावंक जाय

–बॉस ऑव्हरटायम करता हाचो अर्थ तो मरुन काम करतां
जेन्ना हांव ओव्हरटायम करतां तेन्ना म्हज्यान मात वेळार काम सोंपोंवक जमना

–बॉस नोट पेडाचेर चित्रायता हाचो अर्थ ती ताची कल्पकता
जेन्ना हांव चित्रायतां तेन्ना हांव मात कागदाचो इबाड करतां

–बॉस आपणाक जाय तशेंच काम करून घेता हाचो अर्थ ताणें पुर्ण विचार केला
जेन्ना हांव करुन घेतां तेन्ना हांव मात हट्टी

–बॉस लग्न जाता हाचो अर्थ अदीक जापसालदारकेन तो बरें काम करतलो
जेन्ना हांव जातां तेन्ना हांव मात कामार सारखें लक्ष दिवंक पावचें ना

–बॉस ही सविस सोडटा हाचो अर्थ ताच्या बुद्धीक हांगा बाव ना
जेन्ना हांव सोडटा तेन्ना हांव मात अेका जाग्यार धड तिगपी म्ही.

(आफिस स्कील वेल्यान : सुरेश पिळर्णेकार)

নকশি প্রচ্ছদ

कोंकण टायम्स

BOOK-POST

1. K. Gokuldas Prabhu
Corporation Bank.
H.O. Human Resource
Dept. Manglore 575 001

5-1-87
16 APR 86
DELY
MANGALORE

DIRECTORATE OF FISHERIES

For better yield of Marine Resources it is absolutely essential that ecological balance of environment is not disturbed. Fishing by Mechanised vessels in the near shore waters and in the rivers during Monsoon is very harmful since these waters are nursery grounds where juvenile fish come for feeding and shelter. Indiscriminate killing of juvenile fish is the major cause for decline in fish catch. All the Mechanised boat operators are advised strictly to follow the provisions of Marine fishing regulation Act and stop fishing in prohibited areas.

कोंकण टायम्स

चवथ अंक–स्वातंत्र्यदिन अंक १९८६

णवनारी कुंज कलाकृती

संपादक : तुकाराम शेट

मोल : १ रुपया

मानादीक बरोवपी : भौ. रवींद्र केळेकार, पांडुरंग भांगी, प्रकाश वि. तळवणेकार, दिनेश भरणो, अशोक भोसलो, गुरुदास परवार, मांगिरीश शां काकोडकर, धाकटू दा. परवार, शांती स. तेंडुलकर,

लोकप्रिय गीत : अुदय भेंब्रो

लोकवेद : भुरग्याखातीर काणयो सांगपी श्रीमती मोलू चोडणकार, पुंजावपी : तुकाराम शेट

'णवनारी कुंज' कलाकृती : गोंयचे नामनेचे चित्रकार आनी शिल्पकार कै. गणपण शेट मांद्रेकार (तांचें पूत श्री. रमेश मांद्रेंकर हांचे बरेपणान)

कोंकण टायम्स

चवथ अंक–स्वातंत्र्यदिन अंक १९८६

गोंयांतल्या शिक्षणाच्या भाशा धोरणावयर विचार जांवचो

गोंय स्वतंत्र जायत साकून आयजमेरेन गोंयांत शिक्षणाचो विस्तार जायत आसा. गोंयच्या भुरग्यांक शिकोवपाक जाय म्हुण फाटीफुडे कसलोच विचार न करता हिरीरी पापारी करीत सुर्वेक मराठी शाळा उगडीत रावले. उपरान्त तो नेट सोपलो. मागीर नवें फॅड येवन इंग्लीशीबगर उपाय ना अशें चिंतून आपल्या भुरग्यांक इंग्लीश शाळेंत शिकपाक घालपाक लागले. आनी आता तर सगळ्याक इंग्लीश शाळा वेगान उगडीत आसात. वांगडा K. G. शाळा जल्माक येयत आसात. सुर्वेक साकून इंग्लीशीतल्यात शिकले नात तर फुडें कशेंच भागचें ना हे भिरांतीन भुरग्यांक इंग्लीश शाळांत सुर्वेकूच घालतात. ही भिरांत अज्ञानांतल्यान जल्मल्या. वयल्यान मुळाव्या आनी बालशाळांत भुरग्यांक इंग्लीशीतल्यान शिकप जड जाता. आनी फुडें शिक्षण सारकें जायना त्याकारणान सादारण ३३ टक्के भुरगी धावी पास जातात आनी बाकीची ६७ टक्के भुरगी गळटात. हाचे अेक मुखेल कारण भुरगी आपल्या सहज सोपे आवयभाशेच्या माध्यमांतल्यान शिकना हेंच आसा.

गोंयांतल्या शिक्षणाचें भाशा धोरण आंखूं ना. गोंयच्या शिक्षणाच्या बाजारांत कोणाक जाय ते मेळटा. शिक्षणाचें भाशा धोरणूच ना. अेक सादें घर लेगीत बांदतलो तर आराखडो तयार करचो पडटा. पुण गोंयच्या शिक्षणाच्या भाशा धोरणावयर कोणेच चिंतू ना. मागीर भाशा धोरण आसतलें कशें ? आनी आमकां तर दुसऱ्याच्या पोशांत उदीक पियेवपाची संवय.

शिक्षणाचें भाशा धोरण नासल्याकारणान शिक्षणाचें तारूं येरें नासल्यावरी व्हाळत व्हाळत आसा. केन्ना खंयच्या खडपार आपटत तें सांगू जायना. तरी आजुनय शिक्षणाच्या भाशा धोरणावयर विचार करूं येता. शिक्षणाच्या मळावयल्या आनी समाजांतल्या बुदवंतांक अेकठांय हाडून हाचेर विचार जांवचो आनी तांतूतल्यान गोंयच्या शिक्षणाचें भाशा धोरण थारावचें आनी ते आंखणीप्रमाण फुडाराक शिक्षण दिवचें.

– संपादक

संपादक :

तुकाराम शेट

संपादन पालव :

प्रकाश द. नायक
महादेव भोसले

उजवाडावपी :

हिरा शेट

छापपी :

रवि मुद्रणालय, बेळगांव.
फोन : २१०७९

कोंकण टायम्स पब्लिकेशन
बेती, बार्देश, गोंय–४०३१०१

☐ लेखांतली मतां त्या त्या बरोवप्याची. – संपादक.

Regd. R. N. 39874/83

IRRIGATION DEPARTMENT

GOVERNMENT OF GOA, DAMAN & DIU
PARTICIPATES IN THE DEVELOPMENT

OF THIS UNION TERRITORY

BY EXPANSION OF IRRIGATION FACILITIES

THROUGH CONSTRUCTION OF :

1. **Salauli Irrigtaion Project**
2. **Tillari Irrigation Project**
3. **Damanganga Project**
4. **Mandovi Irrigation Project**
5. **Anjunem Irrigation Project**

and Many Minor Irrigation Schemes

गोंयची राजभास फक्कत कोंकणीच आसूं येता !

– रवीन्द्र केळेकार

येतले येतले म्हुण गाजताले तें राजभाशा विधेयक निमाणे पयर विधानसभेत आयले.

मुखार कितें जातलें सारकें खबर ना. एक खरें : ताचेर चर्चा खूप जातली. विधानसभेत तशीच भायर घरांघरांनी.

त्या मुखार ? कांय जाण म्हणटात तांतूंत बदल जातलो. मराठीक कोंकणी वांगडाच सुवात मेळटली.

दुसरे काय जाण म्हणटात : बदल घडून आयलोच जाल्यार, अितलोच जातलो : मराठीक सांगती भास म्हुण दर्जो मेळटलो.

तर कांय जाण म्हणटात : कांयच बदल जांवचो ना. आसा त्याच स्वरुपांत तें पास जातलें.

आनीकूय एक विकल्प आसा अशें म्हणपी लोक आसात. ते म्हणटात. कोंकणीच जाली जाल्यार उत्तरेकडले गोंय पेट्टा. मराठी केली जाल्यार, दक्षिणेक कडलें पेट्टा. लोकांच्यो ह्यो पेटिल्ल्यो तकल्यो थंड जायसर कसलोच निर्णय कोणच घेवचे नात. विधेयक काडटले आनी 'सिलॅक्ट कमेटी' सुवादीन करतले.

पुणून हे सगळे अदमास.

आनी अदमासांक अंत ना.

भाशेचे कितेंय जावं, ह्या विधेयकाच्या निमित्त्यान आयचे सरकार पडटलें (वा तें उडोवंक मेळटलें.) मागीर वेंचणुको येतल्यो आनी आमचें सरकार सत्येर येवंक पावतलें अशी सपनां पळोवपीय कांय जाण म्हाका मेळ्ळचात.

आनी ते मराठीच्या पंगडांत आसात तशे, कोंकणीच्याय आसात, अैन त्या वेळार दोनूय एकठांय लेगीत येवं येतात...

पुणून, हे सगळे अदमास कडेक दवरून धरून चलुंया : विधेयक आसा त्याच स्वरुपात पास जालें. जाल्यार, कितें जातलें ?

' प्रजेच्या आवाजा'न विधेयकाक येवकार दिला. ताचे वयल्यान दिसता : विधेयक पास जाले जाल्यार कोंकणी भक्त खुशाल भरीत जातले. आयज मेरेन अितहासांत कोंकणीक सरकारी 'पेट्रोनेज' केन्ना मेळूंक नाशिल्ली (तिचे बगर संवसारांतली खंयचीच भास वयर सरूंक ना.) ती आतां कोंकणीक मेळटली, हे खोशयेन कोंकणी भक्तांचीं काळजां नाचूंक लागतली.

काडून काडून ते अेकूच शीण काडटले : मराठीचो थातोमातो विधेयकान चड केला. तितलो तिका फाव नाशिल्लो.

मराठीक कितेच मेळचें न्हय अशें कोंकणी भक्तांनी केन्नाच म्हणूक ना. 'प्रजेच्या आवाजा'न कोंकणीच अेकली राजभाशा जावंक जाय अशें म्हणटा आसतना 'मराठीकूय मानाची सुवात मेळूक जाय' अशे म्हळां. गोंयांत 'मराठी भाषिक' लोक आसात म्हुण न्हय. ते तिका आपली 'माय भास' लेखतात म्हुण्णूह न्हय. मराठीक सुवात दिली ना जाल्यार हे लोक दुखावतले वा खुबतले म्हण्णूय न्हय. तर, कोंकणीची अजून सारकी वाड जावंक ना. आमच्यो सांस्कृतिक भको भागोवपा अितली तिच्यांत अजून तांक येवंक ना. ही तांक तिका आधार दिवपी तिचे वाडीक हातभार लावपी अेक अत्यंत लागिची, संवकळीची भैण–भास म्हुण. तिका 'मानाची सुवात मेळची' अशे कोंकणी–भक्त म्हणीत आयल्यात तें अितल्याच खातीर. आनी ह्याच संदर्भात मराठीची 'गरज आसा' म्हुण. मराठीक ही जी सुवात मेळची अशें तांकां दिसतालें तिच्याकूय चड तिका ह्या विधेयकांत दिल्या अितलोच शीण ते काडटले.

गोवा कॉंग्रेस हाच्याकूय दुसरें कितेंय म्हणीत अशें दिसना. अजून मेरेन तरी दुसरें कांय कानार पडूंक ना.

मराठी भक्त कितें म्हणटले ?

तुमी कोण मराठीक अमके दितले, तमके दितले म्हणपी ? मराठी हांगा आसा. शतकांची शतकां जालीं, तिणे आमच्या आत्म्याक पोसवण दिल्या. राज्यभाशेच्या पाटार बसपाचो तिचो हक कोण काडून घेतलो, आमी पळयतले. तिचो हक तिका मेळसर आमी झुंजत रावतले. ते मेरेन कोणाक न्हिदो काडूंक दिवचे नात. बाकिचें कितेंच तुमी तिका दिलें ना जाल्यार उपकारता. पुणून राजभाशेचो पाट तिका मेळूंकूच जाय...' हें जे ते सांगीत आयल्यात तेंच अदीक नेटान सांगतले.

आनी विधेयकांत तसो बदल जालो ना जाल्यार रास्ता रोको, बस जलाओ, गोवा बंद करो, असले सगळें करतले. कितलो तेप? खबर ना. घडये तांका पुरो जायसर करतले.

पुणून म्हजो प्रस्न वेगळोच–

तुमी हें विधेयक सारकें वाचलां व्हय ? तर्जून पेळेलां ?

कोंकणी भक्तांक नाचपा सारकें आनी मराठी भक्तांक खुबपा सारकें, तकली तापोवन घेवपासारकें कितें मेळ्ळे तुमकां तांतूत ?

हांवें विधेयक वाचलें. बारकायेन वाचलें. अिंग्लीश कोशांत एका एका उतराचो हांव जाणा ताचे परस वेगळो कितेंय अर्थ दिला काय कितें, हे पळोवन वाचलें, कांय आद्‌वोगाद मित्रांक विचाल्लें.

म्हजे मत जालें तें अशें : ह्या विधेयकात कोंकणीचे तकलेर राजमुकुट चडयला. राजकोष मराठीचे सुवादीन केला आनी–

राजदंड काडून इंग्रजीच्या हातांत दिला.

वेवहारांत इंग्रजी हांगासल्या प्रशासनांत राणी म्हुण वावुरतली.

कोंकणी आनी मराठी ह्यो दोनूय भासो तिगेल्या घरांत ावराड्यो म्हूण नंदतल्यो. फरक इतलोच कि तांतले एकलेचे ाकलेर एक मुकुट आसतलो आनी दुसरेच्या हातांत कोठयेकूडीची ावी आसतली. कोंकणीक आनी मराठीक वावराडेच्या दर्ज्यापरस ायलो दर्जो दिवंक ना ह्या विधेयकांत.

हांव दोनूय पंगडांतल्या लोकांक विचारतां : तुमी झुंजताले ो ह्या खातीर व्हय ? ह्या दोनूय भासांक इंग्रजीगेर वावराड्यो म्हुण नंदूक मेळचें म्हुण तुमी बसी हुलपायल्लो व्हय ?

प्रजेच्या आवाजाची मागणी आशिल्ली : गोंयांत अेकूच राजभास आसतली ती कोंकणी.

मराप्रसची मागणी आशिल्ली : कोंकणी वांगडा मराठीय राजभास जातली.

ह्या विधेयकान दोनूय भासांक तांची सुवात दाखोवन दिल्या आनी सांगलां : 'हांगा मेरेन, हाच्या मुखार ना–' Thus far. No further.

हांगा सदांकाळ राज्य इंग्रजींचेंच चलतलें.

' प्रजेचो आवाज ' स्थापन जाला त्यावेळार ताज्या मुखार एकच प्रस्न आशिल्लो. खूब जाणांक दिसपाक लागिल्लें. गोंय आतां गोंयकारांच्या हातांत उरूंक ना. गोंयकार सोडून बाकिच्या सगळ्यांच्या हातांत गेलां. उद्योगधंदे भायल्यांच्या हातांत 'विकास' भायल्यांच्या हातांत (म्हुण मांडवी पुलासारके पूल जातात.) सरकारच्या खंयच्याय खात्यांत वच– डायरेक्टर भायलो, सेक्रेटरी भायलो क्लार्क भायलो. प्यून लेगीत भायलो. मॅडिकल कॉलेज भायल्यांचें. युनिव्हर्सिटी भायल्यांच्या हातांत. मामलतदार भायले...

हें 'स्वराज्य' शें दिसचे ना. 'ते' गेले आनी 'हे' आयले अितलेंच घडून आयलां.

सारस्वतूय खंय भायले. (इति मुखेल मंत्री) पंजाबांतल्यान काय आनी खंयच्या मसणांतल्यान आयिल्ले. जायत (मरूं आशिल्ले ते) पुणून गोंयांत वेळीप आसात मू, जल्मी आसात मू ? गावडे आसात मू ? नायक (मराठीन : नाअीक ' आसात मूं ? तांच्या भुरग्यांनी कितें करप ? नोकऱ्यां खातीर तांणी खंय वचप ?

कांय जाणांक दिसलें : सरकारी नोकऱ्याखातीर हांगा कोंकणी 'सक्ति'ची केल्ली जाल्यार अशें घडचें नाशिल्लें. आमची 'रिक्रूटमेंट पॉलिसी' बदलूंक जाय. हांगा नोकऱ्यां खातीर कोंकणी 'कम्पलसरी' करूंक जाय. तरूच आमच्या भुरग्यांक नोकऱ्यांच्या मळार संरक्षण मेळटले. कोंकणी मराठी आनी अिंग्लीश तिनूय दवल्यो जाल्यार स्पर्धेंत आमचे भुरगे फाटीं पडटले. (पडटात हे धडधडीत आमी पळेतात.)

भायले जे सगळ्यो सुवाती आडावन बसल्यात तांकां खंयूय तरी शीम घालूंक जाय.

कोंकणी 'कम्पलसरी' सक्तिची करुनच हें जांव येता.

कोंकणी सक्तीची करूंक येवपाक कितें करूंक जाय ?

चळवळ सुरू जाली तेन्ना हो हेतू मुख्य आशिल्लो. ताकाच पोषक प्रजेच्या आवाजान दुसरी एक मागणी केली. घटक राज्याची. आमच्या मुखेल मंत्र्यांक ल्हान ल्हान गजाली खातीर दिल्लीची परवानगी घेवची पडटा. ते बगर तांकां कितेंच करूंक मेळना ही स्थिति बदलची. मुख्यमंत्र्यांच्या हातांत मात्शी चड सत्ता येवंची म्हुण घटक राज्यूय मागचें जशें थरिल्लें.

' युनियन टेरिटरी ' म्हळ्यार ' कॉलनी ' (कॉलनीच ही दिल्लीची) हे स्थितींतल्यान गोंयचो ' उद्धार ' जावचो म्हुण घटक राज्याची मागणी जाली...

खंय चुकिल्लें, प्रजेच्या आवाजाचें ? पुणून नशीब आमचें ! आमची परंपरा देमांदिश्तांची. आमचा ' संस्कृती, संस्कृती ' म्हणटात ती ही. आमी हे शुद्ध चळवळीक फांटे फोडले– तातूंत संस्कृती हाडून सोडली. भजनां, कीर्तनां हाडलीं. नाटकां–शिगमे हाडले.

खंयची कोंकणी, कोणाची कोंकणी, कसली कोंकणी प्रस्नार प्रस्न सुरू केले ..

' घटस्फोटा'क कोंकणीत कितें म्हणटले ? ' मडके फोड ?' असले ' विनोद ' करून लोकांच्यो ताळयो घेतल्यो. शणै गोंयबाबांचे नांव घेतलें आनी खो खो करून हांसले.

' मराठी हीच आमची भाषा आहे; कोंकणी ही आमची बोली आहे.' असल्यो गर्जना केल्यो आनी परत्यो ताळयो घेतल्यो

लोकप्रिय गीत

हांव बाबा न्हवरो

हांव बाबा न्हवरो, नांव म्हजें साजरो
पलतडी लग्नाक वेतां
खोशेचो वझरो तोंडान हांसरो
म्होवाळ ओंठार गितां
राजाचो झेत म्हजो नवलांचो भेस गा
मोतयांची भुजांर फितां

सोबीत रुपाची व्हंकल मोगाची
पिशे तिजे लायतात दोळे
फुलूंक आशेतात लजन बावतात
तळ्यांतले साळका–कळे
पारव्याचे जोडें आमचें सोबतले माटवांत
लोकांचे नदरेक भितां

पलतडच्या वाड्यार सुंवारी वाजता
काळजाच्या कानांत अुले
व्हंकलेच्या पायांत भांगराच्यो घागऱ्यो
लजेन गा तांबशे पोले
व्हलय गा तारया आतां बेगी पावया
बाटातली मुदा दितां

– उदय भेंब्रो

(मराठी आनी कोंकणी दोनूय भासांक समान दर्जो मेळटलो म्हणटात ताचो अर्थ हो– अस्मल मराठी अर्थ.)

अेकुणस्शें पंचविसांत शणै गोंयबाबान कोंकणीची चळवळ सुरू केल्ली तेन्ना अका–विका जे मुद्दे मुखार करताले तेच अेकुणीस्शें श्यांयशांत ! मदीं कितले पावसाळे आयले आनी गेले. कितल्यो लुवण्यो, कितल्यो रोवण्यो आयल्यो आनी गेल्यो– कोंत आनी हिशेब ना.

आमी आमच्या ' विठोबा ' भाशेन ' युगें अठ्ठावीस विटे वरी उभे ! ' हालप ना, धोलप ना. सट्ट करून शनिवारवाडो कोंसळून पडत म्हुण भय ! सांगूं येता ?

तात्पर्य : अैन प्रस्न कुशीकूच. आमच्या भुरग्यांक नोकऱ्यांचें संरक्षण दितलो ? तें कशें मेळटलें ? कोणूच सांगिना.

तातूंत आतां ह्या प्रस्नाआड आपल्या मुखेलमंत्र्यान आमचें कोन्स्टिटयूशनच मोखून आमच्या तोंडार माल्लां. (बरें जड तें) आनी म्हळां : घेयात, खायात... कोन्स्टिटयूशन असलो कायदो करूंक दिना.'

आतां गोंयची दारां सताड उकती करपाचीं आनी सगळ्यांक सांगपाचें : बाबानो, गोंय, तुमचें सगळ्यांचें, फक्त आमचें गोंय–कारांचें, न्हय.

' आव जाव घर तुम्हारा ' कोन्स्टिटयूशनान सगळ्यांक सगळे अधिकार दिल्यात. फक्त गोंयकारांक कसलोच अधिकार दिवंक ना...

मागीर राजभाशा आमकां कित्या खातीर जाय आशिल्ली ?

आयच्या भुरग्यांक शाळेंत खंयचे भाशेंत शिकोवचें हें थारावपा खातीर ? हो प्रस्न आमी केन्ना सोडयलो. आयज मराठींत सत्तर पंच्यास्तर हजार भुरगी वतात. पंदरा वरसां पयलीं लाख सवाय वतालीं. पंचवीस पन्नास हजार भुरगी खंय गेलीं ? कळ्ळे मूं, खंयचे दिकेन आमी वतात ते ? प्रस्न कसो सोडयतात ते ?

आमकां राजभास जाय आशिल्ली ती गोंय ' कोणाचे ' ते निश्चित करपा खातीर.

आता प्रस्न उपरासता तो हो–

राजभाशा जाय, राजभाशा जाय म्हण आमी आडुल्ले. वसी हुलपायल्यो, फातर माल्ले, गाळी घाल्यो, गोंय बंद केलें, लोकांक तरांतराचे त्रास दिले– कित्या खातीर ?

कोंकणी आनी मराठी ' बेकार ' पडिल्ल्यो तांकां अिंग्रजीगेर वावराड्यांचे ' शिर्विसेव ' लावपा खातीर ?

हे विधेयक जे जें तुमी हाडलां तें हाच्याकूय व्हडलो 'भौमान' तुमच्या ह्या ' प्राणप्रिय' अित्यादी अित्यादी मायभासांक दिना.

ताचो विचार लेगीत जाता तो ' गोंयचें हित कित्यांत आसा ' ह्या संदर्भात न्हय. म्हाका बऱ्याक पडटले काय वायटाक पडटलें? ... कॉंग्रेसीचे किते जातलें ? कॉंग्रेसीक भंय घालतात तो कसलो ? मराठी केली (वा केलीना जाल्यार) There is no future for Congress in Goa.... हुस्को सगळ्यांक होच अेक.

केन्ना केन्नाय प्रस्न पडटा : जे लोक आपल्या वा आपल्या पक्षाचेच हित पळोवन निर्णय घेतात, तांच्या हातांत गोंयच्या हिताचो प्रस्न सोडोवपाक काडून दिवप, कितलेशें समा ?

आनी हे भाशेन घेतिल्लो निर्णय आमी कितलो मो मानून घेवप ?

लोकांची खुबेल्लीं मनां पळोवन आनी आपलो वा आपल्या पक्षाचो ' फुडार ' लक्षांत दवरून जो विचार जाता तो ' विचारूच ' न्हय. ' विचार ' निस्पृह आनी निर्भय आसता. 'म्हजे वा म्हज्या पक्षाचें कितेंय जावं, गोंयच्या हिताचें; आनी तेंच हांव करतलों ' अशें येवजून जो निर्णय घेतात त्याच निर्णयाक मान आसता. तो मागीर चुकिचो आसल्यार लेगीत उपकारता.

जवाहरलालजीन म्हळ्ळें : ' हम हजार बार चुनाव हारेंगे. मगर कॉंग्रेस की शान रखेंगे ! '

ती कॉंग्रेस ही न्हय. वर्स कॉंग्रेसचे तिकेटीर उबे रावन ' आय 'त उडी मारपी शेडुयांची कांग्रेस ही.

म्हाका कोणाक उणे लेखपाचें ना. पुणून स्पष्ट सांगचें जाल्यार भाशेच्या प्रस्ना सारक्या नाजूक आनी म्हत्वाच्या प्रस्नाचेर निर्णय घेवपाची योग्यताय वा पात्रता आयचे आमदारांत निखालूस ना, अशें म्हजें मत जालां. अेक दोग जाण सोडीत जाल्यार अेकल्यानूय ह्या प्रस्नाचेर आयूष्यांत पांच मिण्टां लेगीत विचार करूंक ना.

मराठीचें म्हाका लागना. कित्याक तिचे व्हडले व्हडले कैवारी आसात. राष्ट्रीय ' महा–राष्ट्रीय ' म्हाका फकत कोंकणीचें लागता आमत घडय हाव अ-राष्ट्राय. म्हाका ताची लज दिसना. हांव कोंकणीक विचारूंक सोदता.

तूं अिंग्रजीच्या घरांत वावराडी म्हुण वावुरतली ? काय, स्वताच्या घरांत मालकीण म्हुण जगतली ?

ह्या विशाल, भारतवर्षात तुजी स्वताची अशी भूंय खंयूय आसा जायात जाल्या ती फकत ह्या गोयांत. मराठीक महाराष्ट्र आसा. अिंग्रजीक अख्खो संवसार आसा. तुका मात गोंय सोडून दुसरी सुवात ना. थंयूय तूं मालकीण म्हुण जगची ना ? वावराडी म्हुण जगतली ? ह्या विधेयकान तुका मालकीगीचो अधिकार दिवंक ना. तुजो पांवडो वावराडेचो म्हुग दाखयला. तातूंत तूं समाधान मानतली ? ना, जाल्यार सरकाराक सणसणीत उतरांनी सांग–

' जे मेरेन हें विधेयक प्रशासनांतलो इंग्रजीचो वापर क्रमशः कसो उणो जायत वतलो आनी अजिबात केन्ना बंद जातलो हें स्पष्ट सांगीना, ते मेरेन तुवें जो हो मुकुट म्हजे तकलेक घालपाक काडला तो म्हाका नाका. हांव म्हज्या घरांत वावराडी म्हुण जगपाची ना ... ना म्हळ्यार ना... नाच ना---'

कोंकणी ' क्रियादांची भास ' पयलीच आशिल्ली–टेम्पररी. आता तिका हें विधेयक ह्या जाग्यार ' फीक्स करूंक सोदता, ' कन्फर्म ' करूंक पळेता. मोखून भायर मारपाचें तें

० ० ०

('आमचें गोंय'च्या बरेपणान)

(लेखांतली मतां त्या त्या बरोवप्याची–उजवाडावपी)

गुरुदास परवाराच्यो दोन कविता

वाजोण्ये

मार तोणी धोलार तुजी
म्हजें आंग फुलतलें.
धोलाच्या नादार तुज्या
म्हजे तरंग धोलतलें ॥१॥

मार रे शेसार !
येवनी अवसार !!
पावलेंर पावल घेवन,
तुका नाचचें पडतलें
सीमेन सीम दाळपाक
मागीर धांवचें पडलें ॥२॥

होळये मुळार धोलुक वाजय
गडचा मांडार गडचांक नाचय
दिवजाची जात्रा सोबय
तुकां तेल मेळतलें ॥३॥

कावळो

कावळ्या जातीत जल्म म्हजो
'कण, उष्टयाचे वेंचता हांव
गांवांवेलों प्राणी देखून
गांवच्या उष्टयांक, मारता धांव ॥१॥

भायर पडटा पत्रावळ,
जमता आमची 'गोत्रावळ,
म्हजे कुळ, पोसलां हांगा
खावन भिकेचो आवळ – निवोळ ॥२॥

जात म्हजी सुकण्याची,
जीण म्हजी दुखण्याची,
करतां कोणूय पिडदान,
कावळ्यां पोराक पयलो मान
कामापुरतो कावळो मामा
मागीर जाय कोंणाक हांव ॥३॥

भौव कष्टांनी घोटचेर केलो
देखून कोगळेबाये आसरो जालो
तरुय साबार लोक म्हणतात
कावळो हांव जगावेलो ॥४॥

–✻–

गोंयकारांच्या हितसंबंदांचो जाहीरनामो

गोंयकारांचो अेकवट राखप; गोंयकारांचो अेकवट राखपी, अस्मिताय तिगोवपी आनी हीत सांबाळपी अेकटी कोंकणी भास राजभास करप; गोंयचे मनीत बळगें आनी मत हांचो विचार करून गोंयच्या वातावरणाक फावासारकेच उद्देग उभारप; गोंयच्या पारंपारिक उद्देगधंद्याक पालव दिवप; गोंयच्या शेतजमनीचें, न्हंयदर्याच्या उदकांतलें आनी हेर उत्पादन वाडोवप; उत्पादन वाडचें ही नदर दवरून जमीन धारण कायदो (Land Ceiling Act) करप; गोंयची जमीन भायल्या लोकांक विकती न दिवप; गोंयच्या कोंकणी संस्कृतायेची राखण आनी पोसवण करप; थळाव्या भाशेची राखण, तिचो उपेग आनी वाड करप; गोंयकार गोंयांत अल्पसंख्य जांवचेनात अशी तजवीज करप; गोंयाक बाधीकार न जाता असो पर्यटनाचो मर्यादीत विकास राखप; गोंयकारांक नोकरी धंद्याची संद फावा करप आनी गोंयकार पोटापाणया-खातीर गोंयांभायरो जाता अशी दशा टाळपाचो यत्न करप; गोंयांतल्या शिक्षणाचें भाशा धोरण थारावप.

– कोंकण टायम्सच्यावतीन

शब्दकोश : कांय विचार

— पांडुरंग भांगी

शब्दकोशाचो अर्थ म्हळ्यार अुतरांची कोठी. ही कोठी जेन्ना भाशेंतलीं कांय अुतरांच दाखयता तेन्ना ती अेक साधी उतरावळ (Glossary) जाता. जेन्ना भाशेंतलीं बहुतेक अुतरां घेवन अेके पद्धतीन तीं मांडपाचो यत्न जाता, तेन्ना हे मांडणेंतल्यान शब्दकोश घडटा.

शब्दकोश घडोवप ही अेक कला. कलावंताक जशी आपली वाट आपणेंच रेखची पड्टा, तेच परी शब्दकोशकाराकय आपली पद्धत आपणेंच सोदची पड्टा. अुतरां मांडपांची पद्धत शास्त्रांत मोड्टा.

शब्दकोश हो भाशेच्या विज्ञानाचें देणें न्हंय. भाशेच्या विज्ञानाचो विकास हो आविल्लो. शब्दकोशांची परंपरा खूप पूर्विल्ली. कोश घडोवपाक भाशेच्या विज्ञानाची गरज ना. कोश कसो आसचो हें कोशकारान घेतिल्ल्या बसकाराचेर आधारून आसा. कोशकाराक आशिल्ली शब्दाची जाण, ताणें दाखयल्लो शब्दांचो अर्थ आनी अुतरांच्यो वेगवेगळ्यो सया, खासा ताका आशिल्ली आपल्या परंपरेची, आपले संस्कृतायेची, आपले भाशेंतल्या सारस्वताची जाण, हातूंतल्यान कोश घड्टा.

भाशेंत अुतरावळिची वा कोशांची अेक परंपरा आसची पड्टा. जेन्ना अशी परंपरा आसता तेन्ना नवी नवीं सोंपणां चडपाक सोंपें जाता. जितले कोश चड तितली भाशेची समृद्धी व्हड.

कोंकणीच्यो अुतरावळी आनी कोश सतराव्या शेंकड्यांतल्यान घडूंक सुरू जालात. फिर्ग्यांनी गोंय जिखून घेतकीर, बाटाबाटिच्या आदनाक आयिल्लो खतखतो न्हिवल्या उपरान्त आनी कोंकणी ना करपाचे उपाय करून ते थकल्या उपरान्त, जेजुयीत आनी फ्रांसिश्कान पाद्रीक, बाटिल्ल्या लोकांक क्रिस्तांव धर्माची शिकोवण दिवपाखातीर कोंकणीची गरज लागली. त्याच वेळार बाटिल्ल्या बामणांचो आधार घेवन कोंकणीचो ताणीं थोडो भोव अभ्यास केलो. त्या अभ्यासांतल्यान सास्टिचे कोलेजीत अेका पुर्तुगेज पाद्रीन १६२० च्या अदमासाक कोकणी–पुर्तुगेज अुतरावळ तयार केली. ती अुतरावळ हालींच १९७३ वर्सा पुर्तुगेज सरकारान जशाक तशी उजवाडाक हाडल्या. हे अुतरावळिक पाद्री Diogo Ribeiro हाचोय हातभार लागिल्लोसो दिसता. हे अुतरावळित आपली थोडिशी भर घालून, ताणें १६२६ वर्सा पुर्तुगेज–कोंकणी आनी कोंकणी–पुर्तुगेज अुतरावळ तयार केली. ह्यो अुतरावळी आजुनय हांगासल्ले सेंट्रल लायब्ररित हातबरपाच्या रूपान आसात. ह्या अुतरावळित कांय कोंकणीच्यो मोडी दिसतात. भाशेचो खोल अभ्यास करून केल्ल्यो ह्यो अुतरावळी न्हंयत.

१८६८ वर्सा Cunha Rivara हाणें अेका अितालियन पाद्रिन केल्लो पुर्तुगेज–कोंकणी कोश छापून अुजवाडाक हाडलो. ह्या प्राद्रिचें नांव आजून होलमूंक ना. खंयच्या वर्सा ताणें हो कोश रचलो तेंय समजना. हो कोश अिकुणिसाव्या शेंकड्याच्या पुर्वार्धांत रचिल्लो आसुये ह्या कोशांत अितालियान पाद्री मात्सो खोलांत गेला. दियोग् रिबैरिच्या अुतरावळिपरस हो कोश अुजवो आसा. पुर्तुगेज Coco हें अुतर म्हळ्यार नाल्ल Coco हें अुतर येतगीर माडाच्या संबंधान कावथो धरुन ताका नाल्ल लागसर जीं जीं अुतरां कोंकणींत आसात, तितलींय ताणें दिल्यांत. Joias म्हळ्यार अलंकार. Joias ह्या अुतरा संबंधान पायांत घालचेले अलंकार, गळ्यांत घालचेले अलंकार, कानांत घालचेले अलंकार, माथ्यांत माळचेले अलंकार, अितल्यांचीय तो नांवां दिता. वारो हें अुतर दितना वेग वेगळ्या दिशांतल्यान जो वारो व्हांवता ताका कोंकणींत वेगवेगळीं नांवां आसात, तीं ताणें दिल्यांत. देखून पुर्तुगेज ज्येझुयीत पाद्रीनी तयार तयार केल्ल्या अुतरावळिपरस ह्या कोशाचो आधार चड जाता. कोशापरस अुतरावळ हेंच नांव ह्या कोशाकय फावता.

१८८३ वर्सा फादर माफेयचो Konkani-English Dictionery and English-Konkani Dictionery अुजवाडाक आयलो.

१८९३ वर्सा Monsenhor दाल्गादाचो कोंकणी–पुर्तुगेज कोश अुजवाडाक आयलो. कोंकणी शब्दांक ताणीं देवनागरी लिपी उपकारयल्या. आनी कोंकणी शब्दांचे निरुक्त दिवपाचो यत्न केला. १९०५ वर्सा तांचोच पुर्तुगेज-कोंकणी शब्दकोश पुर्तुगालाक छापून अुजवाडाक आयला. तांका गोड्या मुताचो त्रास जातालो. तांचे दोनी पांय कातल्लेले. अशें असतनाय ताणीं कोंकणी खातीर जे कश्ट काडल्यात ताका सर ना. ह्या कोशां उपरान्त तांचेच कोंकणी म्हणींचे पुस्तक १९२२ त पुर्तुगालचे Academia das Ciencias हे संस्थेन छापून अुजवाडाक हाडलां. त्या भायर हिंदुस्थानच्या भाशांक अुपकारिक जायसारको Geossario Luso-Asiatico दोन खंडांत अुजवाडाक आयला. हातुंतलो दुसरो खंड अिंग्लेज भाशेंत भाशांतर करून बडोदा विश्व विद्यालयान छापला.

आनीकय कांय अुतरावळी वा ल्हान कोश कोंकणींत आसात. तितले म्हत्वाचे ते नाशिल्ल्यान तांचो उल्लेख हांगा करूंक ना.

ह्यो सगळ्यो अुतरावळी आनी कोश द्विभाशी. कोंकणी–कोंकणी शब्दकोश नाशिल्लो. तो तयार करपाचो मान भौमानेस्त श्रीपाद देसाय हांका मेळलो.

कोश हें अेका मनशाचें काम न्हय. कोशाखातीर अुण्यांत अुणें म्हळ्यार चार जाणांचें मंडळ आसपाक जाय. बायलांच्या तोंडांत चांटच्या पावलाक म्हणी आसतात, देखून त्या मंडळार अेक बायल आसूंक जाय. अडाणी म्हळ्यार, ज्याचेर पुस्तकी शिक्षणाचे सस्कार जावंक नात तांचेच कडेन भाशेचीं मूळ रूपां मेळटात. देखून, असो

अेक मनीस त्या मंडळार आसपाक जाय. बरोवप्यांनी बरयल्या पुस्तकांतलीं अवतरणां काडपाखातीर, अवतरणां काडपी अेक मनीस ह्या मंडळार जाय. आनी कोशाचें रूप कशें आसचें हें थारावपाक त्या मंडळांतलो अेकलो कोशाचो भुखेल संपादपी आसपाक जाय.

कोशांतल्या अुतरांचे कोठयेंत भाशेंतली पुर्विल्लीं तशींच आर्विल्लीं अुतरां येवपाक जाय. प्रत्येक अुतराचो प्रमाण अुच्चार कोशांत दाखोवपाक जाय. ज्या ज्या शब्दाची व्याख्या करूंक मेळटा, त्या त्या शब्दाची व्याख्या पयली दिवपाक जाय, आनी मागीरच त्या अुतराचे समान–अर्थी शब्द दिवपाक जाय. अुतरां फाटल्यान संवेदना आसतात. ह्यो संवेदना दाखोवपी अुतराच्यो वेगळेगळ्यो सया' बरोवप्यांच्या अवतरणांसयत दाखोवपाक जाय. जंय जंय म्हणींची गरज आसा, थंय थंय म्हणी उपकरांवंक जाय. कालांतरान ज्या ज्या अुतरांच्या अर्थांत बदल जाला, तोय बदल कोशांत दाखोवपाक जाय. शब्दांचें ध्वनि–परिवर्तनय कोशकारान दाखोवंक जाय. देखीक : सं. आम्रक > प्रा. आंबओ > कों. आंवो; सं. आमलक > आंवळओ > को. आंवाळो; सं. प्रतिपदा > पाडिवओ > पाडवो. जमल्यार कोशांत चित्रांय दिवपाक जाय.

कोशकारान ध्यानांत धरपाक जाय कि कांय शब्दां फाटल्यान आपले संस्कृतीचें दायज आसता. कांय अुतरां फाटल्यान परंपरांचें संचित आसता. हें संचित, हें दायज कोशकारान अुजतें करून दाखोवपाचें आसता. 'अग्नि' होच शब्द घेवया. अग्नि म्हळो कि 'कसलीय वस्त पेटल्या उपरांत अुरणतेसयत प्रगट जाता तें तेज' अशी ताजी व्याख्या केली आनी वेदिक काळावेलो तो आर्यांचो अेक मुखेल देव आसलो अशें सांगून भागचें ना. अग्निफाटल्यान वेदांतल्यान अुक्ती जाता ती संकल्पना कोशकारान दाखोवपाक जाय. 'अन्न' म्हळें कि 'जे पिंड पोसणुकेक अुपकारीक जाता तें.' अशी अन्नाची व्याख्या दिवकच जाय. जाल्यारूय, जेन्ना आमगेले पुरातन जाण्टेले ब्रह्माचो सोद घेवपाक लागले. तेंन्ना ब्रह्माची पैलीवैली जाणविकाय तांकां अन्नरुपानच जाणवली हेंय सांगपाक जाय. अहिंसा ह्या शब्दांचो निखटो अर्थ दिवन भागचो ना. अहिंसेंचे धार्मिक आनी राजकर्णी मळावेल्यान विवरण जावपाक जाय. थोडया भितर सांगप म्हळयार भाशेंतल्या ज्या ज्या शब्दा–फाटल्यान जें जें संचित आसा, तें तें संचित कोशकारान दाखोवपाक जाय.

लेखकान वा कवीन जशी आपले भाशेचेर अनन्यभक्ती करची पड्टा, भाशेक आपल्या भुरग्यावरी आंगा–खांदार खेळोवंची पड्टा, तेच परी कोशकारानय भाशेंतल्या प्रत्येक शब्दाची अपुर्वाय करची पडटा. अशें केल्यारच तो शब्द सर्वार्थान प्रगट जावं येता.

वेदिक कवितेंत भाशे संबंधान अेक अर्थान अुगट भरिल्लो श्लोक आसा : भाशेकडेन निखटें पळेलें म्हणून ती दिसता अशी ना. ती कानार पडली म्हणून आयकली अशी जायना. जो तिका पूर्ण वळखता ताजेचकडेन– जशी बायल घोवाकडेन– तशी ती कसलोच आडपड्डो धरिना. कोशकाराकय हेंच लागू जाता.

–0–

साहित्य अकादेमी

कोंकणी उजवाडावपां

शर्ण गोंयबाब : रा ना. नायक २–५०/–

प्रेमचंद : प्रकाशचंद्र गुप्त
अनुवादक : ओलिव्हीन गोमिश ४/–

काजी नजरुल इस्लाम : गोपाळ हाल्दार
अनुवादक : पुंडलिक नारायण नायक ४/–

कांदीद : व्हॉल्तेर
अनुवादक : मनोहरराय सरदेसाय १५/–

भगवान बुद्ध : धर्मानंद कोसंबी
अनुवादक : बाकीबाब बोरकार २०/–

कोंकणी कथा संग्रह : सपादक : चंद्रकांत केणी ४०/–

कोंकणी काव्य संग्रह : संपादक : बाकीबाब बोरकार १८/–

आनी तांका मनशांत हाडले : झवेरचंद मेघाणी
अनुवादक : रवीन्द्र केळेकार २५/–

कवि कथा : लीला मुजुमदार
अनुवादक : गुरुनाथ केळेकार २/–

गालिब : एम. मुजीब
अनुवादक : नारायण वडोलकर ५/–

English Publications

Who's Who of Indian Writers 100/–
Rajatarangini by Kalhana (reprint)
translated by R S. Pandit 100/–
Dalgado – The Man and the Scholar
by Fr. A Pereira S. J 12/–
The Golden Treasury of Indo–Anglian Poetry (reprint)
edited by V. K Gokak 40/–
Contemporary Indian Short Stories
Series – I (reprint) 5/–
Series – II (reprint) 20/–
Contemporary Indidn Literature
(Symposium) (reprint) 25/–

साहित्य अकादेमी – प्रादेशिक कार्यालय

१७२ मुंबई, मराठी ग्रंथसंग्रहालय मार्ग,
दादर, मुंबई ४०० ०१४ फोन : ४१३५७४४

बावल्यांची लग्नां

– प्रकाश वि. तळवणेकार
देवसू, कोरगांव

१५ ऑगस्ट १९४७ दिसा भारताक स्वतंत्रताय मेळली. शिक्षणाचो गांवांगांवांनी प्रसार जालो. तशेच हेर वाठारांतय आमच्या देशांत उदरगत सादल्या. कुडुचोश्रद्धा, पोरन्यो रुठी, परंपरा आता ना जाल्यात असे आमी म्हणतात. पुण ह्या देशांत आजूनय भुरग्यांची लग्नां जातात हे सांगल्यार तुमकां खरें दिसतलें ? पुण ही गजाल खरी आसा. राजस्थानांत आजुनय भुरग्यांची लग्न पद्धत चालू आसा. 'इंडिया टूडे' ह्या अेका व्होडल्या मॅगझीनातल्यान हाचो रिपोर्ट बरोवन संबद देशांत धवळ घातला.

राजस्थानांत घराभायर मातयेच्या विटांनी वणत बांदिल्ली आसता. रात जावपाक येता तशी ह्या वणती भोवतणी वाडयावयल्या लोकांची गर्दी जमता. गर्दी अर्द गोल पद्धतीन रावता. राजस्थानांतल्या गांवांनी अशें चित्र दिसलें म्हळ्यार भुरग्यांच्या लगनाचो तो बोवाळ हें हांगाच्या जणएकल्या मनशाक खबर आसता. अशी लग्नां आयली कांय एक–दोन म्हयने घरांतल्या लोकांक, गांवकारांक आनी लग्न आशिल्ल्या भुरग्याक झेम नासता. घराक रंग काडप, वणतींचेर वाघ, हत्ती, सोरोप, मोर, झाडापेडां अशी जायत्या भासाची चित्रां काडप अशे तयारीक घरांतले लोक लागतात. धाकल्या, व्होडल्यांचो बोवाळ सुरु जाता. लगनांतल्या ह्या पयल्या समारंभाक चाळीस किलोमिटरा पयसचे लोक देखून सजयल्या ट्रॅक्टरांतल्यान (भुरग्या) न्हंवऱ्या–व्हंकलेक हाडतात; तर कांय भुरग्या नवऱ्या–बायलेक हाणीर मारुन आवय घेवन येतात. सगळ्याक अेका वळीन बसयतात. न्हवऱ्या भुरग्याच्या तकलेर ताका सांबाळाना आनी जड जाता असो व्होडलो पारंपारिक फेटो बांदता. फेटयाचे वजन जड जाल्यान तो भुरग्याक सांबाळाना आनी परते–परते तो भुरगो आपली वाकडी जावपी मान तायट धरपाचो यत्न करीत आसता. फुडाराची आपली सून म्हण त्या चलयेची सासू आपल्या धाकटुले सुनेक आपल्या कुशीक बसयता.

लग्न समारंभाक मदयान रातीर मंद दिवे पेटत आसतात. पांच दादले आनी पांच बायलो अेकामेका सामकारा बसतात. जमिल्ली गर्दी आनी वातावरण पळोवन कांय लग्न करपाक हाडिल्ली भुरगी सामकी भितात आनी आपल्या आवय बापायक घट्ट धरून रावतात. ह्या लग्नांतल्या दर भुरग्याच्यांच्या व्होराक १० मीण्टा तरी आदी येवन रावचे पडटा. लगनाची वरात दारांत आयल्या उपरान्त आपुण हांगा पावलां हे दाखोवपाखातीर दार उगडतकूच व्होडल्यान गावपाक सुरु करतात. ह्या गीतान खोशी उगतायता. खोशेचो उमाळो हाडपी 'ओ केसारिओ' हे तांचे पारंपारिक लग्नगीत मंदपणान हेळे काडीत बायलां हें गीत गायतात. अशाच तरेन जायत्या गटाचे व्होराचे लोक गायत–गायत येता ह्या लग्नावेळार चलो–चलयेची आवय तांबडे आनी गुलाबी कापडां, पोलके, न्हेसतात. आंगावयल्या कापडार भरतकाम केलें आसता. संबद आंगार चानी–भांगराच्यो वस्ती तसेच हेर बऱ्योव वस्ती तांच्या आंगाखांदार आसतात. व्हंकलेचो बापूय मात धोतर–सदरो, फेटो असो धवोफुल्ल भेस करतात.

लग्नाचो वेळ लागी आयलो तरीय लग्न जावपी कांय भुरगी गोड झेमेंत आसतात. तर कांय जाणा आपल्या आवय बापायच्या आंगार आसतात. लग्न लावपाच्या विधीक पंडित व्होडलो वगत घेयना. ताणे एका तरेची कुरू करतूकच न्हवऱ्या व्हकलेचो आवय–बापूय लग्न करपी भुरग्यांक लग्न लावपाच्या जाग्यार व्हरतात. ह्या वेळार एक खास भेस करून तांका नटयल्ली आसता. ह्याच भेसान तांका थंय तयार केल्या होमकुंडा भोवतणी तीन फावटी चलयेक तर चल्याक एक फावट फेरो मारचो पडटा आनी धाकटुली ४–५ वर्सां पिरायेची भुरगी देखून अेकामेकांची घोव–बायलां जातात. हो कार्यक्रम सोपल्या उपरान्त आपापल्या भुरग्यांक तांचे आवय–बापूय घरा व्हरतात. चली जेन्ना वयांत येता आनी घरच्या लोकाक ती एक बायल आनी घरकान्न म्हण आपल्या घराकाराक शरीरान हेर भाशेन सांगात दिवपाक फावा जाता, अशें दिसल्या उपरान्त चलयेचो आवय–बापूय ताच्या भुरगेपणान लग्न जाल्या घोवाच्या घरा धाडतात. तो मेरेन दोगांय आपापल्या घराच रावतात. दोगां भुरग्यांची लग्नां लागली आनी तांतूतल्या चलयेचो घोव मदेंच पिडयार जालो तर त्या चलयेक पुराय पिराय रांडाव बायल म्हण रावचे पडटा. परतून ताका दुसरें लग्न जावपाक मेळना आनी त्या चलयेचो अख्खो फुडार काळोखांत घुस्पता.

भुरग्यांची लग्नां करप कायद्यान गुन्याव आसा अशी पद्धत आपणावपी लोकांआड कडक ख्यास्त तशेच कांय दोस बंदखणीत उडोवपाची तजवीज आसा पुण हाजी कोणेय तरी तक्रार करपाक जाय आसता. तशेच साक्षी जाय आसता. ताचे बगर पोलीस जांव सरकार अशा लोकांआड कांयच कारवाय करुं शकना, अशे हांगच्या पोलीस अधिकाऱ्याचे म्हणणे आसा. राजस्थानांतल्या खेडयां–गांवांनी हाची पाळां–मुळां खोल गेल्यात की ह्या लग्नपद्धती आड आवाज उठोवपाक गांवांतलो कोणच फुडें येयना. अेका वर्साक ह्या गांवांनी अशी १० हजार भुरग्यांची लग्नां जातात. हातूतल्यान वर्साक चुकोन एक–दोन अशे किरकोळ तक्रारी पोलिसालागी येतात.

ही लग्नां लावपी पंडीताक म्हुर्तबिर्त लागना. ताका जाय ताच्या मनाक येयक तशी तो ही लग्ना लायता. जोधपूरालागच्या अेका धाकटूल्या वाडयार ह्या वर्सा अशी २० लग्नां लायल्यात. तरीय ह्या वर्सा थंय शेतावेर दुकळ पडिल्ल्यान लोकांच्या हातीन जाय तितलो पैसो घोळाना आनी लग्नांची संख्या उणी जाली. पयर हांगाच्या अेका गांवांत ६० लग्नां आसली. जोधपूरसून वीस किलो मिटरार आशिल्या अेका गांवांत १८ लग्नां जाल्यात. अशा लग्नावेळार रस्ते भरोन वोतात, बेस्टे रस्त्यावयल्यान चलोन वचपाक देखून मेळना.

भुरग्यांची लग्नां ही कायद्याच्या आड आसात, ही खबर आशिल्ले शिकिल्ले सोयरे, शेजारी देखून उमेदिन आपली हजेरी लायतात. ह्या लग्नाक कोणय सरकारी मनिषबिन आसलो जाल्यार ते रोखडेच वळखतात आनी तांका मारून धांवडतात. सरकार ह्या

कांक जागृताय हाडपाक जायतो यत्न करता पुण ताचो कितेच ग जायना अशें आज मेरेन थंय दिसोन आयलां.

कांय जाग्यार लग्न जातकूच चलयेक घोवाच्या घरा धाडतात. चली वयांत येतकूच ताचेर जबरदस्ती करपाचो यत्न तशेच यट वागणूक दिवपाच्यो घटना देखून घडतात; तर कांय जाग्यार लयेक म्हयन्या पाळी आयल्या उपरान्त घोवाच्या घरा धाडपाची त आसा. पयल्या बांळटेराक चली आपल्या बापायच्या घरा वता. ा वेळार भुरगे जन्मतकच बरेच धर्मिक विधी करचे पडतात. ाका बरोच खर्चूयबी येता आनी हो सगळो खर्च चलयेच्या ापायकूच करचो पडटा.

अशा पद्धतीन लग्न केल्या भुरग्या बायलेचो भुरगो घोव दर्यार मेलो, गांव सोडून पयसुल्या गांवां पावलो, ना जाल्यार मागीर होडलो जातकच आपल्या बायलेक आपणावपाक न्हयकार दिलो तर ागीर ती चली तशीच उरता.

राडांव बायलांक परते लग्न जावपाक मेळना. पुण पटेल माजांत अशा विधवा बायलेक परतून लग्न जांव येता पुण ते ाणल्या मनश्यालागी. आनी ह्या मनश्याची बायल मेल्ली आसूक ाय. कितल्याश्याच वेळार असलो न्हवरो हो त्या चलयेचो बापूय जावा अशा पिरायेचो आसता. मागीर ताका बेगीन म्हातारपण ेता आनी बायलेचे तरणाटेपण पिडुचार जाता. कांय समाजांत सो भुरगेपणातलो न्हवरो मेल्यार ताच्या भावावांगडा लग्न ावपाची रीत आसा. रजपूत घराण्यात अशी राडांव बायल परते ग्न जाय नासताना आपल्या कुटुंबामदेच रावता.

ह्या लग्न पद्धतीन पटेल समाजतांले लोक खुब्ब कडक ासतात. भुरगेपणान लग्न जाल्या उपरांत मागीर जर ताच्या ोवान ताच्या बायलेक आपणावपपाक न्हयकार दिलो तर ताका कडक ख्यास्त दितात. अशाच अेका तरणाटचाक ताणेन ायलेक स्विकारपाक न्हयकार दिलो म्हण– ४०,००० रुपया त्या ायलेक दिवचे, तशेच घरा लागची पायवाट निवळ करची अशी ख्यास्त फरमायली.

आठ–णव भुरगी आशिल्ल्या गरीब आवय–बापायक जण- ेकल्या भुरग्याचे दर अेक वर्सा लग्न लावपाक जायना म्हण मागीर ह्या सगळ्या भुरग्यांचे वांगडाच लग्न लावन दितात.

भुरग्यांची लग्नां भुरगेपणान करप हाच्या फाटल्यान कांय जणाचे अशेय विचार आसतात कि, जिवित हें अनिश्चीत आसा, केन्ना किदें जायत ते सांग जायना, फुडाराक हांव मेलो तर ? आजून ह्हजो आवय–बापूय आसा ताच्या साक्षीन आनी आशिवार्दान ातवांचे लग्न जावप ही अेक भाग्याची गजाल.' अशा भावनेतल्यान कांय जाण चिंतात तर कांय जणाचे भुरग्यांची लग्नां जाली हळधार आपले वयलो भार गेलो अशें दिसता.

ह्या लग्नाक कोणी-कोणी वचचे हे लोकांनी आदीच थारायल्ले ासता. लग्नाच्या व्होराक येवपी खर्च चलयेच्या बापायचो आसता. ांवां–गांवांनी अशी जायती लग्नां आसतात तेन्ना आपल्या लागीच्या ोयऱ्यांकडे लोक पयली वतात.

कोंकण टायम्याची सातवी कोंकणी निबंद सर्त

वर्सावळीप्रमाण अंदू कोंकण टायम्स अकाच्यावतीन सातवी निबंद सर्त आयोजित केल्या. या सर्तेतल्या– जैतिवंताक पांच इमानां भेटयतले. ही सर्त उगती आसून कोणेनूय वांटो घेंव येता. पिरायेची वा कसलीच अट ना. इनामां फावा जाल्ले निबंद कोंकण टायम्साच्या दिवाळी अंकांत उजवाडायतले.

सर्तेखातीर विशये अशे आसात :–

१) कोंकणी भाशेवरवी गोंयकारांक लाभ-

२) गोंयांतल्या शिक्षणाचें भाशा धोरण.

३) गोंयकरांचे हांवेस.

४) गोंय स्वयंपूर्ण कशें जातलें.

५) गोंयांतल्या पर्यटन उदरगतीत गोंयकारांक लाभ आनी लुकसान.

६) म्हाका आवडलेलें कोंकणी पुस्तक.

७) साहित्य अकादमी पुरस्कार फावा जाल्लें कोंकणी पुस्तक.

८) म्हाका आवडलेल्यो कांय कोंकणी कविता.

९) गोंयांतलो समान नागरी कायदो.

निवळ अक्षरांत कोंकणी भाशेंत बरयल्ले निबंद ३० सप्टेंबर १९८६ मेरेन पावत अशे, संपादक, कोंकण टायम्स, बेती, बार्देश गोंय ४०३१०१ या पत्त्यार धाडचे अशी विनंती आसा.

बरें मागून,

तुमचो

संपादक

स्वतंत्रते भगवते
तुला शतशः प्रणाम

हिंदवी स्वराज्याच्या मूलमंत्राचा
घोष जेथून भारताच्या
दाही दिशात निनादला
ते महाराष्ट्र राज्य आज
कृषि, उद्योग, आरोग्य, सिंचन
आदि अनेक क्षेत्रात आघाडीवर आहे.
साहित्य संस्कृती आणि सामाजिक
समतेचा येथे नित्य जागर आहे.
राष्ट्रीय ऐक्य, अखण्डता आणि
सर्वधर्म समभावाचे ब्रीद
यामुळेच महाराष्ट्रात प्रगतीच्या
या अमीट पाऊलखुणा उमटल्या.
हीच महाराष्ट्राची अस्मिता.
कारण –
एक भूमी, एकध्वज आणि
एक राष्ट्र मानणाऱ्या
संस्कृतीचा तेजस्वी इतिहास
या राज्याला सदैव लाभला आहे.

महाराष्ट्र राज्य :
प्रगतीपथावर अग्रेसर.

माहिती व जनसंपर्क
महासंचालनालय,
महाराष्ट्र शासन

कांय वेळार अशा लग्नां अुपरान्त चलो आपल्या भुरगेपणान जाल्या लग्नांतल्या बायलेक आपणावपाक तयार जायना तर कांय वेळार चलयेक शिकोन गिन्यान येतकूच आपणाक तो न्हवरो फावासो ना, ताची ती लायकी ना अशे दिसल्यार ती चली देखून कांय वेळार बंड करून उठता. अेका तरणाटचा चलयेन ह्या प्रथे आड आवाज काडप हे चुकोन घडटा. आनी असो आवाज काडप यत्न केलो तरी तो आवाज घराच्या वणती भायर पडाना. अशी आवाज काडपी इद्रा हि २० वर्सां पिरायची अेका केंद्रीय मंत्र्याची चली भुरगेपणान ६ वर्सांची म्हळ्यार 'वायट–बरे, समजावन घेवपाची पिराय नाशिल्ली, तेन्ना तिचे लग्न केले. पुण व्होडली जातकच तिणे त्या भुरगेपणान लग्न लायल्या घोवाबरोबर संसार करपाक विरोध दाखयलो. उपरान्त बापूय अेक मंत्री आसून लेगीत ह्या चलयेक ताणेन खूब्ब तरेन त्रास दिलो पुण तरीय त्या चलयेन हे सगळे लोकामुखार हाडलेंच.

ह्या अशा लग्नांत, घरांत मागीर बरीच मजा चलता. कपाळाचेर चौकोनी भांगरा–चानीचे तिळे लावन बायलां बोवाळत आसतात. तशेच बायलां गीत गायत आसतात. अेका काळखेकुडीत बिशिले मनीसं 'अमल' नांवाचे पिवपाखातीर केल्ले अेक पिवाप पियेत आसतात आनी खबरांक बरो रंग चडटा. तशेच 'खाजा' हो एक पदार्थय लग्नांत वांटतात. लग्नाचे जेवाण ज्या जाग्यार करतात थंय कडक पारो चलता. व्हंकलेच्या घरा वचच्या पयली जेवणबिन मातशे आड पडतात. अेका दुसऱ्या वाटेन आनीक पार्टी चलता. सांजवेळार घोव–बायल अशा दोनय वटेचे लोक गांवांत अेकठांय येतात. दुडू–दागीन्याचे दिवाप–घेवाप जाता. परतून पिवपाक अमल वांटतात, बायलां अेका वाटेन गायत आसतात. व्हंकलेक खास पारंपारिक कपडे आनी वस्ती घालतात आनी परत कांय धर्मिक विधी जातात.

लग्नांतलो निमणो कार्यक्रम लागी पावता ते वेळार व्होरांतले लोक गावपाक सुरवात करतात. चली आपल्या घोवाच्या घरा वता म्हण चलयेवटेचे लोक दुखी जातात. कांय कुरवो करतकूच बायल आपल्या घोवा वांगडा घरभरवणेच्या प्रवासाक लागता आनी घरा पावता. दुसरे दिस सकाळी जोडप्याक लग्नांच्या पारंपारीक कपड्यांनी न्हेसयतात आनी अेकामेकाच्या कपड्यांची गांठ मारतात अेका खासा रंगाच्या कापडाखाला देवळांत हो कार्यक्रम जाता.

अुपरान्त धवेफुल्ल पीठ गांवांतल्या वाटेर शिपडायतात. ताच्या वयल्यान जोडपे तापिल्या रेंवेंतल्यान उकत्या पायांनी चलत वतात. आपापल्या घरासामके लोक रांगेन उबे आसतात ते लोक न्हवऱ्या–व्हंकलेक गीत गायतात आनी हो लग्नाचो कार्यक्रम सोंपता.

अशा तरेच्या लग्नाक लागोन दादलो–बायलेक तांच्या आवडीनिवडी प्रमाण आपलो सांगाती वेचपाची संदच मेळना; तशेच ही लग्न पद्धत लोकसंख्या वाडोवपाक भर घालपाचेच काम करता. आनी हातुंतल्यान अेका फाटल्यान अेक प्रश्न उप्रासतात.

–●–

अशोक भोसल्याच्यो कविता

हळुच मोगा

हळुच मोगा येवंचे तुवें
वेंगेत म्हजे लिषचे तुवें
सैमरंगी संगीत मोगा
कोमुळ कशें गावंचे तुवें

हळुच मोगा येवंचे तुवें
फूल कशे फुलचे तुवें
परमळान भवंर पिसो
अमृतान न्हावचें तुवें

हळुच मोगा येवंचे तुवें
कुटुन्यानी खेळचे तुवें
कांजी पोंदा मेळ गो मीगा
भिरण कशें रंगचे तुवें

हळुच मोगा येवंचे तुवें
लजत-लजत मोडचे तुवें
चान्नी याद घेवन मोगा
तृप्त जावन वचचें तुवें

कित्याक मोने

तूं अशें कित्यास मोने
सांग तुज्या मनांतले ॥

तडवी दडक घेवन आयलां
अुमाशेचे सुकते बेळेर
तू अशें कित्याक मोने ....

चान्नी भरती घेवन यो
खळखळाय ल्हारंन ल्हार
तूं अशें कित्याक मोने ....

वेशीर पिसो माड अुबा
ताच्या शेंडचार घोंटेर रितो
तूं अशें कित्याक मोने ...

वान्या सांगात घेवन यो
सळसळाय चुडटां कवळो
तूं अशें कित्याक मोने ...

दान तुकां

पावसा म्हज्या दारां येवन
वस्तीक मात्सो राव ॥

झाडां-वालीर आंकरी फुटूंक जाय
फुलां फुलूंक जाय ॥

निळे ओलीर अिंद्रधनू जाय
सप्तरंगी अिंद्रधनू जाय ॥

यो वान्या हाड कुपां
झडय दुकां गळय दुकां ॥

सूपभर मोतयां दितां तुकां
दान तुकां दितां तुकां ॥

गा हांव पनेळावरी

म्हजे पनेळाचे बाणीर
बसचे कोणेय केन्ना तरी
म्हजे तारयाचे जीणे मदी
गा हांव अुदकावरी ॥....

घेतलां मर्ण तायटार
थेयलां काळीज येंन्यार
मारता वली उदकार
गा हांव बसलां सुकाण्यार ॥....

दोनूय काठां मरी
फुलयतां गीत ल्हांरांवरी
तिनूय पारा म्हजे दारी
गा कोणेय येवचे केन्नातरी ॥....

ल्हारां अुसळटा किरणां कणी
चंद्र परजळता रांगोळो
बसचे कोणेय वगलेसरी
गा हांव पनेळावरी ॥....

खोर्न

संवसार खोरनातले
आमी पाव
भितर घालतकच
भाजतात
वळणतात
करपतात
फुलतात
आनी अेक दीस
खोर्न जावन पेट्टात
दुसरे पाव भाजपाक

दिता जाल्यार

दिता जाल्यार चडसो तुजो मोग दी
मोग नासल्यार अिल्लो तुजो राग दी

रूप तुजे गुलाबाचे काटचांमदलें फूल
फुला परस पोल्यावेलो तांबसो तुजो रंग दी

पयस गेला चान्ने घेवन बियेचो चंद्रीम
नासूं चान्ने पिशा कळचाक अिल्लो तुजो धग दी

आयले तू बिजूल जावन वतना कांय सांगलेंना
खंय गेलें मात्सो पावलांचो तुज्या माग दी

गोपांत येवंक विसरूं नाका हांसते तुजे ओंठ गो
ओंठावेलो सोबीत तीळे अेक ताजो डाग दी

माये

माये – म्हज्या रगताच्या थेंबा-थेंबात
तुजीच म्हुर्त आसा.

माये – तुज्या रागाच्या वादळा फाटल्यान
मोगाचो दर्या अुसळटा.

माये – तुज्या गळचांतल्या गळटल्या
दुकाच्या अेका थेंबान
म्हजे धरतेचो प्रलय जाता.

माये – आपुण सगळचाक आसा
हेंच दाखोवंक धनयांन तुकां निर्मील्या.

माये – तुजो हांसो
म्हज्या जिवितरुखाचे फूल.

माये – म्हाका वस्तीनी सोब येना
तुवें मायेन फाटीर भोवडायल्या हातान येता.

माये – दोंगराच्या तेंगशेल्या कटचार
म्हाका फांसार चडोवंक व्हरत–
तुजीच याद येतली
म्हज्या खातीर तुवें भोगलेल्या कश्टांची
माये म्हाका पयली याद येतली.

मानी झोपां

मानी झोपां मानी गोंडे
वयर–वयर मानी शेंडे ।।

अेकली अेकसूरी नीट अुबी
देखल्या कोणे मान रुजलेली
रूजली जाल्यार जमनीन आडवी
नातर झाडाचे धिकयेर अुबी
मानी झोपां मानी गोंडे .....

झोपांतल्यो मानी पडना आड
सांगातान पाश्ट कसो माड
मळबा तेंकूक निसण कशे
अेकामेका हातांत हात
मानी झोपां मानी गोडे .....

अुर्बा हांवेस मानी झोपा
ताचे ठांय वसलेलो
वयर–वयर चडचेलो
मळबा माथ्याक तेंकचेलो
मानी झोपां मानी गोंडे .....

आयले मोड आयले हुंवार
मानी झोपां जायना जार
वान्या सांगात सळसळचेलो
तांचेर भार – तांचेर भार
मानी झोपां मानी गोंडे .....

फांतोड

– दिनेश भरणो

नेमुन लग्न करून जेन्ना आपल्या व्हंकलेक, जायुक घरा हाडलें, तेन्ना आपणे आख्या संसारातली सुंदरकाय बुड्डून हाडल्या अशें ताका दिसतालें. ताजी व्हंकलुय तशी आशिल्ली सुंदर, गोरी, रूपान देखणी, बऱ्या नाका–दोळ्यांची, बऱ्या आंगलोटाची. नेमुक हें सगळें बेस बरें आवडतालेंच. पुण ताका सगळ्यान चड आवडतालें तें जायु हांसपाक लागलें की ताज्या उजव्या पोल्यार पडपी पॉक. तें इल्लेशें पॉक जायुच्या पोल्यार पळेलें की नेमू सामको फुलून येतालो. ताजो दिस जायुच्या उजव्या पोल्याकडेन पळोवन उजवाडतालो. ताका पळोवन दर वेळा ताज्या आख्या कुडींत खीण दोन खिणांक अेक गोड शिरशिरी रिगताली. नेमुक ताका पळेत राव दिसतालें. आख्खो दिस, आख्खी रात. ताका पळोवन तो दिसभर व्हव–व्हव भितल्यान, स्वास सोडीत पेटतालो, परत दुसरे दिसा जायुच्या रूपाक, उजव्या पोल्याक पळोवन ताजो दिस उजवाडतालो, अेक नवो दिस.

हरशीं अस्वडी ती दोगांच आसताना जायू केन्ना नेमुकडेन पळोवन हांस नाशिल्लें आनीक आख्खो दिस ताज्या सांवळेक लेगीत राव नाशिल्लें. ताका लागून उजव्या पोल्याक पळोवपाक आंवडुपी नेमू निर्शेतालो. जायु अस्वडी हांसनाशिल्लें आनीक लागीं राव नाशिल्ले ताजे कारण म्हणल्यार ताजी आजी. जायू बोरयेचें, आवय–बापायचें एकलें चेडू. ते चार–पांच वर्सांचें आसताना, पावसाच्या दिमानीं, अेक दिस, जायुक शेजाऱ्यांबरोबर खेळूंक दवरून, शेतांत पलतडीं कामाक वतना व्हडें परतून दोगांयकूय म्हयेन तळाक ओडून व्हरून आपणाल्या गोपांत आपणायल्लीं. जायुक किदें जालां तें कळच्या पयलींच ताका आज्जेन, आवयच्या आवयन, ताका आपल्या पाळवापोंदा थारावन दवरील्लें आनीक वाडयल्लें.

आज्जेन लग्नापयलीं जायुक किदें करप आनिक किदें नाका हें सारकें समजावन सांगिल्लें आनिक तांतूत घोत्राकडेन अस्वडी कोण नासतना हांसप, किटकिटप हें बस नाशिल्लें. ताका लागून तें नेमुकडेन पळोवन अस्वडी हांस नाशिल्लें. पुण हरशीं घरांत कोणुच बायलमनीस इश्टीण आयली की तें तिज्याबरोबर हांसत–खेळत पोटभर उलयतालें. ताका लागून नेमुक जायुच्या खबरीक कोणुय आयलो की जिवाक बरें दिस आनिक तें वचपाक लागलें की नेमू ताका गजाली सांगून आगरो करत आडावन दवरी. पुण कितलेंय जालें तरी जायुन नेमुक मात कुडीच्या भुकेन केन्ना वळवळपाक लायलोना. जितलें तें दिसा नेमुच्या पयस रावतालें तितलेंच रातचें ताज्या गोपांत रिगतालें, आनिक नेमू जिनसानीं भरिल्लें कुडीचें ताट केन्नाच रितें न जावपी अशें अक्षयपात्र, तातुंतले जिन्नस पोटभर जेवतालो.

नेमू कामाक लागलो की ताजो हात धरपी आख्या पांच–गांवांत कोण नासतालो. तो माड पाडगक पुडें, शेताच्या दिसानीं तीं नांगरपाक पुडे, काजी दिसानीं रोस पिळपाक, गार्फां दिसानीं गार्फांवयले आंबे देवोवपाक तो सगळ्यान फुडें. जरी भुरगो जालो तरीय ताजी हुशारकाय पळोवन हेर मानाय ताका मानतालेय बी. काम करुनुय तो आंगापिडान बरो भरिल्लो आनिक ताका रोकडी तिडक येता म्हणुन, ताजें कोल्ल फिरत म्हणुन कोण ताज्या वाटेकुय वचपाक ताका भियेताले. पुण घरांत लग्न करून जायुक मात हाडलां ताजें कामावयलें चित्त उडिल्लें, ताका दर खिणाक दोळ्यांमुखार जायू आनिक ताचो उजवो पोलो दिसतालो. तसो तोय माडार चडताना सट्ट करुन हात सुटत म्हणून हेर जाण आपयतो आसताता लेगीत तो घरांत बसून आसतालो. पुण नेमुसारको एक नंबरचो पाडेली आनिक मानाय घरांत कुसून पडटा अशें दिसतकच हेर वांग-

ड्यांनीं आपापल्या बायलांक जायुकडेन धाडून नेमुक शिटकावपाक सांगलें. जायुन त्या रातवो नेमुक तापोवन काडून जर कामाक गेलोना तर आपुन कुळारा आज्जेसरीन वचुन रावतलें असो नेमुक भंय घालो. तेन्नासुन नेमू सारको कामाक वचपाक लागलो.

जायुय कामाक वताचें एक दिस बरीं धा-बारा बायलां एका आयतारा, नेमुच्या घरा येवन तीं कारखान्यार काम करतात त्या कारखान्यार काम करपाक येवपाचो आगरो जायुक करपाक लागली. ती सगळीं जाणां एका सुंगटा सोलून डब्यांत बंद करूत भायय देशांत धाडपाच्या कारखान्याचेर काम काम करपाक वतालीं. जायुन पयलीं नेमुक विचारलें, मागीर एका आयतारा आज्जेक विचारपाक नेमुक घेवन गेलें. आज्जेन वच म्हणून सांगल्याबरोबर तें कामाक वचपाक लागलें. नेमुन जायुक पैशाच्या आशेन कामाक वचपाक सांगू नाशिल्लें. हरशी नेमुक जायु कामाक वचच्या परस घरांतूच राविल्लें जाय आशिल्लें. जायुक दिस गेल्ले. आनी अेकदीस शाली. जन्मलें.

साडे-अकरांचोसो सुमार जाल्लो. नेमू एका भाटकाराचे भाट पाडपाक गेल्लो. सगळ्यानीं मेळून १०-१५ माड पाडिल्ले. इतल्यांत एक मोटारसायकल घेवन एक पायलट आयलो. तो धांवत भाटांत येवन 'नेमू कोण, नेमू कोण' कांय म्हणून विचारपाक लागलो. लागींच जमनीर आशिल्ल्या पाडेल्यानीं ताका एका माडार बोट दाखोवन 'किदचाक' म्हणून विचारलें तो पायलट तांका 'तेज्या बायलेक कारखान्याचेर आक्सिनेत जाला, आखें तोंड हुलपुन रायबंदरा हॉस्पिटलांत व्हेला म्हाका तेका घेवन येवच्याक सांगला' अशें म्हणपाक लागलो. भाटकाराच्या कानार ही गजाल पाडेल्यानीं घालीं. भाटकारान सगळ्यांक तोंडांर बोट दवरून वगी राव म्हणून सांगले. आनीक अचळय नेमूक उलो मारून आसा तसो सकयल देंवपाक सांगले.

पायलटान हॉस्पिटलाच्या दारांत मोटारसायकल थारायल्या-बरोबर नेमूचे पाय कडकडपाक लागले. तो थंयच दाराकडेन बांक आशिल्लो ताजेर बसलो. पायलटान लागच्या गाडयावयले एक सोद हाडून ताका पियोवपाक दिलें. ताका हाताक धरून इश्काद चडपाक लायली, पायलट पैशे घेवपाक थांब नासतना पळ्ळो. हें सगळें पळोवन ताचें काळिज तोंडात आयिल्ले. ताका पैशाचें लेगीत शिंतित उरूंक नाशिल्लें.

जायू एका खाटीर न्हिदील्लें. ताज्या आख्ल्या तोंडार धवी पट्टी बांधिल्ली. फकत नाकाक आनीक दोळ्यांक बुराक दवरील्ले. हेर कूड सगळी सारकी दिसताली. दावोय दंड धव्या पट्टेन बांदिल्लो. आज्जेक कोणेन तरी गाडयेन हाडील्ली. ती उशाकडेन बसून दोळे धांवून मणयाची माळ ओडताली. जायूक न्हिदपाचीं दोन इंजेक्सावां दिवन न्हिदयल्लें. कारखान्यांतसून हॉस्पिटलांत हाडताना खंय बाबड्यान खुप्प हुयेली मारील्ल्यो म्हणून ताका पयल्या-पयलीं दोन इंजेक्सावां तोपून मागीर वखर लावन सवकासायेन पट्टी बांधिल्ली.

नेमूक जायूची दशा पळोवन खुप्प वायट दिसलें. ताका खुप्प जाणानीं समजावन, समजावन मतीक थंडसाण हाडली. ताका तकलेक शांतताय हाडपाक पुराय एक म्हयनो लागलो. तो एक म्हयनो तो कामाक गेलोना. एक म्हयनोभर जायू हॉस्पिटलांत उरलें. आनीक मागीर घरा आयलें. जायू हॉस्पिटलांत आसामर नेमू नेमान सद्धा उठून ताजे खबरेक येतालो, आज्जेक खानावळींतल्या जेवणाचो डबो हाडून दितालो, शालीची खबर आज्जेक आनीक जायूक दितालो. आज्जेमुखार जायू आनीक नेमू एकामेकाकडेन उलय नाशिल्लीं. आजी पांय सदळ करपाक ह्यांगा थंय भोंवपाक गेली कीं नेमू जायुच्या उश्यासरीन बसून ताजेकडेन उलयतालो. ताका शालीची खबर सांगतालो. आज्जेन धाकट्या शालीक हॉस्पिटलांत हाडूं नाका म्हणून सांगिल्लें.

जायू घरा आयलें. आज्जेन आपुणूय पंदरा दिसाक येता म्हणून आगरो धरिल्लो. पुण जायून 'आनीक एका म्हयन्यान तुका हाडपाक धाडतां' अशें सांगून आज्जेक तिच्या घरा धाडिल्ली. ताका नेमूच्या तोंडार गिराणाची सावळी दिशिल्ली आनीक ती सावळी पयस जायसर जायूक ताज्या आनीक नेमूच्या मदीं कोण नाका आशिल्लो.

जायू घरा येतकच दर एक ताजी खबर घेवपाक येतालो. ताजें तोंड काळें-काळें घुस पडिल्लें. ताजे दावे वटेनचे केंस हुलपल्ले. दोतोरान ते परत येवपाची आस्त कमी आनीक तोंडाचो काळो रंग जल्मभर वच्चोना म्हणून सांगिल्लें. तें घरा आयिल्ल्याक नेमून ताज्या तोंडार नदर लेगीत घालूंक नाशिल्ली आनीक ताज्या कुडीक बोट-लेगीत लावंक नाशिल्लें. ताजी जायूवयली कुडीची वासनाच उडिल्ली. ताका आपल्या जीणेंत दिस वचून केन्नाच न वचपी काळी-काळी रात आयिल्ल्या भशेन दिस. काळी-काळी रात. जायू किदें वाडता तें मोन्यानी, उमथ्या मानेन जेवन तो तोंडार हात दवरून शेंदरेर आड पडतालो. शालीक सुद्धां लागी घेवन खेळय नाशिल्लो. रातचो आड पडलो की ताज्या दोळ्यांमुखार जायूक एकूण घडिल्लो प्रकार ताज्या दोळ्यांमुखार येतालो. न्हिदलेकडे सगळें सोसूं नज जावन नेमू बेजार जातालो. आनी मागीर ताजी न्हिदच वताली.

रातभर हें सगळें चितप सोसूं न जावन नेमुन पडवेंर हात-पांय आपटीयतालो. जमिनीर आवाज जातकच शाली भंयान उठचें. जायून ताका वेंगात धरुन थापटून वोगी करुन परतें न्हिदोवन आपुणूय न्हिदलें.

जायुक बरे तरेन खबर आशिल्ली कीं नेमुच्या तोंडावयलें गिराण एक ना एक दिस तरो बतलें म्हणून. तें तिष्टत राविल्लें. आनीक तो दिस उजवाडलोय बी. दिस आयताराचो आशिल्लो. ग्रामदेवतेची पालखी आशिल्ली. सगळ्या पाडेल्यानीं त्या दिसा पाडपाक न वचपाचें अशें थारावन रातचें एकठांय जावन न्हावन-धुवन पालखेक वचपाचें थारायल्लें. जायुनूय जेवणार किदेंय गोडशें करपाचें थारायल्लें.

सकाळी उठून न्हावन-धुवन नेमू म्हाताऱ्या मांजराक मांडयेर घेवन ताका सांसपीत ताजी अपुरबाय करीत बशिल्लो. इतल्यांत ताजे सरीन नागडें-बेताळें शाली आपल्या इल्ल्या-इल्ल्या पावलांनी चलत आयलें. जायू रांदताना शालीन गोड पळोवपन तें मागपाक सुरवात केल्ली. जायून उपाय करुन शालीचे गोडावयलें चित्त कशेंच

वचनाशें पळोवन ताका बापायकडेन वचून माग म्हणून धाडील्लें. बापायच्या मांडयेर मांजर पळवन शाली गोड विसरलें. शालीच्या अपुरबायेक मांजर लागी राव नाशिल्लें. आयतें बापायच्या मांडयेर मांजर मेळताशें पळोवन ताका भोव खोस जाल्ली.

शाली बापायसरीन आयलें आनीक ताणेन मांजराच्या कानाक आपल्या इल्ल्याइया हाताचो बोचको मारुन तो ओढून आपल्या निकत्याच फुटगी उतरानीं म्हणलें, ' दादऽऽऽय, माऽऽ अं! ' आनीक खोश्शेन भरुन येवन हांसत बांपाकडेन पळोवपाक लागलें. मांजर तर दुखेन ' व्हाँव व्हाँव' आवाज करतालें. तें रडप सोसूं न जावन शालीच्या कुल्यार एक ल्हान थापटी मारुन ताका दोळ्यांचो भंय दाखयतलो म्हणुन नेमून शालीकडेन पळयलें. पुण ताजो राग साप्प ना जालो. शालीचे निकतेच येवचे फुडपाक लागील्ले दोन दांत, सुंदर-सुंदर तोखेतां- तोखेतां शालीच्या उजव्या पोल्यार हांसताना पडपी पॉक नेमुक पयले फावटीं दिश्टी पडलें आनीक खिणाक ताका शालींत ताजें पयलींचे आवडीचें जायू दिसलें. ताका जीगेंत जायुच्या नव्या रुपांत आयिल्ली काळी-काळी रात शालीचें रुप फांतोड घेवन आयिल्ल्या भशेन दिसलें. ताणेन मांजराक मांडयेवयले धुकलून उडयलें. सुखावल्लें मांजर ' व्हाँव-फाँस्स् ' करत घरांत पळलें. नेमू शालीक मांडयेर बसोवन ताका खेळोवपाक लागलो. इल्लो-इल्लो ताजो राग देंवतालो ताचें निरशेणी ना जाताली. तो राग शालीन विरघळून उडयल्लो. एका वरा भीतर ताजो राग आनीक निर्शेवप निवळलें आनीक ताज्या मतिन चिंतपाक सुरवात केली. ताका बाबड्या जायुचो घडिल्ल्या घडणुकेंत कांय एक दिसलोना. तो फकत ताज्या आनीक जायुच्या नशिबाचो खेळ आशिल्लो. इतलो तेंप ताका आपणे जायूक बेठीच ख्यास्त दिली अशें दिसतालें हुलपल्ल्या मनावेर फूंक मारची साणून इतलो तेंप तो जायुचेर राग धरुन बशिल्लो हाजे ताका खूप्प वायट दिसलें.

त्या दिसा उमथ्या मानेन तो गोडशाचें जेवण जेवलो. फाटलें वाडील्लें तेंय जेवलो. गोडशें खालें आनीक हात धुवन पडवेंत आडवो पडलो. रातचो हेरांबरोबर देवळांत पालखेक गेलो. देवतेकडेन भोगसुणी मागली. पालखी जातकच पंचकादय घेवन घराकडेन आयलो. तिका मुंयो खायत म्हुण ती तोपापोंदा धांपून दवरली. पँट-बुशकोट देंवयलो. तांका खुंटयाळाक लावन ताणे हात-पांय धुवन पुसले. दिवो पालयलो आनीक अचळय शालीक जाग येनाशी करून जायुच्या वेंगात भोगसुणी मागपाक रिंगलो. जायुन आंगाची चोळी काडीत, उतरायत ताका विचाले, ' खंय गेल्लो रे तू इतलो तेंप ? ' नेमू ताका उतर दिवपाच्या दशेंत नाशिल्लो. इतल्या दिसाचो ताजो कोंडून उरिल्लो ओघ, ताका वाट मेकळी करून दिवपाक तो सोडतालो. ताच्या वोंठांतल्यान उतरां फुटना जाली तो फकत जायूच्या हून स्वासांत आपलो स्वास मेळयत रावलो.

DIRECTORATE OF FISHERIES

For better yield of Marine Resources it is absolutely essential that ecological balance of environment is not disturbed. Fishing by Mechanised vessels in the near shore waters and in the rivers during Monsoon is very harmful since these waters are nursery grounds where juvenile fish come for feeding and shelter. Indiscriminate killing of juvenile fish is the major cause for decline in fish catch. All the Mechanised boat operators are advised strictly to follow the provisions of Marine fishing regulation Act and stop fishing in prohibited areas.

भिकाऱ्याची खबर

– गुरुदास परवार

ती म्हजी पुण्यातली पयलींच फावट.तेन्ना इतिहासीक थळां पळोवचें देखून शेनवारवाडो पेशव्यांचो आदलो गिरेस्त राजदबार आयज घट्ठाण जावन पडिल्लो तरी ताजी सोबीतकाय आनि उगडास मात ताजेच कशे दिसताले शेनवारवाडो पळयत आसतना पन्नास वर्सा पिरायेचो अेक जाण्टो मनीस आमच्या म्हऱ्यात आयलो आनी बाजीराव आनी मस्तांनी हांच्या प्रेमाच्यो गोष्टीक जिवीत रुप दिवन सांगल्यो. त्या जाण्टया मनशान व्हडल्या अुमेदीन इतिहासिक घडा–मोडींवी आनी घडणूकेंची पुराय मायती सांगली जशें किंदे आपणेन ह्यो सगळचो घडणूको पळेल्यावरी आनी आमीय तागेल्यो सगळचो खबरी सामक्यो भुल्लौसून आयकल्यो.

दुसऱ्या दीस राजाभाऊ केळकरांलो वस्तू संग्रालय पळयल्या अुपरांत अेखादचा देवाचें दर्शन घेवचें म्हुण पर्वती नांवाच्या दोंगुलेर आशील्ली पेशवे काळांतली सगळी देवळां पळयल्यां उपरांत शिव–पुराणांतल्या शंकराचो पूत शडानन म्हळयार कार्तिकेय मंदिर पळोवन येताना वाटेर अेक जाण्टो आनी कुडुो भिकारी सांसपीत सांसपीत वयर चडटाना आमकां दिश्टी पडलो. तागेलें सांसपणे पळयना फूडें तो भिकारी कुडुो जांवये अशें मनांत आयलें.

अशी म्हजी खात्री जाली आनी हांवें धांवत वचून ताका हात दिलो ' देव बरे करुं पुता ' असो ताणें म्हाका आशिर्वाद दिलो. ' पुता म्हाका देवळा फुडल्या सोपणार व्हरून बसयशी ?' अशी विनंती केली. ताची विनंती हांव न्हयकारूं शकलो ना. म्हज्या इश्टांक म्हजी वाट पळोंवक सांगलें आनी त्या कुडुया भिकाऱ्याचो हात धरून हांव चलपाक लागलों. तो भिकारी पळोंवक भिकारी दिसा नासलो. गळयांत व्हडल्या रुद्राक्षांची माळा घालून तो एक तपस्वी साधूच कसो दिसतालो. हांवें हळू म्हज्या मनांत म्हळें येदो व्हडलो देव भक्त हो! पुण देवान ताचेर अशा परी दोळो फोडून अन्याय करप? म्हाका देवाच्या कोर्तुबाचो खिणभर राग आयलो.

त्या कुडुयाक हावें तागेल्या सदच्या सूवातेर बसोवन 'हांव वता' अशें सांगून येवपाक वळलों इतल्यान ' पुता तू खंयसान आयला?' त्या भिकाऱ्याचो साद म्हज्या कानार आयलो 'हांव गोंयचो आनी पुण्याक हाव इश्टागेर पुणे पळोवपाक खातीर आयलों अशे हावें सांगून दिलें. गोयचें नांव आयकना फुडें ताच्या मनांत आनी कुडुया दोळयांतल्यान दुखां देवलीं आनी दुखेस्त कंठान ' गोंयांत तुजो गांव खंय ? अशें विचारलें, जशें किंदे गोंयचो आनी ताचो पूर्वसंबंद गोंयची आपणाक खबर आशिल्योवरी अेका फाटल्यान अेक गोंयची बारीक सारीक चवकशी करूंक लागलो. ताचे अूलप आयकोन ताचो गोंयाकडेन किंदे तरी नातें आसूये अशें सहज म्हाका दिसल्यें आतिक त्या रुद्राक्षधारी भिकाऱ्याक ' तुजो गांव खंय? म्हणपाचो प्रस्न हांवें केलो. पुण तो गांव–नांव सांगपाक मातसो गणमणलो आनी कांय वेळान आपूण मुंबय कल्याणचो रावपी अशें सांगलें. पुण आपणालें नांव मात सांगपाक तो कसोच तयार नाशिल्लो ताच्या त्या उलोवपान म्हजें मनाक कशेंच समाधान जालें ना ' तू म्हाका किंदेय तरी फटयता ? निर्जीव दोळयांतल्यान परत अेकदा दुखां शेंणली.

'पुता तू हुशार, देव तुका खुप व्हड मनीस करू. असो परत अेकदा नितळ मनान आशीर्वाद दिवन आपूण तुझ्याचवरी गोंयांत जलमलो गोंयचो पुत पुणऽऽ अशें म्हणोन तो गंभीर झालो चेहऱ्याचे दुखाचे सांवट पडलें.

' तुका गोंयांत कोणूच ना ?' बाबा कठीण वेळार कोण पावला? सोयरे दायरे लेगीत पयस वतात! अशें म्हणून तो आपली खबर सांगूक लागलो त्या दीस फाल्यारूच बाप्पा शेळो निवळ पियोवन खेडयांतल्यान कोण्यांक गेल्लो. कोणे वोडशीताना हात सुटोन शेवटोन तळपावयल्यान सकल पडोन अेक खुट ताज्या जांगडा भितो रोमलो. बरगेंल्या खूटाचो अेक कुडको भितोरूच मोडून अूल्लो. बाप्प तसो धाटेमोटे जिवाचो देखूच सगल्यो वेदना आंगांतल्या आंगांत सोसल्यो आनी मोठचा धाडसान रोमलोलो खुट जांगडातल्यान ओडून काडलो. जखम बरीच खोल जावन रक्ताची धार लागली रगत कशेंच बंद जायनाशिलें. माथ्यार वेठीलेंलो वालो सोडलो आनीक घायाक बांदलो आनीक ल्हव ल्हव करुन घरा आयलो. घराकडेन येनाफुडे घुंवोळ येवन भुवेंर पडलो. इतलेंच निमीत जावन तीन म्हयन्याच्या दुयेंसान बाप्पा सोपलो.

बाप्पा मरोन अेक वर्स जालें. आमचें बरेंच जेवणाखाणाचे हाल जाताले. आवय, हांव आनीक बोलू आमी तिगांच मनशां आवयक सूप, ओल्ली किंदेय करून गांव भोवताली आनीक आमची पोटां भरताली, पुण तिजेकडेन आमकां पोसपा इतली आसपत जाय नाशिल्ली. तेन्ना गांव वाडयार भोवन वाडयो मागून हाडच्यो पडठाल्यो. केन्ना, केन्ना मागून हाडिल्यो वाडयो तापोवन खावन रावचें पडटालें. अशेंपरी गांवांत आमचे पोटाचें बरेच हाल जाताले अेक दिस काकू आमच्या खबरेक म्हुण आयल्ली. आमचे हाल जाता ते पळोवन तिणे व आंमका आपल्या म्हऱ्यात साश्टीक व्हेली.

साश्टीक आमी खावन जेवन बरी आशिल्लीं. साश्टीक आमकां बरेंच काम मेळटालें. हावूंयबीन आवयच्या कामांत हात घालतालो चड पयस कामाक वचचें जाल्यार आवय म्हाका आपल्या आधाराक घेवन वताली त्या दिस आवय आनी हांव पयसुल्या अेका गांवांत कामाक म्हण भायर सरून गेली. म्हज्या धाकटचा भावाक 'बोलूक' शेजारच्या किरीस्तावांगेर दवरलो. खरें म्हळचार आमच्या जातीची साश्टीक कोणूच शेजारीं नाशिल्ली, देखून धाकटचाक बोलूक किरीस्तावांगेरूच दवरचें पडटालें. आमच्या फाटल्यान बोलू रडत जाल्यार ते किरीस्तांव शेजारी आपल्याली चाव अुदक ताका दिताली. खुब दिसांनी आमच्याच गांवचो अेक मनीस आमगेर साश्टीक पावलो. आमी कोणूच घरा नाशील्ली बोलू भूकेन रडतालो. त्या किरीस्तांव शेजाऱ्यानी त्या माणकुल्या भुरग्याक आपणाकडचें चाव भरयली जांवये. त्या गांवच्या मनशांत पळयलें आनीक आमी किरीस्तावांगेर रावतात, जेवतात, खातात अशे म्हण गांवांत येवन सगळ्या लोकांक सांगलें.

गांवात किंदे जालें कोण जाणा जेन्ना आमी गांवांत 'चवथीक' गेल्ली तेन्ना गांवमेळो जमून आमकां 'बाटकी' म्हण गांवां भायर काडली. म्हजी आवय आमी बाटूंक नात अशें म्हण सगल्यामुखार रडून आकांत करून सांगताली, पुण गांवच्या जाण्टचा मनशांक ताका आमी गांवां भायर काडटा, तुमकां जर गांवांत रावचें आसा जाल्यार रावात. पुण तुज्या त्या धाकटूल्या भुरग्याक मात आमी जातीतल्यान काडून अूडयला. इतलेंच आयकोन म्हजी आवय खुप रडली. तिणे णाव म्हयने पोटात साबाळलेलो तो भूरगो लोकांच्या आनी जातीच्या भिरांतीन काळीज निबर करून ज्या किरीस्तांव घरांचे अजाण भुरग्यान अन्न खाल्लेंले त्या घरांत धाकटूल्या बोलूक दिलो. आवयक आपलो माणकूलो भूरगो जिते-पणीच मेल्यावरी जालों आनिक म्हजो भाव म्हाका ...

आमी बाटली म्हण बेटीच कोणी तरी धाकस घातली देकून म्हज्या धाकटचा भावाक बोलूक आवयक बाटवचें पडलें. आतां आमी गांवाकूच रावताली. कश्ट करुन, ना जाल्यार कोणायच्या दारार भीक मागून आवयन हाडप हातूतच आमचें चलतालें. हाली-हाली आवय चिंतनानी सामकीं लागी आयिली. तिच्यान काम नजो जालें म्हाका बुध आशिल्ली पुण म्हजेकडेन धड काम जायना शिल्यें देखून हांव कोणेय सांगता तितलेंच काम करतालो. म्हज्या भुरग्यापणान हांव आवयक केन्ना केन्ना म्हण्टालो हांव व्हडलो जालो म्हण्टकच काम करून तुका पोसतलों पुण आवय सुस्कारोन म्हण्टाली 'हांव मेल्या उपरान्त तू भीक मागपाक पडटोलो. अेक दिस अुपसमारांनीच म्हजी आवय सोपली आनी हांव पयस गांव सोडून घरदार सोडून खुप पयस-पयम पावलों इतलें सांगून तो मोनो कसो वोगीच रावलो. आता ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळ नासली. पुण ताच्या दोळ्याच्या खाचींत गुडुप काळोख दाटलेलो म्हाका दिश्टी पडटालो.

-▣-

HOTELS

falling in

ONE & TWO STAR CATEGORIES

will be classified in Goa itself as per norms and guide lines laid down by the Government of India

Interested parties may collect details From :

The Director of Tourism
Govt. of Goa, Daman & Diu
Tourist Home, Patto,
PANAJI - GOA.

कॅलेंडर

– मांगिरीश शां. काकोडकार

नवें वर्स लागलें की नवें कॅलेंडर घेवपाची सगळ्यांक उमळशीक लागता. कांय जाण विकती कॅलेंडरां घेतात, कांय जाणांक बरे मागतल्याकडच्यान ती फुक्याक मेळतात आदल्या वर्साची कॅलेंडरा गुठली जावन कोनश्याक पडतात आनीक नवीं नवीं वण्टीर दिसूंक लागतात.

दुकानदारांक ह्या तेपार बरीच गडबड आसता. तांच्या दुकानानी कॅलेंडरां व्हरतल्यांची गर्दी जाता. खुप फावट खऱ्या गिरायकापरस फुक्याक कॅलेंडरां व्हरतल्यांचीच गर्दी चड आसता. दुकानदारूय आपली जायरात जावची म्हूण सगळ्यांक मेकळ्या हातान कॅलेंडरां दितात.

हांव कॉलेजींत शिकतना घडलेली गजाल याद जाता हांव मडगांवां बी. ए. च्या दुसऱ्या वर्साक आसलो. दनपारचो थंयच खानावळीत जेवतालो. नवें वर्स लागिल्लें आनीक नवी कॅलेंडरा भायर सरिल्लीं. त्या खानावळीतलो अेक पोर भायर वचून लॅलेंडर घेवन आयलो उक्ते करून पळयत जाल्यार ताजेर देवाचे चित्र! 'हूँ, कसले कॅलेंडर दिलां,' अशें म्हणून तो भायर गेलो आनीक दुसरें कॅलेंडर घेवन आयलो मालकाक ही गजाल कळ्ळी.

'व्हदळ अेक कॅलेंडर हाडिल्लें न्हय रे तुवें?' मालकान विचाल्लें.

'तें बरें नासले' पोरान सांगलें.

'हें बरें?? बरे म्हळ्यार कसलें तें? पळोवया,' अशें म्हुणून मालकान तें उगते केलें ताजेर अर्द नागड्या नटयेचें चित्र आसलें.

'व्वा व्वा? हें कॅलेंडर बरें व्हय रे,' मालकान म्हळें गिरायकां हांसूक लागलीं तो पोर बाबडो लजेन तांबडो जालो.

सांगपाचे म्हळ्यार हाली सगळ्यांक देवापरस नटयांची कॅलेंडरां चड आवडतात. कांय जाणांक जाल्यार तारखांपरस कॅलेंडरावेल्या चित्रांचेच म्हत्व चड आसता. अेक फावट अेकलो कॅलेंडरांखातीर म्हज्या फाटी लागलो. हांवें चार वर्सा आदले कॅलेंडर ताका दिलें. ताणे ताजेवेलें चित्र पळयलें आनीक तारीख, वर्स पळयनासतना तो ते घेवन गेलो. मागीर जायते खेपे तो म्हाका मेळ्ळो तुजे कॅलेंडर घरच्या सगळ्यांक आवडलें म्हुणून ताणे म्हाकां सांगलें. ताका आनीक ताच्या घरच्यांक तारखापरस कॅलेंडरावेलें चित्रच चड म्हत्वाचे आसले.

कांय कॅलेंडरावेर पंचांग, भविश्य, पाककला कांय लेख आदी आसता. असल्या कॅलेंडरांक खपच बरोच आसता.

कांय जाण घराच्या डेकोरेशनाखातीर कॅलेंडरांचो उपेग करतात. ज्या ज्या जागांनी वण्टीक बुराक पडल्यात वा रंग गेला वो भुरग्यानी पेन्सीलीन भिरकटायला त्या त्या जागांनी हे लोक कॅलेंडरां लायतांत हाका लागून घराची लज उरता.

पोरन्या कॅलेंडराचोय उपेग जाता. तांच्यो ल्हान ल्हान चिटयो करून तांचेर एक किल मुग, अर्द किल रवो, पांच किल गंव अशें विकते घेवपाच्या चिनसांचे लिस्ट वा एक चादर, दोन शर्ट, पांच तुवालें अशें मडवळाचे बील करुंक मेळता.

घरांक एक कॅलेंडर आसल्यार खरें म्हळ्यार सगळ्यांक पुरो. पुणून एका कॅलेंडरान कोणावेच समाधान जायना. कुडीक दोन दोन, चार चार कॅलेंडरा लायतगीर आमकां सू जाता. घरांक नवें कॅलेडर आयलें की ताजेवेले चित्र पळोवपाचीच गळ्यांक उमळ–शीक आसता. सगळ्यांत बरे कॅलेंडर आपल्या कुडीक कशें लागतलें हाजो विचार प्रत्येक जाण करता.

कॅलेंडर नवें आसतना ताजो फकत तारखो पळोवपा पुरतोच उपेग पुणून ते पोरने जातकीर ताजो चड उपेग जाता. पुस्तकांक वा कादेर्नाक कव्हर घालपाक, बारीक सारीक लिस्टां करपाक, सामान बांदपाक तांचो उपेग जाता. कांय जाण कॅलेंडरावेल्या नट वा नटयांची चित्रां काडून ती मोटारीच्या, ट्रकांच्या आरशाक दसयतात.

म्हज्या एका इश्टान इंदिरा गांधीचे एक कॅलेंडर लायिल्लें. ते सकल पडल्यार इंदिरा गांधी मरतली अशें तो म्हुण. वाऱ्यान ते खूब फावट जमनीर पडलें पुणून इंदिरा गांधी मेली ना. ती जेन्ना खरीच गुळी लागून मेली तेन्ना तें कॅलेंडर सकल पडलें काय ना ते हांव नकळों.

म्हजो आमिक एक देवळांत देवाक प्रसाद लायतात. तसो कॅलेंडरावेल्या देवांच्या चित्रांक प्रसाद लायतालो. कॅलेंडराच्या दोन वटीनी दोन फुलां लावप उजव्या हातचे फुल पडल्यार काम जातलें, डाव्या हातचे फुल जो मेरेन पडता मेरेन तो परत परत प्रसाद लायत बसतालो. पयले खेप दावें फूल पडल्यार परत लावप, परत दावें पडल्यार परत लावप, परतच तेच पडल्यार परत लावप अशे तरेन उजवे फूल पडसर ताजो प्रसादाचो प्रोग्राम चालूच उरतालो.

कॅलेंडरांवयल्यान मनशांचो स्वभाव वैशिष्टां आवडी निवडी कळूंक येतां. नटयांची बायलांची कॅलेंडरां लावपी आंबट शौकीन, देखाव्यांची कॅलेंडरा लावपी कलाकार, देवाची लावपी धर्मीक वृत्तीची मनशां आसतात. कांय जाण चित्रां नाशिल्ली, नसत्या तारखांचीच कॅलेंडरां लायतात. हे रुक्ष आतिक वेवहारी बुद्धीचे आसतात.

जाल्यार अशी ही कॅलेंडरां एकवेळ नुस्त्या बिगर गोंयकाराचे जायत, सकाळचो च्या पिना आसतना कोणी रावत, पुणून कॅलेंडरां–चेर नदर घातल्याबगर कोणाचोच दिस वचना. –✿–

खंत

आयकात उलो म्हजो
आयकन दिसता जाल्यार
सांगता काणी म्हजी
सांगपाक येता जाल्यार

त्या बंगल्यानी –

श्रीमंत घालयता हांसत खिणा
हांव मात रडत
म्हजी खंत कोण जाणा ?

पुण देवा –
पावलो न्हय कांय म्हजो उलो तुज्या कानार ?
दिल्यात पक्वानांची ताटां तांका
ना शेळीय भाकर म्हाकां
सांग केल्यात कसली पापां
देखून ही म्हज्या हाती रीती मापां

– धाकटू दा. परवार

म्हाकां मेळूंक येतलो तेन्ना
चांन्न्या रात घवन यो
चांन्न्या राती मंद वाऱ्यार
तालार पावला
उडयत यो.

म्हाका मेळूंक येतलो तेन्ना
पुनवे चंद्रीम जावन यो
बाटेर मागपी सगळ्या जाणांक
चांन्ने तू
बांटीत यो.

म्हाका मेळूंक येतलो तेन्ना
मोगऱ्या परमळ घेवन यो
घुंद त्या परमळाचे
पिशे म्हाकां लायत यो
म्हाका मेळूंक येतलो तेन्ना
दर्या माज घेवन यो
व्हडें म्हजे व्हले तुजे
सगल्यांक भोंवडा
करून यो

– शांती सदानंद प्रभू तेंडुलकार

Independence Day Resolution
Trinity To Be Preserved

Unity gifted people of Goa with rare

The Trinity

That gifted people of Goa with rare
collective wisdom and
A very wide vision with
which they have
built by their own hardwork
During last 25 years of Freedom,
an imposing and magnificent
Socio – Economic monument
which needs
to be protected and preserved
at any cost and sacrifice
So that the generation now
and the future
may live with happiness
and contentment.
Independence Day Anniversary
is a better occasion to resolve
to protect this TRINITY – THE
UNITY, PEACE AND HARMONY

Produced by :-

Department Of Information
Govt. of Goa, Daman & Diu,
Panjim - Goa.

भुरग्यांखातीर पारंपारिक कोंकणी काणयो

पुंजावपी : तुकाराम शेट

मूंय आनी वानोर

रानांत एक वानोर आसलेलो आनी गांवांत अेक मूंय आसलेली. वानोर मुंयेकडे येवन विचारूं लागलो, ' मुंये आमी नाचणे रोवया गे ?' तर रोवया म्हुण सांगले तिणे. जमीन पळोवपाक मूंय उलो करून विचारूं लागली.

– आरे आरे वानोरा
आयज बरी जमीन
पळोवंक वयची मूंड

वानोर आंब्याच्या झाडार बसोन सांगपाक लागलो.

– आयज येतां मुंयेऽ
फाल्यां येतां मुंयेऽ
घोटीचीं घोटां खातां
भोंव बरी लागता
मुंयेऽऽ मुंयेऽऽ

तो जमीन पळोवंक येयना जालो तशी ती जमीन पळोवंक गेली. जमीन पळयल्या उपरान्त कवळां मारपाक वानराक आफोवंक गेली.

– आरे आरे वानोरा
आयज बरी कवळां
मारूंक येवचो मूंऽ

– आयज येतां मुंयेऽ
फाल्यां येतां मुंयेऽ
घोटीची घोटां खातां
भोंव बरी लागता
मुंयेऽऽ मुंयेऽऽ

त्या बराबर बाबडी अेकटी मूंय कवळां मारपाक गेली. तिणे जमनीवयल्या झिली आनी झाडां माल्लीं. आनी परत ती वानराक आफोवपाक गली.

– अ रे आरे वानोरा
आयज बरी जमीन
लासूंक येवचो मूंऽ

– आयज येतां मुंयेऽ
फाल्यां येतां मुंयेऽ
घोटीची घोटां खातां
भोव बरी लागना
मुंयेऽऽ मुंयेऽऽ

तो येयना जालो. त्याबराबर मारलेली सगळी कवळां घालून तिणे जमीन लासली. उपरान्त मिर्गा दिसा पावस पडपाक सुरू जालो. तशी ती वानराक सांगपाक लागली.

– आरे आरे वानोरा
आयज बरो नाचणो
पेरूंक येवचो मूंऽ

– आयज येतां मुंयेऽ
फाल्यां येतां मुंयेऽ
घोटीची घोटां खातां
भोव बरी लागता
मुंयेऽऽ मुंयेऽऽ

तिणे मात्शी वाट पळयली आनी मागीर तिणे आपापलो नाचणो पेरलो. नाचणो किल्लोन बरो जालो, मागीर ती नडोवंक आफोवंक गेली,

– आरे आरे वानोरा
आयज बरो नाचणो
नडोंक येवंचो मूंऽ

– आयज येतां मुंयेऽ
फाल्यां येतां मुंयेऽ
घोटीची घोटां खातां
भोव बरी लागता
मुंयेऽऽ मुंयेऽऽ

तो आयज फाल्यां करीत रावलो. तिणे नाचणो नडलो आनी शेणाचें सारें माल्लें. नाचणो बरो वाडलो. नाचण्याक मुठी येदी बरी बोणां जालीं आनी ती पिकलीं. तेन्ना ती वानराक आफोवंक गेली.

– आरे आरे वानोरा
आयज बरो नाचणो
काडूंक येवचो मूंऽ

– आयज येतां मुंयेऽ
फाल्यां येतां मुंयेऽ
घोटीची घोटां खातां
भोव बरी लागता
मुंयेऽऽ मुंयेऽऽ

तो येयलो नाच. तिणे नाचणो काडलो सुकात घातलो. नाचणो सुकल्या उपरान्त ती वानराक साद घालपाक गेली.

– आरे आरे वानोरा
आयज बरो नाचणो
बडोवंक येवचो मूंऽ

– आयज येतां मुंयेऽ
फाल्यां येतां मुयेऽ
घोटीची घोटां खातां
भोव बरी लागता
मुंयेऽऽ मुंयेऽऽ

तिणे अेकटेनूच सगळे कश्ट करून नाचणो बडयलो. वारें करून भल्लो आनी मुडयो बांदपाक तो अफोवपाक गेली.

– आरे आरे वानोरा
आयज बऱ्यो मुडयो
बांदूक येवचो मूंऽ

– आयज येतां मुंयेऽ
फाल्यां येतां मुंयेऽ
घोटीची घोटां खातां
भोव बरी लागता
मुंयेऽऽ मुंयेऽऽ

आफोवनूय तो येयलोच ना. सगळें काम तिणेच केलें तिणे मुडयो बांदल्यो. सगळ्यो मेळून शंबर मुडयो बांदल्यो. अदर्यो बांदल्यो फातराच्यो. अदर्यो बांदल्यो नाचण्याच्यो मुडयो बांदल्या उपरांत वांटूक तरी आफोंवचो अशें तिणे येवजिलें आनी ती वानराकडे वचोन ती साद घालूं लागली.

– आरे आरे वानोरा
आयज बऱ्यो मुडयो
वांटूक येवचो मूंऽ

मुडयो वांटूंक म्हुण तो धांवोन येयलो आनी मुडयो वांटपाक लागलो. जड लागता ती मुडी आपल्यावशीन दवरता आनी ल्हव लागता ती मुंयेवशीन दवरता... जड लागता ती मुडी आपल्या वशीन दवरता आनी ल्हव लागता ती मुंयेवशीन दवरता. अश करून सगळ्या मुडयो वांटल्यो मुडयो घेवन वानर आपल्या घरा गेलो आनी मूंय मुडयो घेवन आपल्या घरा गेली. तर मुंय मुडी फोडटा तितले नाचणे जाता आनी वानोर मुडी फोडटा तितले फातर जाता.

-❋-

आनुल्लेची हुनुल्ली

अेका घरांत हुनीर आनी हुनुल्ली आसली. ती हुनुल्ली हुंदराक विचारुं लागली, 'खीर करुंया आमी ?' 'करुंया' म्हुणू लागलो. तर ती हुनुल्ली किदें सांगना, 'तूं गोड आणि तांदूळ घेवन यो.' तो गोड, नाल्ल, तांदूळ घेवन येयलो. तिणे तोप हाडलो. मागीर तिणे शेजाऱ्नीक विचाल्लें, 'कशी बाये ती खीर करता?' तिणें सांगलें, अेक पांय चुलीच्या खुरार दवर आनी चाळ खीर करता ती' चाळ म्हुणटाना तिणे किदें केलें, अेक पांय खुरार दवल्लो आनी चाळटा चाळटां हुनुल्ली पडली खिरींत. उपरान्त हुनीर येयलो तेणे तिका सगळ्याक सोदलीं तर ना. 'हुनुल्लेऽ हुनुल्लेऽ' म्हुणून तेणे दोन–तीनदां उलो केलो आनी आतां म्हुणू लागलो 'आतां हांव खीर खातोलों.' म्हुण तो खीर खावंक गेलो काश्यान काडली खीर आनी खाल्ली अेकदां. दुसरे खेपो खावपाक काश्यान काडूंक गेलो तेन्ना हुनुल्ली मेळली खिरीतली. हुनुल्ली मेळळ्याबराबर तेका दिसलें, देवा म्हाजी बायल मेली, हांव आता खीर कशी खांव. तो बाबडो तोंडार ह'त दवरून भायर येवन बसलो. इतल्यान थंय येवन कावळो बसलो तो काव–काव अशें आड्डोन विचारूं लागलो, 'हुंदरामामा कित्याक चिन्तेनसो बसला ?' किदें सांगू कावळ्या मामा–

आनुल्लेची हुनुल्ली
हुन्दुल्लो पडली खिरींत
हुनीर चिन्ता करी
आनी कावळ्या तुजो

दोळो ऽ फुटों

कावळचाचो दोळो फुटलो. थंयसाकून कावळो उडलो आनी वडार वचोन बसलो. तशे वडान विचाल्लें 'ये ऽ कावळचामामा तुज्या दोळचाक रे किदें जालें ?' किदे सांगू वडामामा–

आनुल्लेची हुनुल्ली
हुनुल्ली पडली खिरींत
हुनीर चिन्ता करी
कावळचा तुजो दोळो फुटों
वडा तुजीं पानां ऽ झडों

अशे म्हुणून तो उडोन गेलो आनी वडाची पानां झडलीं. वड बोडको जालो. उपरान्त अेक गाय वडाचे सावळेंत नसपाक येयली. थंय तिका वोत लागलें. सावळी लागली ना. तिणे वडाक विचाल्लें, 'ये ऽ वडामामा तुजी सावळीशी लागना रे ? पानां तुजी किदें जालीं ?' वड म्हुणू लागलो, किदें सांगू तुकां–

आनुल्लेची हुनुल्ली
हुनुल्ली पडली खिरींत
हुनीर चिन्ता करीं
कावळचा तुजो दोळो फुटों
वडा तुजी पानां झडों
तपलें गायचें शि ऽ ग मोडों

तशें तपलें गायचें शींग मोडले. गाय तशीच उठली आनी उदीक पिवपाक तळचाकडें गेली थंय तळचान विचाल्लें, 'तपलें आका किदें गो तुज्या शिंगाक जालें ?' 'किदें सांगू तपल्याआका–

आनुल्लेची हुनुल्ली
हुनुल्ली पडली खिरींत
हुनीर चिन्ता करी
कावळचा तुजो दोळो फुटों
वडा तुजी पानां झडों
तपले गायचें शींग मोडों
तळें ऽ आटोंव

त्याबराबर तळें आटलें. सामकें सुकें जालें. थंय मोर न्हावपाक येतालो. मोरान किदें विचाल्लें, 'ये ऽ तळचाआका किदें गो ? तुजें उदीक आटलें कशें?' तर किदें सांगू मोरामामा–

आनुल्लेची हुनुल्ली
हुनुल्ली पडली खिरींत
हुनीर चिन्ता करी
कावळचा तुजो दोळो फुटों
वडा तुजी पानां झडो
तपले गायचे शींग मोडों
तळें आटों
मोऽर लांडों

मोर लांडो जालो. मोराचो फाटलो पाखांचो शेपाटो कोंचलो. लांडो मोर वयतां वयतां तेका वाटेक दादलो भेटलो. तो विचारूं लागलो, 'आरे मोरामामा तुजे शेपटेक रे किदें जालें ?' मोर म्हुणू ल गलो किदें सांगू–

आनुल्लेची हुनुल्ली
हुनुल्ली पडली खिरींत
हुनीर चिन्ता करी
कावळचा तुजो दोळो फुटों
वडा तुजीं पांना झडों
तपले गायचें शिंग मोडों
तळें आटों
मोर लांडो
तीळ दांडो
आनी तिळकाराच्या
माथ्यार शेंडों

अशें मोरान सांगीना फुडें तिळकार दादल्याच्या माथ्यार शेंडो जालो. तो तसोच घरा गेलो. घरा वच तर तेची बायल विचारूं लागली, 'आगा तुज्या माथ्यार शेंडो कसो जालो.' किदें सांगू घरकान्नीबाये–

आनुल्लेची हुनुल्ली
हुनुल्ली पडली खिरींत
हुनीर चिन्ता करी
कावळचा तुजो दोळो फुटों
वडा तुजी पानां झडों
तपले गायचें शींग मोडों
तळें आटो
मोर लांडो
तीळ दांडो
तिळकाराच्या माथ्यार शेंडो
आनी घरकान्नीबाये
तूं चवाय.

निमाणी घरकान्न चवाय (बेकार) जाली. घरांत कांय काम न करतां ती भोवपाक लागली

–❋–

कावळो आनी तांती

अेक खंय शेवणे आसलेलें. तें तातयां आपुणूच घालून खातालें. अेक दीस कावळ्यान विचाल्लें, 'किदें शेवण्या, तूंच खाता तांतयां ते. म्हाका दी मगो अेक. तुका जाय जाल्यार तूं तोंड धुवन यो. तोंड धुवन यो म्हुण्टोकुच तो तोंड धुंवक बांयचेर गेलो. तो उदकांत चोंच बुडोवन बुचूबुचू बुचूबुचू करू लागलो. बांयन विचाल्लें, 'कावळ्या, भट बिरामण म्हाजे उदीक खाता गंगा अशी म्हुणून आनी तूं तोंड घालून धुता ? तूं गाडगो घेवन यो तर तो कुमारागेर गाडगो हाडूंक गेलो. कुमाराक सांगू लागलो–

कुमर कुमरुल्या
दी गाडगुलो
काडीन पाणुलें
धुयन तोडुलें
खायन तांतुलें
उडोन जातुलें

त्यानंतर कुमरान सांगलें, 'चल, माती घेवन यो. वोगीच खंयचो गाडगो दिवं तुका करून.' कावळो माती हाडूंक गेलो. दोंगरार गेलो आनी दोंगराक चोंच आपटीता. चोंच आपटील्यार माती झडटा ? तेन्ना दोंगराक वाचा फुटली, 'आरे कावळ्या, तुजी ही चोंच माती खणटा आसताना मोडात तर तांती किदयान खातलो ? चल, खणपाक शींग घेवन यो गायचें.' तो गायी फुडयांत गेलो. आनी तिका सांगू लागलो–

गाय गायित्री
दी शिंगुलें
खणान मातुली
कुमर हातुली
करीन गाडगुलो
काडीन पाणुलें
धुयन तोंडुलें
खायन तांतुलें
उडोन जातुलें

त्याबराबर गायन सांगलें, चल शेतांतलें तण घेवन यो. मागीर तो शेतांत गेलो आनी चोंचीन लिंवपाक लागलो. तशें शेतान सांगलें, आरे कावळ्या– तुजी चोंच मोडली तर तांती कशें खातोलो ? तर तूं कोयती घेवन यो आनी कातरून व्हर. मागीर गायक घाल.' थंय साकून तो उडलो आनी मेस्ताच्या घराच्या दारांत वचोन बसलो. 'मेस्ता, मेस्ता, म्हाका कोयती जायी.' तर मेस्तान सांगलें 'तुका कोयती जाय तर हांगासरूच बस. हांव तुका कोयती हाडून दितां. मेस्तान कोयती हाडून चुलीत घातली तापात. आनी जेवणाच्या बोबाळांत मेस्त जेवंक बसलो. दारांत बसलां थंय बाबड्या कावळ्याक झेम येवपाक लागली. सगळो दीस नाचोन नाचोन कावळ्याक तांतीय खावपाक मेळोनासलें. कावळो झेमलो.... झेमलो. कावळो झेमता तो मेस्तान पळयलो आनी तापलेली तांबडी कोयती हाडून कावळ्याच्या तकलेक लायली. कावळो बाबडो फडफडोन मेलो.

–❋–

गाय आनी वाघ

अेक रान आसलेलें. त्या रानांत अेक वाघ रावतालो. रानाकुशीक अेक व्हाळ आसलो. त्या व्हाळाचेर पालीक म्हुण अेक गाय शेतांतल्यान खायत खायत वयर गेली. मागीर वयर दोंगोरया रानांतल्या व्हाळाचें उदीक पियेवपाक लागली. वयले उदीक सकयल व्हांवोन येयलें ते वाघान पियेलें. वाघाच्या मनांत जालें किदें, इतलें गोड पाणी तर वयर इतलो कोण आसा बरो ! वयर चलोन वचत तर गाय पाणी पियेता ती दिसली. तोंडातले पाणी इतलें गोड तर गाय कितली गोड असो म्हुण वाघान विचार केलो आनी तिका सांगलें, 'गायित्रे तुकां खातां ?' तर तिणे सांगलें, 'तूं म्हाका खा पुण म्हाज्या भुरग्याचो सांबाळ कोण करतलो ? वाघाक परतून येवजून येयले–

गायचो फेण इतलो गोड गाय कितली गोड
गायचो फेण इतली गोड गाय कितली गोड
सोदतां सोदतां वागमामा पावलो गाई फुडयांत
सोदतां सोदतां वागमामा पावलो गाई फुडयांत
आगे आगे गायित्री तुकां खातां
आग आगे गायित्री तुकां खातां
आगा आगा वागमामा म्हाका खाशी
बुध्या बाळाक म्हाज्या सांबाळ करशी

गायन वाघाक सांगलें, 'वाघमामा म्हाजो भुरगो आसा सांबाळटलो कोण तेका ? आपुण आसताना तेका दूद दिवन येतां. मागीर म्हाका खा ! तेन्ना वाघान सोपूत दी म्हुण सांगले. त्याबराबर तिणे सोपूत दिलो.

पयलो सोपूत दिलो तिणे सुर्यानारायणाचो
पयलो सोपूत दिला तिणे सुर्यानारायणाचो
दुसरो सोपूत दिलो तिणे तुळशीमायेचो
दुसरो सोपूत दिलो तिणे तुशीमाळयेचो

तिसरो सोपूत दिलो तिणे धरतरेमायेचो
तिसरो सोपूत दिलो तिणे धरतरेमायेचो
चवथो सोपूत दिलो तिणे बुध्या बाळाचो
चवथो सोपूत दिलो तिणे बुध्या बाळाचो
पांचवो सोपूत दिलो तिणे आपल्या जिवाचो
पांचवो सोपूत दिलो तिणे आपल्या जिवाचो

तिणे सोपूत दिलो आनी ती रडात आपल्या भुरग्याच्या फुडयांत गेली ती आपल्या पाडकाक सांगू लागली.

आताचे घडी खा बाबा
दुदावयली साय
वागमामा येत जाल्यार
तुकाच खाय
तर तो तिका विचारता
आगे आगे आई तुजें दूद कशें कडू
– आगे आगे आई तुजे दूद कशें कडू

तिणे सांगलें, म्हाका वाघान खातां म्हुण सांगलां. याखातीर म्हाका दुख येयलें आनी म्हाजे दूध कडू जालें.

त्यानंतर वाघ सोदूक येयलो तेन्ना बुधोबाळ सांगूक लागलो,

आरे आरे वागमामा म्हाका खाशी
म्हातारे आईक म्हाजे सोडून दिशी
तशी गाय म्हुण्टा–
आरे आरे वागमामा म्हाकाच खा
बुध्या बाळाचो म्हाज्या सांबाळ कर रे

तेन्ना वाघान बुध्याबाळाचो सांबाळ करपाचें उतर दिलें, आनी बाबडे गायक खाल्ली. बुध्याबाळाचो तो सांबाळ करूं लागलो. तेच्या गळयांत घांट घातली आनी तेका सांगले किदें, तुका जर कोणूय खावंक येत तर घांट वांजय. तेणे तकली हालयल्यांरूच घांट वांजपाक लागली. तेन्ना वाघ दोन तीन फावट धांवोन धांवोन येयलो मागीर वाघाक दिसलें. हेका कोण खायना हो फकाणा करता. म्हुण्टाना तो वाघ पयस गेलो तो वाघ पयस गेला तें पळोवन दुसरो वाघ थंय येयलो आनी बुध्याक खाल्लो. खाल्लो म्हुण्टोंकूच जालेना काबार सगळें.

(ह्यो काणयो सांगपी. श्रीमती मोलू चोडणकार)

('आमच्यो काणयो' या उजवाडाक येवपी पुस्तकातल्यान घेतल्या) –❋–

READ

PURABHILEKH–PURATATVA
[Archives-Archaeology]

A six monthly research journal which deals with the history of Goa, its relations with British and the neighbouring kingdoms, and covering descriptive account of ancient temples, forts, churches, etc. and which is acclaimed by the scholars of the world for its newer and newer reference data.

Available at Government Printing Press, and also at our Office PANAJI-GOA.

A publication from:

Directorate of Archives, Archaeology and Museum,
Govt. of Goa, Daman & Diu,
Rua de Ourem,
Panaji–Goa.

Phone No. 3232

GROW MORE FRUIT TREES AND VEGETABLES

Fruits and vegetables are essential for your healthy you require to consume them through out the year.

Fruits trees besides giving fruits, they provide shade leaves for manure & fuel, wood for furniture & fule and also help to get more rains.

From April to June, coconut & cashew seedlings, mango, other fruits grafts, and vegetables seeds are made available, From October onwards cold season vegetables seeds are made available.

For technical details and your requirements of planting materials please contact your nearest Zonal Agricultural Officer or Panaji sale Centre at Market shop No. 34.

Issued by :

The Director of Agriculture,
Government of Goa, Daman & Diu,
Panaji-Goa.

BOOK-POST

das Prabhu
Lon Bank.
man Resource
Manglore 575 001

MAKE USE OF YOUR LEISURE TIME
AND AVAIL OF THE MANY ANIMAL HUSBANDRY ACTIVITIES
LIKE MAINTENANCE OF :-

POULTRY FOR EGGS
PIGGERY FOR MEAT
CROSS BRED FOR MILK

TO HEIGHTEN THE PROTEINS IN YOUR FOOD
TO BRING PROSPERETY AND
TO OVERCOME POVERTY.

ISSUED BY :

Directorate of Animal Husbandry & Veterinary Services

Government of Goa, Daman & Diu,

PANAJI-GOA.